# चित्रंगी

दिवाळी १९८९

१५ रुपया

*With Best Wishes From :*

# GOA PAINTS & ALLIED PRODUCTS

**Prop. : Dempo Sons Pvt. Ltd.**

*Manufacturers of :*

Marine Paints and
Galaxite & Galaxy Brand
of Industrial and Decorative Paints.

*Reg. office*

DEMPO HOUSE
PANJIM
GOA

Cable : DEMPO
Telex : 0194 - 217
Phones : 6281 - 6287

A Commitment to EXCELLENCE.....

In the Industrial world of today the key to success is EXCELLENCE

In a deppressed world market for iron ore the only solution to survival is a continuous search for EXCELLENCE

At SESA GOA
we are is search of
EXCELLENCE

Excellence in innovative ideas and in the courage to implement them.
Excellence in our operating efficiencies and cost effectiveness.
Excellence in our Quality and Reliability.
Excellence in our actions and in our expectations.

At SESA GOA the search for EXCELLENCE will never end .....

# SESA GOA LIMITED

**Altinho, Panjim,**
**Goa 403 001**

## रुचीच्या जगांतली बाराखडी

ब्रिटानिया बिस्कुत्यांतली 'ब'
कॅडबरी चाकलेटींतली 'क'
डयूक्स थंड पेयांतली 'ड'

## मुरग्यांच्यो आवडटयो

**ब्रिटानिया :** ग्लुकोज मारी, बोर्बोन,नायन्स, ओरेंजक्रीम, गुड डे बिस्कुत्यो

**कॅडबरी :** डेरी मिल्क, फायव्ह स्टार, जेम्स, टिफिन्स, इक्सेर्स चाकलेटी

**डयूक्स :** मँगोला, टँगो, लेमोनेड, ओरेंजोला, किंगकोला थंड पेयां

सगळयांक दिवाळेची परबीं

मेसर्स **काशिनाथ दामोदर नायक**
**देविका बिवरेजस प्रायव्हेट लिमिटेड**

दिवाळी अंक १९८९

वर्स : १०  अंक : ११

# चिन्नंगी

बायलांच्या जिवितावें पडबिंब

संपादक
**हेमा नायक**

संपादकीय सहाय्य
**विनंती कासार**

मुखचित्र, सजावट आनी मांडणी
**श्रीधर कामत बांबोळकार**

जायरात वेवस्थापक
**पुंडलीक नारायण नायक**

छापपी
**हिरू नारायण नायक**
अपुरबाय प्रिंटर्स
वळवय - फोंडें - गोंय

उजवाडावपी
**हेमा पुंडलीक नायक**
अपुरबाय प्रकाशन
वळवय फोंडें
गोंय ४०३ ४०१

**मोल :**
**१५ रुपया**

कथा

शीला कोळंबकार

शांता कंटक

जयमाला दणायत

सुशिला टी. भट्ट

सुनिता धेंपे

रजनी भेंब्रे

मीना काकोडकार

जयंती नायक

कविता सतितल्यो जैतिवंत कविता

विजया नायक कोमारपंत

उज्वला आर. संझगिरी

नीता नायक

वासंती पालसरकार

दीपा पै

आजीमा रीक्स

स्मीता हेदे

सुफला कीर्तनी

कोंकणी शिशुगीतांचें सत्व

जयश्री जी. शानभाग

पुस्तक विमोचन सुवाळे : नियाळ

हांसयाळीं

नेहरू आनी गोंय

रवीन्द्र केळेकार

चंद्रकांत केणी

नेहरू : गोंयच्या प्रश्नांसंबंदान

काव्यांजली

मनोहरराय सरदेसाय

शंकर भांडारी

उदय भेंब्रो

सगळ्यांक दिवाळी आनी नवें वर्स
सुखासमाधानाचें लाबूं
अशी प्रार्थना !

अंकांतले

आमचे मानादिक बरोवपी, कविता सर्तित भाग घेतिल्ल्यो कवयित्रो, आर्थिक घटाय दिवपी जायरातदार, जायराती मेळोवन दिवपाक कश्ट काडपी आमचे बरें मागते, चित्रकार श्रीधर बांबोळकार, कविता सर्तिचे परीक्षक प्रा. नारायण देसाय आनी सोयरू वर्दे, अपुरबाय प्रिंटर्सचे धनी आनी तांगेले कुशल कामदार तेबपरी आमचे असंख्य बरें मागपी हांचे काळजानथावन उपकार !

# चित्रंगी

अंकांतलीं मतां त्या त्या बरोवप्यांचीं – संपादक

## संपादकीय –

□ बायलांच्या जिविताचें पडबींब आशिल्लो 'चित्रंगी' दिवाळी अंक अंदू धाव्या वर्सांत पावल मारता हें सांगतना अंतस्कर्णांतल्यान खोस भोगता. फाटल्या णव वर्सांत अंकांतल्यान बायलांच्या संबंदांत वेगवेगळें लिखाण उजवाडाक हाडलें. वेगवेगळ्या विचारवंतांचीं मतांय उजवाडायलीं. बायलांच्या संबंदीत प्रश्नांक वाचा फोडपाचें काम साहित्यीक माध्यमांतल्यान आमी करीत आसात. अंदू वर्सा बायलांचे साहित्य मेळ घेतले नात. पूण अपुरवाय प्रकाशनाचे वतीन चडानचड पुस्तकां उजवाडाक हाडून तांचे विमोचन सुवाळे घडोवन हाडपाचो वावर केलो. ह्या निमतान साहित्यीक लोकांची भेट घडूंक पावली. साहित्यीक बायलांचेंय एकामेकाक मेळप जालें. ह्या विमोचन सुवाळ्यांचो नियाळ अंकांत दिला.

□ बायल जोमेरेन फाटीं उरिल्ली, तोमेरेन सगळ्यांनी तिचे उदरगतिचो पुरस्कार केलो, तिच्या कलागुणांचें कौतुक केलें, तिका सवलती मेळोवन दिवपाचो यत्न केलो. पूण जेदेवेळार प्रत्यक्ष कर्तुत्व दाखोवपाचो वेळ आयलो तेदेवेळार तिका फावो ती सहानुभुती मेळ्ळी ना. वेल्यान तिचे पांय ओडपाचेंच यत्न जाले. मतदारांचे संख्येंत पन्नास टक्क्यांवयर बायलो मतदार आसतना विधानसभेंत आनी संसदेंत बायलाक तितलें प्रतिनिधीत्व ना ही गजाल खूब खंतिची. ह्या उणिवांची जाणीव वेगवेगळे तरेन घडोवपाचो यत्न जालो तरी लेगीत ताचो फावो तो परीणाम चालू राजकारणांत जाल्लो दिसून आयलो ना. गोंय घटकराज्य जालें. विधानसभेचे जागे वाडले तरी लेगीत पक्षाच्यो तिकेटो वाटटना दादल्यांमदींच इतली सर्त वाडली आनी अदाशीपणा जाली, तीं पळयतना बायलांक आनी झगडपाक जागोच उरलो ना.

नवें सरकार घडटलें तेदेवेळार सरकारांत आसतल्या दादल्यांनी बायलांच्या ह्या भावनांचो फावो तो आदर करून तांकां वेगवेगळ्या सुवातांचेर अधिकार दिवंचे जाका लागून तांच्या मनांतली ही खंत उणी जावंक पावतली. नाजाल्यार सत्तेच्या राजकारणांत बायलांक सुवात ना अशी समजूत बायलांची जावन पडटली.

□ अंदूचें वर्स हें नेहरू जल्मशताब्दी वर्स. तेनिमतान 'चित्रंगी' च्या अंदूच्या अंकांत 'नेहरू आनी गोंय' ह्या विशयावेले खास लेख बरोवन घेवन तांचो आसपाव केला. श्री. रवीन्द्र केळेकार आनी श्री. चंद्रकांत केणी, हाणी नेहरूंच्या सांगातांन आयिल्ले अणभव आनी यादो लेखांतल्यान मांडल्यात. तशेंच नेहरू : गोंयच्या प्रश्नासंबंदान हो Nations Solemn Commitments On Goa ह्या श्री. रवीन्द्र केळेकार हाणी संपादीत केल्ल्या इंग्लीश पुस्तिकेचो भावानुवाद हातूंत दिला. गोंय एक प्रदेश हे नदरेन, तशेंच गोंयचे लोक, तांची भाशा ह्या संदर्भात नेहरूंचें विचार कशे आशिल्ले ते हातूंत आसपावल्यात. कवी मनोहरराय सरदेसाय, आनी कवी उदय भेंब्रो, सर्गेस्त कवी शंकर भांडारी हाणी त्या काळार नेहरूजींचेर रचिल्ल्यो रचना आमी संकलीत करून 'काव्यांजली' म्हण अंकांत दिल्यात.

**– हेमा नायक**

*With Best Compliments From :*

# RECONDO LIMITED

10, PAI BUILDING
POST BOX NO. 155
MUNDVEL, VASCO - DA - GAMA




# नवी पिडा

शीला कोळंबकार

कितल्या तेपान गोयां गेल्लें. पावसांत. म्हळचार तशें मे म्हयन्यांत गोयांत वतालें केन्ना केन्नाय पूण गेल्ल्या दोन वर्सांत तेंवूय बी पावलें ना. ताचें अशें जालें. लग्न जालें. मुंबय पावलें. पयलीं लग्नाची नवलाय मागीर भुरगीं. तांची शाळा. वर्सां खंय गेलीं कळ्ळीं ना. भुरगीं व्हड जालीं. धावेक वारावेक पावलीं. मागीर तांचे क्लास माती आनी गोबोर. हांव घुस्पत गेलें. आनी गोंयाक पैसावलें. मे म्हयन्यातलें गोंय आनी ऑगस्ट, सप्टेंबरांतलें गोंय हातूंत फरक आसता ... कितलोसोच तेंप जालो गोंयचो पावस आंगार घेतलोच ना ... पावसांतलो दर्या पळेलोच ना ... देगेर उसळून येवपी ल्हारां आंगार घेतलींच ना ... ल्हाराल्हारांनी शिरशिरपी शेतां पळेलींच ना ... पावसांत न्हावन बशिल्ली तांवड्या नळयांचीं घरां पळेलींच ना ... सगळें सगळें पळोवपाचें आसलें.

हें सगळें पळोवपाचो योग ह्या वर्सा आयलो.

ह्या वर्सा आईगेर पांच दीस गणपति दवरिल्लो. आईलें आग्रहाचें आमंत्रण आशिल्लें. हाणेय बी म्हाका वच म्हळें. हांव मात्शें

अनमननालें. कित्याक भुरग्यांच्यो परिक्षा आशिल्ल्यो म्हूण. पूण भुरगींय बी म्हणूंक लागलीं तूं वच म्हूण. हो रजा घेवन घरा रावलो आनी हांव गोयां पावलें.

गोंय कितलें बदलून गेल्लें !

हांव सोदतालें तीं नळ्याचीं घरां वचून थंय तेर्‍यासाच्यो विल्डींगो आयिल्ल्यो. सगळें गोंय हांवें पळेल्लें तशें नाशिल्लेंच. तें साप्प बदलून गेल्लें. आनी कसले कसले बदल थंय घडून आयिल्ले देवाक खबर ! म्हाका दिसलें गोंय भायल्यान इतलें बदल्लां, जाल्यार भीतल्यान कितलें बदल्लां आसतलें.

पूण घरा पावलें आनी हांव सगळें सगळें विसरलें. घरच्या लोकांचे मायेन चिंव भिजलें... अशें जालें म्हण्टकीच मागीर कोणाली याद जाता ? ... हांव म्हगेले मैत्रिणीक ज्योतीक लेगीत विसरलें. ज्योतीची म्हाका याद जाली जेन्ना प्रकाश आमगेर म्हाका व्हरुंक आयलो तेन्ना. प्रकाश म्हजो मावशे भाव. खेरोज म्हजी मैत्रिण ज्योती, तिगेलो घोव. प्रकाश म्हाका आपल्यागेर व्हरुंक आयिल्लो गाडी घेवन. म्हाकांय ज्योतीक मेळपाचें आशिल्लें. हांवें प्रकाशाक विचारलें,

– आरे, तूं एकलोच म्हाका व्हरूंक आयला ? गाडी हाडिल्लीच तुवें ! ज्योतीक बी घेवन येवपाचें न्ही तुवें ? ज्योतीक कित्याक हाडलें ना रे तुवें ?

– हरशींच !

ताणे सांगलें.

– आतां तूं चल पळोवया बेगीं.

हांव ताच्यावांगडा गाडयेंत वसलें.

– तुवें ताका हाडपाचें रे ! कितलो तेंप जालो हांव ताका मेळ्ळेंच ना.

– हांवें मुद्दम जोतीक हाडूंना.

– कित्याक रे ?

– म्हाका तुजेकडेन कितें उलोवपाचें आशिल्लें.

– मावशीवाय बरी आस मरे ?

– हय !

– भुरगीं ?

– आस बरीं.

– आनी ज्योती ?

– ताका कसली पिडा माल्ल्या ? वरें सडसडीत आस तें.

प्रकाशाल्या ह्या उतरांनी ज्योतीविशीं राग आशिल्लो कितें जालें काय हांचे ? हांव ओगी ऽ रावलें. तोवूय ओग्गी रावलो.

ज्योती म्हजी मैत्रिण. आमच्या वाडचार रावपी. आमची इष्टागत अपरेंतली. आमी एकेच शाळेंत शिकलीं. वांगडाच व्हड जालीं. केन्ना केन्ना झगडलीं. वांगडा देवळांत गेलीं. वांगडाच कॉलेजींत गेलीं. सिनेम पळेले. नाटकां पळेलीं. सपना रंगयलीं ... पिशीं कशीं हांसली... चोरयां नाका जाल्लीं मासिकां वाचलीं ... कितें आनी कितें.

एक खेप पणजे कांपालार कॉलेजचे स्पोर्टस् आशिल्ले. मावशीबाय पणजे रावता. तेन्ना मडगांवसान हांव आनी ज्योती दोगांय दोनतीन दीस रावपाक पणजे आयिल्लीं तेन्नाच मावशीबायलो प्रकाश मुंबयसान अेल. अेल. बी. करून आयिल्लो. आमी तिगांय वांगडाच स्पोर्टसाक वतालीं. प्रकाशाक ज्योती आवडलें. ज्योतीकूय तो आवडलो. तशें न आवडपासारखें प्रकाशा भीतर कांयच नाशिल्लें. प्रकाश दिसूंक बरो. सुंदर पुरुष ! शिकिल्लो सवरिल्लो. आस्तिक आनी नायजाल्यार चलयेकारांक लग्नाच्या बाजारांत कितें जाय आसता ? जांवय सोदतना चलये आवय खंय जांवयालो पैसो पळेता. चलये बापूय शिक्षण आनी चली चल्यालें रुप ! ते नदरेन पळेल्यार प्रकाशाभीतर कांयच उणे नाशिल्लें. आतां प्रकाश परथून

परथून मडगांवां आमगेर येवपाक लागलो. निमित्त मावशेलें पूण मेळूंक ज्योतीक. सरते शेवटीं प्रकाशान ज्योतीक मागणी घालीच ...

ज्योतीलो बापूय म्हजेकडेन चवकशी करूंक आयलो. तेन्ना हांवें सांगलें,

– हें पळेयात, प्रकाश तसो एकदम बरो भुरगो ! नांवा दवरपाक ताचेभीतर कांयच ना. पूण ... पूण तो इल्लें पीता ... पीता म्हळ्यार देमायज पीता ... तेन्ना

– आं ! इतलेंच मगो ? हरकत ना. लग्नापयलीं सगळेच भुरगे पीतात. मजा करतात. करुं दी. लग्न जालें, जापसालदारकी वाडली काय मागीर तांकां पिवपाक वेळूच मेळना. आनी नायजाल्यार गोयांत कोण पीना ? गोयांत जो कोण पीना ताका पिश्यांत काडटात ... हय काय न्ही ?

हाजेर हांव आनी कितें उलयतलें आशिल्लें ? हावें म्हळें,

– जें कितें आशिल्लें तें हांवें तुमकां सांगलें. हांवें म्हजें कर्तव्य केलें. मागीर फाल्यां म्हणूनाकात तो म्हजो मावशेभाव म्हण हांवे ही गजाल लिपोवन दवरली.

मागीर प्रकाश आनी ज्योतीलो साखरपुडो जालो.

तेन्नासान तर शेनवार आयतांर प्रकाशाली स्कुटर आमच्या दारांत दिसूंक लागली. स्कुटर घेवन तो येतालो आनी ज्योतीक घेवन फिरूंक वतालो. ज्योतीली आवय ज्योती वांगडा आपले नातीक धाडटाली. तें प्रकाशाक साप्प नसाय जातालें. मागीर प्रकाश ते चलयेक आमगेर दवरतालो आनी तीं दोगांय फिरुंक वतालीं. आयलीं काय परथून बेबीक घेवन पासयेक वतालीं. तागेल्या हातार चॉकलेट दितालीं. आनी मागीर ज्योती आनी बेबी घरा वतालीं.

दुसऱ्या दिसा ज्योती मागीर सांगी.

– तुगेलो भाव मगो मोठो ऽऽ

– कितें केलें गो ताणे तुकां ? चेपबिप घालें कांय कितें गो ?

– तशें न्ही गो

– मागीर ?

– हांव स्कुटरीर वसलें, काय सारखें बसलें, काय विचारता ? ...

– तांतूंत किते जालें ? विचारुंकूच जाय न्ही ? आनी तूं पडलें बिडलें जाल्यार ?

– तशें न्ही गो तूं आनी एक ...

– स्कुटरीर सारखें वसल्यार लेगोत तो म्हणटा तूं बसलेंशे दिसचना.

– मागीर ?

– मागीर कितें ? हांवें म्हजी छाती ताचे फाटीर तेंकयली न्ही, काय म्हणटा आतां कशें बसलें

– बस ? इतलेंच ? आनी कांय ना ?

हांव ताका म्हणटालें आनी तें लजून लजून तांबडें जातालें. आनी तागेलें तें लजप म्हाका सगळें कितें सांगतालें ...

– आनी जाणा मुगो, हांव तशें बसलें काय तो परथून परथून ब्रेक मारता ...

– आनी खऱ्यांनीच प्रकाशान गाडयेक ब्रेक माल्लो.

– कितें जालें रे ?

– मदींच एक मोटरबायक आडवी आयली.

– आरे, तूं खंच्यान पणजे वता ? कुट्ठाळच्यान वचुंया मरे. बेगी पावतलीं.

– कांय नाका. हांवें जाय म्हुण गाडी हांगच्यान घेतल्या. तुजेकडेन उलोवंक जाय म्हुण !

– आरे, तूं उलोवक जाय अशें म्हणटा, पूण अजून कांयच उलयलो ना मरे !

– खंच्यान सुरवात करची कळना.

– आरे, अशें जालें तरी कितें ?

– आगो, आतांच्यो चलयो मगो वार्ता वचून

बीयरीची ऑर्डर दिलात आनी पिलात.

– लोकांल्यो चल्यो पीतात तांतूंत तुजो कितें संबंद ?

– तें मागीर सांगतां. अ.यकून तुकां कितें दिसलें तें सांग.

– वायट दिसलें मगो ? कित्याखातिर ?

– हांव वीस वर्सां पयलीं जल्माक आयलें म्हूण ?

– म्हणजे ?

– म्हळ्यार हांव जर वीस वर्सां उपरांत जल्माक आयिल्लें जाल्यार हावूंय बारांत वचून बीयर पिवपाचें.

– तूंय बी तसलेंच तुगेले मैत्रिणीवरी.

– म्हगेले मैत्रिणीवरी ? कितें उलयता रे तूं ?

– आगो, तुजी मैत्रीण, ज्योती, खुब्ब पीता खबर आस तुकां ?

– कितें ज्योती आनी पीता ? कितें उलयता रे तूं ?

– हय गो खरें तेंच सांगतां हांव तुकां ! तुजेकडेन आनी फट कित्याक उलोंव ? खेरीज असली गजाल आनी कोणाकडेन उलोंवक तोंड आस हय गो आमकां ?

म्हाका कितें उलोवचें कांयच कळना जालें.

– आरे, ज्योती साप्प अनवाळें मरे ! ताका सोऱ्याचो वास लेगीत सोसनाशिल्लो...

– हय गो. गजाल खरी. पूण आतां ताका त्या सोऱ्याबगर जायना न्ही ...

– पूण तें पिवंक शिकलें कशें ?

– आगो, आमी पार्टेक वतालीं. हें कायच पिनाशिल्लें. तेन्ना म्हाका लज दिसूंक लागली. म्हूण हांवेंच ताका बियर पिवोवपाक शिकयलें. मागीर हळूहळू तें एक ग्लास बियर पिवंक लागलें. मागीर अकस्मात पळेत जाल्यार हाका पिवपाची संवय जाली. मागीर तें कितेंय पिवपाक लागलें. आनी आतां तर पिल्याबगर ताका जायना ...

एका घोटांत सोरो पिवन उडोवचो, तशें एका दमांत म्हाका हें प्रकाशान सांगून उडयलें.

– ज्योती पीता हें आयकून वायट दिसलें रे पूण एका हातान ताळी वाजना न्ही आतां एक सांग तूं सकाळीं केन्ना भायर सरून वता ?

– णवांक साडेणवांक.

– दनपरां घरा केन्ना येता ?

– एकेक खेप एकाक, केन्नाय दोनाक जाल्यार केन्नाय भायर जेवचें पडटा.

– जेन्ना तुकां भायर जेवपाचें आसता तेन्ना तूं फोन करून कळयता, तूं जेवंक येवचो ना म्हुण !

– तांतूंत कितें कळोवपाचें ? हांव अडीज तीन नेरेन आयलों ना जाल्यार ताणे समजूं नाकां हांव येवचो ना म्हूण ? इतलीं वर्सां जालीं लग्नाक. ताका आतां म्हजी संवय जाल्ली आसू जाय न्ही ?

– बरें ! तूं दनपरां घरा जेवंक आयलो ना जाल्यार रातीं केन्ना घरा येता ?

– आठ ... साडेआठांक ...

– घरा येवन कितें करता ?

– कितें म्हळ्यार ? म्हजीं भुरगीं म्हजी वाट पळेत आसतात हांव केन्ना येतलो कांय म्हुण ! हांव तांचे बराबर खेळटां, तांचे बराबर जेवतां आनी तांका न्हीदायतां. म्हज्या भुरग्यांक आवय परस बापुयूच चड मानवता, खबर आस तुकां ?

– मागीर कितें करता तूं ?

– मागीर म्हाका दुसऱ्या दिसाच्या कामाखातिर पुस्तकां वाचपाचीं आसतात. नोटस् काडपाच्यो आसतात ... तें काम करुंक बसतां.

– तें तुगेलें काम करतासर कितलो वगत जाता ?

– कितलीं वरां जात। खबर ना. रातचीं देड दोन कितलींय ...

– म्हळचार दिसाच्या तुगेल्या कार्यक्रमात ज्योती खंय येता ? ज्योतीक मदीं खंयच सुवात ना मरे !

– ज्योतीक सुवात ना म्हळचार ?

– सोड ! बरें आयतारा तूं कितें करता ?

– आयतारा टी. व्ही. आसता व्ही गो ? सकाळीं हांव, भुरगीं आनी टी. व्ही. सांजेर वलबांत. आयतार बूझ मारपाचो दीस मगो ?

– म्हणजे आयतारयबी ज्योतीक ना ?

– तूं ज्योतीक ना, ज्योतीक ना अशें परथून परथून कित्याक म्हणटा ? इतलें मरसर हांव काम करतां, जोडटां तें सगळें ज्योतीक आनी भुरग्यांखातीरच मगो ! ज्योतीक कितें उणे केलें हांवें ? ताका जाय तितले पैशे दितां . . . बरो बंगलो बांदून दिलो ताका . . . फीज, टी व्ही. व्हिडिओ . . .

सगळें सगळें दिलें ताका आनी कितें दिवपाचें उल्लें ताका ? घरांत नोकर चाकर आसात . . . ते काम करतात . . . आई सगळें भायलें पळेता आनी भीतर बी लक्ष दिता . . . ज्योतीन सुसेगाद राणी कशें वसून रावपाचें . . . तें ताका नाका जालें . . . आनी असली अवदसा येवजली . . . आनी तूं म्हणटा ज्योतीक ना ज्योतीक ना . . .

– तुवें ताका सुखांत दवल्लां अशें तूं म्हणटा. पूण इतलो रिकामो वेळ ताजेकडेन पडून आसा, तेन्ना ताणे कितें करचें ?

– कितें करचें ? व्हीडीओचेर पिक्चर पळोवचें . . . पदां आयकूची वाचचें . . . करतल्याक करुंक जाय तें आसा.

– ताणे अशें करचें हें तुगेलें मत जालें. ज्योतीक कितें करीन दिसता, हें तुवें ताका केन्ना विचाल्लें ?

– तांतूंत कितें विचारपाचें ?

गाडी म्हाडुळा पावली.

– प्रकाश जायो.

हादें म्हळें.

– प्रकाशान जायो घेतल्यो.

– ज्योतीखातिर बी घे.

– ताका आतां जायांचो वास मोसना.

– पुरे रे !

प्रकाशान ज्योतीखातीर जायो घेतल्यो.

– आतां घरा वतकीच. ज्योनी तुजेखातीर जायो हाडल्या अशें म्हण आनी त्यो ताका दी तें कशें खोशेन फुलता तें पळे.

– हूं !

प्रकाश सुस्कारलो.

– तुका अेक सांगू प्रकाश, आमी बायलां व्ही कितलींय जाण्टी जालीं, तरीय आमचे भीतर एक सोळा वर्सांची चली लिपून आसता. तुमी दादले समजतात ही बायल आतां जाण्टी जाली . . . हिका आतां कसलींच भुरगेपणा मानवचीं नात. पूण केन्नाय, मदींच एक खेप, आपले बायले खातीर फक्कत बायले खातीर म्हुण तिगेले आवडीचें चॉकलेट हाडून दिलें, नाजाल्यार अशीं फुलां हाडून दिलीं, नाजाल्यार तिगेले आवडीची अेकाद्री वस्त जी तुमकां खबर आसा, अशी हाडून दिली जाल्यार ती खोशेन कशी चंवरतली हाजी केन्ना कल्पना केल्या तुवें ? पयलीं तूं ताका स्कुटरीर घेवन पिसो कसो फिरूंक वतालो, तसो ह्या वर्सानी केन्ना गेला ? ताका घेवन पैस असोच म्हुण केन्ना भोंवक गेला ? आनी तेन्ना पयलींच्यो यादी काडून तूं केन्ना तांतूंत शेणला ? आमी बायलां मरे दादल्याल्या मोगाचेर जगतां . . . आमी सगळ्याक मोग सोदतांत . . . मोग मेळटा थंय ओडटां . . . मोग सुकलो काय आमकांय सुकतडो लागता . . . तुवें ज्योतीक सगळें सगळें दिलें . . . दिलो ना तो मोग . . .

– अशें कशें म्हणटा तूं ? मोग तर आसाच व्ही

गो . . . तो आनी कमो दिवपाचो ? तुमी वायलां बाकी विचित्र गो ! तांकां कितलेंय कितेंय हाडून दी तीं सातीशफेयत म्हुण ना . . . आनी तूं म्हण्टा मोग दिलो ना. फक्कत मोगान पोट भरना . . . धरून चलुंया कि हांवे ज्योतीक मोग दिलो ना, म्हुण कितें ताणे पिवप ?

ह्या तागेल्या प्रस्नाक म्हजेकडेन जाप नाशिल्ली. ज्योती कितें म्हण्टा तेंवूय पळोवपाचें आसलें म्हाकां पूण एक; जें जालें तें वरें जालें ना.

आमी घरा पावलीं आनी तो विषय तितल्यारूच उरलो. म्हाकां पळोवन ज्योती खोशेन फुल्लें म्हाकां खंय दवरुं आनी खंय नाकां अशें ताका जालें. तें भीतर च्या हाडूंक गेल्या उपरांत मावशीवायन म्हळें लेगीत.

– तूं आयलें तें वरें जालें बाय ज्योती मात्शें पयलीं भशेन वागलें. नाजाल्यार हालीं एका जाल्यार एकाच जाग्यार पडून आसता

ज्योती च्या घेवन आयलें.

– चल आमचे कुडींत वचून चा घेंवया.

– ज्योती प्रकाशान तुजे खातीर कितें घेतलें पळे वाटेर !

– कितें ?

– जांयो !

– म्हजे खातिर घेतल्यो ताणे जायो ? म्हजे खातिर ?

ताणे च्या चो ट्रे मेजार दवरलो आनी जायांचो पुडो उसयलो. जायो हातांत घेतल्यो आनी तांचो एक दीर्घ श्वास घेतलो. खीणभर ताचें मुखामळ खोशेन फुलून आयलें. रोकडेंच तें बावलें. हांवे प्रकाशाकडेन पळेलें. तोवूय ज्योतीक नियाळटालो. आमी सगळ्यांनी मागीर हॉलांतूच च्या घेतली आनी मागीर हांव आनी ज्योती तांचे कुडींत गेलीं.

. . . कितलें बदलून गेल्लें ज्योती . . . कितलें रसरशीत आनी सडसडीत आशिल्लें तें . . . आतां कितलें मोटें जालां . . . पूण ही मोटसाण घटसाणेची न्ही . . . मोटें तरी कशें म्हणपाचें ताका ? गुबगुबीत म्हळ्यार चड बरें जावपांचें . . . तोंड बी सुजिल्लेवरी जाल्लें . . . पयलीचें ज्योती उरूं नाशिल्लें तें . . .

– कितें गो, इतलें निरखूनशें पळेता म्हाकां ?

ज्योतीन नेव्हॉज जायत विचारलें

– कांय ना गो. श्रीमंतीचें तेज तुजेर कशें चडलां तें पळेतालें हांव

हांवें हांसत म्हळें.

– श्रीमंतीचें तेज ?

ताणे म्हळें आनी तें हासलें.

– जाणा लता हांव गाडी बरी चलयतां फाल्यां सांजेर आमी भोंवक वचुंया आं ऽ . . . दोगांच . . .

– दोगां कित्याक गो ? प्रकाशाकूय घेंवया बरावर ! कॉलेजांतले दीस याद करुंया . . . कितलो तेंप जालो, हांवें तुमच्यो दोगांयच्यो मस्कऱ्यो केल्योच ना. तुगेल्या गालार फुलिल्ले गुलाब पळेलेच ना.

– तूं बायल कित्याक जालें गो ? दादलो जावपाचें न्ही ? मागीर हांव तुगेल्याच मोगांत पडून तुजेकडेन लग्न जावपाचें . . . आनी तुगेल्या असल्या ,लागोळ्या उतरांनी भुल्लसून वचपाचें . . .

– पूण प्रकाश मागीर फटवतलो आसलो मगो.

– आतांय बी तो फटवलाच न्ही ?

– कितें ?

– कांय न्ही !

मागीर आमी जेवलीं. खंयच्यो खंयच्यो गजाली केल्यो. प्रकाश आयज घराच आशिल्लो. पपा पपा करून भुरगीं ताज्या फाटल्या फुडल्यान नाचतालीं. आनी तोवूय बी तांकां बोडार घेवन नाचतालो. भुरग्यांक ज्योतीली मातपसून पर्वा नाशिल्ली.

दुसऱ्या दिसा सांजेर पाचांक सुमार आमी फिरंक वचपाची तयारी केली. रूम धांपून घेवन आमी साडी वदलूंक लागलीं.

– अे, तुजो पर्स पळोंवया.

ज्योतीन म्हळें

हांवें मोन्यानी म्हजी पर्स ताजेकडेन दिली . . . मनांत हांवें म्हळें म्हजी कसली ही पर्स चाळीस पंचेचाळीस रुपयांची . . . ही हाका आनी कित्याक पळोवपाची आसा ? हाजी पर्स पळेत जाल्यार प्युअर चामड्याची . . खादी भांडारांतली दिसता . . . हाजी इतली बरी पर्स मोडून हाका म्हजी पर्स कित्याक पळोवपाची आसा ? ताणे पर्स पळेली आनी परथून म्हजेकडेन दिली.

आमी भायर सरलीं

वतना प्रकाशान विचारलें,

– पैशे आस मगो ज्योती ?

– हय आसा.

– पर्स दी पळोवंया.

– आस म्हळें न्ही पैशे म्हजेकडेन ? कमी जाले जाल्यार हें लता आस न्ही, ताजेकडल्यान घेतां हांव.

ज्योतीन म्हळें

– पूण तुजी पर्स दी म्हणटा न्ही हांव . . .

प्रकाश तिडकलो.

ज्योतीन पर्स ताजेकडेन दिली. प्रकाशान तांतूत पैशे आस म्हणपाची खात्री करून घेतली. आनी पर्स ज्योतीकडेन दिली. म्हाकां ओगीच चोरिल्लेवरी जालें.

आमी दोगांय देंवलीं. गाडयेंत वचून बसलीं. ज्योती बेस बरें गाडी चलयतालें.

– खंय वचुंया ?

ज्योतीन विचारलें.

– तूं व्हरता थंय.

हांवें म्हळें.

ताणे दोनापावलच्या रस्त्यार गाडी घेतली. वाटेर मदींच ताणे गाडी थारायली.

– कितें जालें गो ? गाडी बंद पडली काय कितें !

– ना, गो.

– मागीर ?

– तुजी पर्स दी पळोंवया.

– कित्याक गो ?

– दी तरी !

हांवे ताजेकडेन पर्स दिली. ताणे म्हजी पर्स उगडली. तांतूतल्यान एक तीन अेक्स रमची बाटली काडली.

– आगो, हें कितें ?

– तुका प्रकाशान सांगलां तेंच !

– आगो, अशीच बाटली तोंडाक लायता तूं ! तातूंत सोद नाजाल्यार उदक तरी घालतात न्हीं गो ?

– तूं म्हकां शिकोवक लागलें ? हांवें उदक घालूनूच हाडल्या ती !

---

'त्रिवंगी' क परबी


**हॉटेल माधवाश्रम**

पणजी - गोंय

रावपाची आनी जेवपाची बरी व्यवस्था

मुजरत भेट दियात

आतां ज्योतीन म्हजी पर्स पळोवपाक मागप, प्रकाशान पैशे घेतल्या कांय ना ह्या निमतान ताजी पर्स तपासप हाजें म्हाका पडिल्लें कुवाडें सुटलें. म्हळचार ज्योतीक खबर आशिल्लें प्रकाश ताजी पर्स तपासतलो म्हुण ! तेन्ना ताणे वाटली म्हजे पर्सींत दवरिल्ली.

– ज्योती, ही कसली दशा करून घेतल्या गो तुवें ?

– तेंच सांगपाक तर हांव तुका हांगा घेवन आयलां.

– म्हाकां दाखोवपाक तूं कशे तरेन पीता तें !

– तशें न्ही गो. रागार जांव नाका. आयज सकाळच्यान अेक थेंबो म्हाका पिवपाक मेळूं ना. आनी म्हाका पिवपाची इतकी संवय जाल्या कि एक दीस पिवंक मेळना जाल्यार म्हाका थरथरो येता . . . कलकलता म्हाका. खंयच मन लागना. कितेंशेंच जाता . . . कितें करचें कांय कळना . . . म्हज्यान हें सोसूं नज . . . दोन जरी घोट मेळ्ळे न्ही काय मागीर बरें दिसता.

पूण पिले वगर जायना. हांव पीना तेन्ना पिल्लेवरी आसतां आनी जेन्ना पितां तेन्ना नॉर्मल आसता . . .

– पूण . . . पूण तूं पिवपाक शिकलें कशें ?

– कितें सांगू तुका, लग्न जाल्या उपरांतची दोन तीन वर्सां कशीं गेलीं कळ्ळींच ना. तेदेवेळार प्रकाशान म्हजेर इतली माया केली, इतलो मोग केलो, म्हजे इतलें सुखी हांवूच आशिल्लें. पूण मागीर भुरगीं जालीं. हांव भुरग्यांनी घुस्पलें आनी प्रकाश परथून एकदां सोऱ्यांत घुस्पत गेलो. तो पयलीवरी पिवपाक लागलो बरें एकलो पितालो, तेंवूय बी ना. दोनचार मित्रांक घेवन येवन पितालो . . . तांकां पिवोवपाक बसवप आनी म्हाका ओर्दी सोडप. ज्योती हें हाड, तें हाड, ताणे सांगिल्लें कितें तें हाडून दिल्यार लेगीत परथून म्हाका वचूंक दिनाशिल्लो. भुरगीं रडल्यार लेगीत . . . तरशी भुरग्यांक चाट्टालो, आनी तेदेवेळार ताका भुरगी लेगीत नस'य जातालीं म्हाका तागेल्या मित्रा वांगडा बसोवन घेतालो आनी तांचेकडेन म्हजें वर्णन करतालो. हे ज्योतीक पळे रे, पळे रे म्हजे वायलेक कशी सणसणीत आस न्ही ? हिज्या मुखार त्यो नटयो झक मारता न्ही रे ? ताजे मित्र बाबडे तकली सकयल घालून बसताले. जाल्यार हो तांकां म्हण्टालो तकली सकल घालून व्हंकलेवरी कित्याक बसतात रे ? पळे म्हण्टकीच पळे ताका, थोडे ताजे मित्र साप्प निर्लज्ज, ते आपली लहेंवटी नजर म्हज्या आंगावेल्यान भोंवडायताले, आनी हांव लजेन म्हजे भीतर आखडून वतालें . . .

ज्योती आपले भीतर उलयल्लेवरी उलयतालें.

– पूण होच प्रकाश जेन्ना सारखो आसतालो

With Best Wishes From :

**Gavandalkar Bros.**
**Cloth Merchants**

Shop No. 3, Municipal Market,
Mapuca-Goa.

तेन्ना तागेल्या ह्याच दोस्तांकडेन उलयल्यार लेगीत म्हाका तापयतालो. आतां दारांत मनीस येतकीच तांचेकडेन उलोवं नाका गो. तूं चड उलयलें कित्याक ? च्या हाडून दिल्या उपरांत तूंय बी हॉलांत बसलेंच कित्याक ? ... तुवें भीतर वचपाचें न्ही ? तेवटेन म्हजी माय ... तिवूय बी प्रकाश परथून पिवक लागतकीच म्हाकाच दूशणा दिवक लागली. म्हजो घुस्मटमार जावंक लागलो. तेन्नाच हांवें पिवपाक सुरवात केल्ली. मागीर बरें दिसूंक लागलें. पितकीर कोणाली पर्वा म्हाका दिस नाशिल्ली. तांतल्यान ही संवय जाली. पयलीं हांवें सोरो पिवपाक सुरवात केली. आतां सोरो म्हाका पिता ...

अशें म्हणून ताणे उरिल्ली बाटली तोंडाक लायली.

– आगो, पुरो आतां गाडी घेवन घरा परथून वचूंक जाय आनी म्हाका गाडी चलोवंक येना. खबर आसा मगो तुका ?

– इतल्या हाणे काय जायना गो म्हाका अख्खी बाटली पचोवपी बायल हांव.

थोडो वगत आमी दोगांय ओग्गी रावलीं.

– आनी एक सांगूं तुकां

ज्योती सांगचें काय ना अशें चिंतीत म्हाका विचारातालें.

– सांग मनांत काय दवरुं नाकां.

– मागीर मागीर मगो, प्रकाश जेन्ना पिवन येतालो तेन्नाच म्हजे लागीं येतालो. म्हज्यान वास सोसूं नज जातालो, अेक सोऱ्याचो वास. तांतूंत भरीक भर सिगाराचो वास. दुसरी गजाल, पिल्या उपरांत मनशाच्या घामाक लेगीत एक तरेन वास मारता. म्हज्यान हें सगळें सोसूं नज जातालें. आनी पितकीर तो इतलो अॅग्रेसीव जातालो म्हूण सांगू. तेन्ना तर तो म्हजे कुडीचे भोगणार करतालो. एकाद्रचा भुरग्यान फूल पिसडावन उडोवचें तशी तो म्हजी कूड पिश्टीतालो. तांतूंत मोग नासतालो. आसतालो फकत वासना.

– आगो, जेन्ना तुकां कळटालें न्ही तो पिवन आयला म्हूण तेन्ना तुवें ओगी रावन न्हीदचें सोंग करपाचें न्ही ?

– तेंवूय बी करून पळेलें. जाल्यार उठयतालो म्हाका. उठलें ना जाल्यार जळटें सिगार लायतालो. तूंच सांग हांव हें कशें सोसूं आशिल्लें ? आनी जेन्ना तो पिनासतना येतालो तेन्ना हांव आपूण जावन ताजे म्हज्यांत वचत जाल्यार म्हजेर धेंगशेतालो चल कुशीक न्हीद. भुरगीं जागीं जायत म्हण्टालो. आनी पिल्लो आसतना इतलो बोवाळ करतालो, एक खेप जाल्यार बेबी उठून बसलें. जाल्यार लेगीत हाणे म्हाका सोडलें ना. बेबी सामकारुच ... बेबी तेन्ना आशिल्लें वर्साचें. तरी पूण ... मायक सांगलें तूं भुरग्यांक म्हज्यान घेवन न्हीद,

With Best Wishes From :

**Modern Bakery & Store**

**Makers of Bakery**
**&**
**Confectionary Goods**

Shop No 8, Keni's Hotel
18 th June Road. Panaji-Goa

जाल्यार तिणेय आयकलें ना. वेल्यान, असली कसली आवय तूं ? भुरग्यांक सोडून तुका न्हीद कशी येतली ? हांव जाल्यांर . . . अशे कितें कितें भरभर सुरु हिगेली. आपूण कशी आदर्श आवय. आदर्श बायल आशिल्ली हाजेर लेक्चर ! इतलें करून ती ओगी रावल्या ? ना वेल्यान तिणे प्रकाशाले कान फुंकले. ज्योतीक भुरगीं आवडना म्हुण ! तेन्नासान प्रकाश भुरग्यांचेर खुब्ब माया करता. आनी म्हजो तो दुस्वास करता. हांवें कितेंच केल्लें ताका मानना. भुरग्यांसामकार तो म्हाका केंचकेंच करता. ताका लागून भुरगींय म्हाका व्हालोर दिना.

– पूण हाजेर सोरो पिवप हो मार्ग नाशिल्लो गो.

– खवर आसा. हांवें शिकयता म्हळें जाल्यार तुजे जोडीची म्हाकां गरज ना. ताणे ल्हानशी फॅक्टरी घाल्या. तांतूत हांवें लक्ष घालतां म्हळें, जाल्यारुय ताका तें आवडना. तीं बायलांची कामा न्ही. मैत्रिणीकडेन गेलें जाल्यार आपल्या स्टँडर्डच्या बायलांकडेच मैत्री कर. म्हळ्यार हांवें करचें तरी कितें ? . . . फकत भांगरा मोडचीं आनी नवीं घडोवन घेवचीं !

– राव गो. आतां फुडें कितें ?

– फुडें कितें म्हळ्यार, हें अशेंच फुडें चलपाचें . . .

– ताजेपरस तूं अशें कित्याक करीना ?

– कशें ?

– तूं मुंबय यो . . .

– मुंबय येवन तुकां त्रासांत घालूं ?

– आगो, थंय असल्या हाजेर उपाय आमात. ते करून घेंवया. तूं सारखें वरें जातलें. परथून संवसाराक लागतलें. पापया, तुजीं भांगरासारखीं भुरगीं. तांचो तरी तुवें विचार करुं जाय आसलो.

– पुरो गो. कितलें उलयशी ? आतां कोणाल्याच सेरमांवाचो म्हजेर परिणाम जावचो ना. हांव अशेंच एक दीस मरतलें. आतां प्रकाशान सोरो सोडलो. तो हांवें धल्ला. आनी ज्या निग्रहान प्रकाशान सोरो सोडलो तो निग्रह म्हजेकडेन ना. आतां सोन्यान म्हाका धल्लां आतां म्हगेल्या पिवपाचो वास प्रकाशाक सोसना. पूण तूं मात एक कर.

– कितें तें ?

– म्हजीं भुरगीं व्हड जालीं काय तांकां सांग तांची आवय वायट नाशिल्ली बेबदी नाशिल्ली. ती तांचेर उपाट मोग करताली. पूण ती दुबळी आशिल्ली. दुबळी . . .

अशें म्हणून तें म्हजे वेंगेत रिगून हुंडक्या हुंडक्यानी रडूंक लागलें, आनी कितें करचें तें कळना जावन हांव ताका थोपटीत रावलें.

**

With Best Compliments From :

Goa Enterprises

Dealer in Genuine Parts for
Automobile Earthmoving Pneumatic,
Machinery, Cummine, Jeep & Leyland

Engine Spares
E/21, Shenoi Goebab Marg
Bicholim-Goa




# मम्मा, तुका हांव जाय गे ?

शांता कंटक

हांव मुटलें त्याच दिसा त्याच हॉस्पीटलांत पमावयनी मुटली. पमावयनी म्हळ्यार आमची शेजान्न. ल्हानपणासान ती आमची इश्टीण. तिका मुरगीं नासलीं देखून शेजान्यांल्या मुरग्यांक ती म्हन्यान ओडी. लग्न जावन सोळा वर्सां गेलीं तरीय पूण तिगेर मुरगें जालें ना. तिची माव-मांय मुरग्यांक आशेतालीं. "फुलाबगर झाडाक सोबा ना, मुरग्यांबगर घर सोबना" ती म्हणी.

म्हज्या लग्नाक आयिल्ली पमावयनी म्हाका खूब निर्शेल्ली दिसली. हांवें तिका विचारलें,

– पमावयनी, तूं खंती कित्याक जाता ?

– ना गो, वचत थंय एकूच प्रश्न. मुरगें जावंक ना ? लग्नाक कितलीं वरसां जालीं ? सोळा ? आवयस म्हजे ! बऱ्याशा दोतोराक दाखय. घडये जावपाचें ना दिसता. घोवाक बीन कितेंय देफेत ना मूं ? हें आयकून म्हजे आतां कान किटलेत गो. खंयच वचप नाका दिसता. तुजें लग्न म्हूण आयली हांव नाजाल्यार हालीं हांव खंयच वचना.

रडकुऱ्या तोंडान पमावयनीन सांगलें.

हांवें सांगलें,

– पमावयनी म्हाका दिसता तुगेर मुरगें जातलेंच म्हूण. तुका सदांच मुरगीं जाय आसतालीं. हें पळे म्हजीं मुरग्याचीं उतरां फट जावंचीना.

– जावं गो बाये. तुज्या तोंडांत साकरभात पडूं. तुजो मुरग्याचो आशिर्वाद फळूं.

पमावयनी रडटा रडटां हांसली.

आनी सांगपा म्हळ्यार म्हाका दीस गेले तेन्नाच पमावयनीकूय दीस गेल्यात म्हूण म्हाका कळळें. हांव गुरवार हाचेपरस पमावयनी गुरवार म्हुण म्हाका चड खोस मोगली. जावं. सुटली बाबडी एकदांची उलयतल्यांच्या तोंडातल्यान. तिच्यो दुवाळयांच्यो व्हडविकायो म्हज्या कानार ती घाली.

म्हज्या घरांत म्हज्या दुवाळचांचो व्हडलोसो कांयच बोवाळ पडूंक नासलो. घोव मातसो म्हज्या बरोबर फाटीं फूडें करी.

– हय, आयज कितें गो हाडूं बाजारांतल्यान ? आमल्यो ? काय पेरां ? आईन आवाळचांचे लोणचें करून बांदून दवल्लां तें भायर काडपाक सांगूं ?

– कांय नाका म्हाकां. तुजे आईचें मागीर तें पुराण आयकतलो कोण ?

– हें पळे, तू आईचें कानार मनार घेवं नाका. जाण्टेपणाचो संवय ती. तूं तुकां जाय तें खा. नाजाल्यार खंय भुरगें लाळ रकयता

घोव म्हजी मस्करी करी.

म्हजे खरे दुवाळे पुरयले ते आवयन. म्हजी आई दर चार दिसांनी एक एक जीनस करून बाबाकडल्यान म्हाका धाडी आनी हांवूय, फुडल्या खेपे येतना म्हाका कितें हाडपाचें हाची यादी बाबाकडल्यान आईक बरोवन धाडी. मांय म्हणी,

– कितें बाये, जागोर दुवाळचांचो म्हूण. नाकापरस नथी जड म्हणपाची.

हांव गुरवार म्हण म्हज्या घरच्यांचेर मात कांयच बोवाळ पडूंक नासलो. गुरवार आसा, जातली बाळंत दीस मरतकच.

इतलें वातावरण थंड आसलें. हांव जरी घरांत धाकली सून आसलें तरी म्हाका व्हड दोन जावो आसल्यो. दोगांगेल्य दोन दोन चल्यो आसल्यो. तिसरो चान्स हातामायर वचत म्हुण कोण घेवंक तयार नासलो. मांव बाबडो वाजेतालो, नातवाक पळोवंक आशेतालो. मांयचें वाजंतर चालूच आसलें. तोंडार ती म्हाका, 'तूं आनी कितें उजवाड घालतली ता कळिल्लेंच आसा' ह्या आशयान म्हजेकडेन पळेताली. पूण एक दीस ती वावराडेकडेन उलयतना हांवें आयकलें.

– हिका तरी चलो जाल्यार पुरो गो बाये. चल्यांचो वीट आयला म्हाकां पोट बरेंच घुमट कशें वयर दिसता न्हंय गो यमूना.

– हय गे व्हन्नीबाय. हे खेपे नातूच तुका. पळय हांयेन कितें सांगलां तें. तुजें कापड मात हांव सांडोवन घेवपी गे.

यमुनोन तिका फुडलें भाकीत सांगून दवरिल्लें.

म्हाका हें सगलें आयकून मनांत घुस्मटून येतालें. हांका लागून तरी म्हगेर चलो जांवचो म्हूण हांव देवाकडेन मागी. एक दीस हांवें घोवाक पसून सांगलें,

– जाणात चलो जाल्यार हांवें पूजा करता म्हूण आंगोवन घेतलां.

– हे पळे, पयली बेटी तूप रोटी मगो. तूं ते आईचें कांयच मनार घेवं नाका. म्हाका चलीच जाय, कळळें मगो ?

आनी ज्या दिसा पमावयनी बाळंत जाली त्याच दिसा त्याच हॉस्पिटलांत हांवूय बाळंत जालें. आनी . . . दोगांयगेर चलयो जाल्यो.

म्हजो बापूय घरा बरफी घेवन गेलो. ताका ताणी बस पसून म्हळो ना.

– चली जाली मूं ऽऽऽ हांव केन्ना ऽऽ जाणा आसली.

मांयन म्हळें खंय. मांवान एक हुस्कार सोडलो. अुंऽऽअुंऽऽ. जावो मनांत हांसल्या जांवये. हिगेर चलो जालोना तो देव पावलो म्हण. घोव सोडल्यार म्हाका हॉस्पिटलांत पळोवंक कोणून आयलोना. पमावयनीचे खबरेक तांची तमाम सोयरी येवन हॉस्पीटल भरून गेलें म्हळ्यार जाता. तातुंतली कांय म्हजीपसून खबर घेवन गेलीं. घरचीं मनशां वोगीच मोनीकशीं जालीं बारशाक घोवान एक पवनाची सरपळी करून हाडली. मांयन वायल वीन धाडलें पूण कोण आयलींनात बारशाक. म्हजे आईक खूब वायट दिसले म्हजें चली घरच्यांक नसाय जालां तें पळोवन.

म्हज्या कुळारा म्हजें चली सगळचांक जाय जाय जातालें. म्हज्या तिनूय भावांगेर तीन चले. म्हाका चली जालें हें पळोवन ते खूब खोशी जाले. ताणी चलयेचें नांव दवरलें दिपा. ताणी बारसो बरो झेतान वडयलो. पमावयनीले चलयेच्या बारशाक घरचींच न्हय तर आख्खो गाव गेल्लो म्हळ्यार जाता. यमुनोन मगीर आमकां सांगलें,

– तिणी माराणां फॅक्टरीच हाडलेली.

तीन म्हयने कुळारा रावन हांव घरा परतलें.

घोव बाबडो आपलेपरीं जायतीं कामां करी. चलयेची अर्थअपूरबाय दादल्याकडल्यान जाता ? म्हाका घुस्मटल्यामशेन जातालें. हांव घरांत कसलेंय काम करताना, चली रडल्यारपसून ताका कोणूच उबारी नासलो.

मांय म्हणी,

– ही आनी एक वळसरी जाल्या आमकां नाडपाक. चलो जावंचो न्हय तुवें ?

आयकून म्हज्या दोळयांत अचकीत दुकां येतालीं.

'आमकां चली नाकां' ह्या नकारातल्यान म्हजें दिपू व्हड जातालें. ताचो वर्साचो वाडदीसपसून दबाज्यान मनयलोना. ना म्हणपाक म्हजीं भाव-भावजय सगळीं आयिल्लीं. पूण घरच्यांचो येवकार पळोवन तीं बेगीबेगीन गेली. दिपूक ल्हानपणासान कळळें, आपल्याक कडेक दवरतात म्हण. ते ल्हानशे चलयेक आपूण खेळनासतना कुशीक उबे रावपाक चड बरें येतालें.

– शीलाताई, हांव खेळूंक येवं गो ?

तें विचारी.

– कांय नाकां. तूं कोणाक नाकां आनी आमकांय नाका.

अशें तीं मुरगीं सांगी. दिपू आयकून वोगीच राव. हांवें घोवाचे फाटीक लागून थोडीं भोव खेळणी ताका हाडून घेतलीं. तीं घेवन तें वोगीच खेळटालें.

पिराय वाडटा तशी ताची समजिकाय वाडपाक लागली. सगळीजाणा आपणाक नाका म्हणटात हें ताका कळपाक लागलें. एक दीस ताणे म्हाकां सांगलेंपसून, 'मम्मा, शगलीं जाणा म्हाका नाका म्हनतात.' आयकून म्हज्या दोळ्यांत दुकां आयलीं. चली जालें म्हुण कितें जालें ? म्हजें अपुरबायेचें बाय न्हय तें.

आनीक एक दीस तर ताका मदले जावेले चलयेन खेळटना सांगलें,

– तूं मगो आमकांच न्हय तुज्या मम्माक पसून नाकां.

– कोण शांगता ?

– मम्माक हांव जायच जाय. मम्मा म्हाका शांगता.

– तुजी मम्मा त्या दिसा म्हजे मम्मीक सांगी. ह्या दिपावाट्याचो म्हाका एक चलोमो जाल्लो जाल्यार चड बरें जावपाचें.

खरें म्हळ्यार जावेनूच अशें म्हणिल्लें. हांवें न्हय.

*With Best Wishes From :*

**TOYO PHARMACEUTICALS**

**Farooque Mansion**
**Main Road**
**Ponda**

पूण तें एदेशें जावेलें चली पान परतून खबर सांगता ती आयकून म्हाका राग येतालो. भुरग्याल्या उलोवपांत जाणटचांनी कित्याक पडचें ? अशें येवजून हांव वोगीच रावलें. दिपा रडत रडत म्हज्या म्हज्यांत आयलें.

– मम्मा हांव तुका नाका गे बाय म्हण ?

– ना रे म्हज्या राजा. तूंच म्हाका जाय आं.

हांवें ताका वेंगायत म्हळें.

– मम्मा तुका हांव बाय म्हण नाका जाल्यार म्हाका तूं बाबू कर गे.

ताचीं हीं उतरां आयकून म्हज्या दोळ्यांतल्यान दुकां व्हांवलीं. हांवें ताका घट धरून म्हळें.

– दिपू म्हाका तूंच जाय आं ऽऽ बाबू बी कोण ऽऽ नाका.

ताच्या भुरग्यामनाक समज पडलो काय हांव नकळो. दिसान दीस दिपा भागत वतालें जेवणाखाणावयलें ताचें मन उडटालें. घरांतलो नानाकार ताच्या भुरग्यामनार परिणाम करतालो. हांवें एक दीस घोवाकपसून सांगलें.

– हें पळे ऽऽ दिपू दिसान दीस सुकत वता. घरान ताका कोण ऽऽ लागीं धरीनात. ताका एका बऱ्याशा दोतोराक दाखयात नाजाल्यार आमी वेगळीं बिराड करून रावचें तरी. तांका तें नाका तरीय पूण आमकां जाय. म्हजें एकलें अपुरबायेचें बाय. घरांत धा चलयो आसल्यो म्हूण म्हज्यो जायनात न्हय ? घोवान म्हळें,

– आगो, नोकरी आसल्यार हांव आंतां न्हय केन्नाच बिराड करपाचों. म्हाका कळना ऽऽ त्या भुरग्याक कितले त्रास जातात ते. चौगांचो धंदो. एकेराशीर घरें. बिराड केल्यार खर्चाक म्हारग न्हय.

आयकून हांव ओगोच रावलें. केन्ना म्हाका कळें चलयांनी कित्याक नोकरी करच्यो तें.

एक दीस सदांच्या वेळार दिपू उठें ना. हांवें मनांत म्हळें, न्हिदूं दी. रातभर पोर उसउसतालें. साडेआठ जातकर रांदचे कुडींतल्यान म्हजें पांय आपसूक कुडीवाटेन वळळे. वचून पळयल्यार तें जोरान फडफडटालें आनी मम्मा ऽऽ मम्मा ऽ ऽ अशें बडबडटालें. हांवें ताका उठोवन बेगीबेगीन जोराची गुळी घाली. पांगरूण काडून उदकाच्यो घडयो घाल्यो. दोतोराचें नांव काडल्यार मांयन, जावांनीफकाणां मारलीं.

– कितें गे बाये जोर जोर करून नाचता. इल्लोसो काडो धोडावन माथ्यार घाल.

मांयन सांगलें.

हांव मनातल्या मनांत देवाक उलो मारीत भीतर भायर पासयो मारतालें. पोटांत तर ताणे सकाळपसून उदकाचो थेंबूय घेवंक नासलो. दनपरां धोव घरा येतकच हांवें भायल्या भायर तांका दोतोराक हाडपाचें फर्मान सोडलें. दोतोरान तपासून सांगलें.

– ताका तशें कांयच दुयेंस दिसना. पळोवया दोन दिसांनी. आतां फक्त जोराचें वखद घाल.

जोराचें वखद घालून घालून ताचो जोर चडटा देंवता अशें जावपाक लागलें. सादो जोर करतां करतां दिसांचेर पडलो. वखदां खावन म्हजें बाय वाजेलें. जोरान धा-बारा दीस कशे गेले कळळेच ना. घरांतलीं भुरगीं जाण्टीं ताका पयलींच पयस दवरतालीं. आतां तर दिसांचो जोर म्हूण कळटकच कुडीन पायपसून दिना जालीं.

त्या दिसा ताचो जोर खूबूच वाडलो. हांवें घडयो घालून घालन देंवयलो. दनपरां सुमार ताका घाम येवपाक लागलो. म्हाका दिसलें हाचो जोर आतां गेलो. हांवें ताका लारंजा रोस पिवयलो. तो पिवन ताणे म्हळें,

– मम्मा, तुकां हांव खूब त्रास करतां न्हय गे ?

हांवें म्हळें,

– ना रे म्हज्या राज्या, तूं म्हाका जाय आं.

हांवें सांगलें.

– मम्मा, म्हाकां घट वेंगेत धर गे.

अशें ताणे सांगतकर हांवें ताका घट वेंगेत धरलें.

– खरेंच गो बाय, तूं म्हाका जाय.

हांव हें सांगतना ताची मान म्हज्या खांदावयल्यान केन्ना सकयल देंवली हें म्हज्या म्हाकाच कळळें ना. म्हजे किळांचेनपसून म्हाका दिपूचोच आवाज आयकूंक येतालो.

– मम्मा, हांव तुकां जाय गे ?

**

With Best Wishes —

**Shri Janardan**
**R. S. Kudchadkar**

Curchorem - Goa

# कोंकणी शिशुगीतांचें सत्व

जयश्री जी. शानभाग

भुरगीं मनशाचो मोग आनी मोवाळ मनाचीं साकार फुलां जशीं. ताणी साहजीक जावन मोमोव आनी तांबडी हाता दावलां, पाया पावलां हालयताना; काळचो बिबयशो दोळे बोमी मिणकायताना आमकां खोम मोगता. लवू लवू त्या बाळशाक एक एक करून मुखावेल्यो क्रिया-कर्मणूक शिकोपाची जापसालदारकीय आमचेर आसता. शिशुगीतां ही जापसालदारकी सांभाळत भुरग्यांक तेचप्रमाणे शिकोवप्यांकय एक असीम आनंद दितात. आदले तेपार जेन्ना हीं शिशुगीतां बरोवन, उजवाडा हाडिल्लीं मेळनासलीं - तेन्ना पासून आवयो, आज्यो, भुरग्यांक खेळयतालीं देर बायलां असलीं गाणी गुणगुणत एक नादबद्ध आनी प्रासबद्ध अमल्या रचनेचेर भुरग्यांले लक्ष्य ओढत ल्हान ल्हान कामा करुंक तांका शिकयतालीं. देखीक देड दोन म्हैन्या उपरांत बाळशाक धोलच्याक शिकयताना

**धोल धोल धोल**
**धोलतां धोलतां भागिलो**
**केकी खावच्या लागिलो**
**केकी जालो गोड**
**दाढ जालो होड**

अशें म्हणत भुरग्याले फाटीक आनी तकलेक तेको दीवन फाटी-मुकार धोलयतात; आनी "बाब जालो होड" म्हणताना ताका चटकन रावयतात. क्रमेण ह्या गाण्याची एक विक्षिप्त असो नाद

आयकतकच धोलची क्रिया प्रतिक्षिप्त रीतीन (Reflex Action) भुरगीं सुरू करतात. तेचप्रमाणे पायार बसोन घेवन तांची पावलां लहू लहू तालेर पेटपाक शिकोवंचें गीत –

**पावनंदन पावनंदन धाविरे पाया**
**खेळूं गेल्लेले बाब्बा आमगेले धरा आपैया ...**

तीन म्हैन्या उपरांत तांच्या शिरो हालोपाचेर तावो मेळपाक लागता (Muscal Control & Movement) मूठ बांदपाक, खंयचीय वस्तु हाता दावलान धरपाक, बोचको मारपाक प्रयत्न करची असली क्रिया शिकोपा खातिर

**लाडू बांद लाडू बांद ममदत्तरा**
**कुलांची तारूं आयलीं सोळा सत्तरा**

हें गीत म्हंटली. हाताचे मणगट शिकयताना –

**ता तिगणा, ता तिगणा**
**एदें एदें वायगंण, एदें एदें वायगंण**
**वायगंणा फोडीन,बाब्बाक**
**एक घास वाडोन**

तशें ते मुकारसरन दोनी हात भुजा मेरेन ऊंच करन विस्कटून हालोवचा शिकोवपाक –

**घोणी घोणी पाकां हालय**
**सात समुद्र ऊण्ण यो**
**पिल्लां नुन्न दीवन यो**
**घोणी घोणी पाकां हालय**

हीं म्हंटालीं. तेच हात कमरेच्या समांतराक फाटी फुडें हालयताना

**चाऊ बुळु घांटणे; ताका घेना लोणी**
**मामान दिलें कापड; मामा वायल मांकड**

हें तशेंच सूचक बोट (दाखोपाचें बोट) एक बिंदुचेर केंद्रीकृत करपाखातिर दावे हाता ताळवेर उजव्या त्या बोटान मदेंच धाडायत

**येते येते मोरा**
**बैसरे कोरा**
**चारू खा बोरां खा, पाणी पी भुरटा !**

अखेरचो 'भुरटा' म्हंटना दोनी हात चटकन सवण्यान उडिल्ल्या बशेन करप.

असली आनीकूय खूबशीं पदां प्रादेशिक उच्चार आनी सन्निवेश भेदाचेर मेळटली. जाल्यार पयलेंच सांगिल्याप्रमाणे हीं भुरग्यांच्या वाडीच्यां मूळ सिद्धांताचेर अवलंबून मुजरत रचोवन उजवाडिल्लीं न्हय; लोकवेदांतल्यान उपलब्ध जावपी माणकां पुणून भुरग्यांची वाढ फकत हात, पांय, दोळे, कमर हें हालयतकूच रावना. ह्यो शारीरिक कार्यावळयो सरल्या उपरांत चड महत्वाचे आसा तांचे मन, तांची कल्पना, तांची सपनां, तांची बारकायेची नदर, तांचेच एक आगळें वेगळें जग, जीणेच्या वेगवेगळ्या स्तराचेर ताणी घेवपाची रुच. ह्या सगळ्या मुद्यांची जाणीव दवरन घेवन भुरग्यांचे साहित्य ... विशेसतः हीं शिशुगीतां रचोवचीं पडटात. आमी हांगाचे चुकता. "एं .. भुर्गी मुरे ... ल्हान तीं .. तांकां कितें समझता .. माती .." असलीं बेजबाबदारी पणाचे उद्‌गार काडत एक सत्वशाली, ताकतवान पीळगेच्या इमारतीचो पाया फुटयत वतात.

भुरग्यांच्या कोवळ्या आनी निष्कळंक अणभवाक जाणट्याली तीख आनी वाकडी अणभवाची भेसळ करपाक जायना. ह्या दृश्टीन शिशुगीतां किंवा खंयचेय शिशुसाहित्य निर्माण करप तितलें सरळ किंवा सोपें काम न्हय. पूण असले माणकुल्यांचे मन वळखून, तांची गरज जाणून, तांच्या अणभवाच्या झाडाक रंगीत

---


'चित्रंगी' क आमचीं परबीं !

# एजन्सी सातोस्कार

माशेल–गोंय

आमचेकडेन मेळटात –

**टि. वी. संच, शिवणेची मशीनां,**
**स्टीलच्यो आरमारी, मिक्सर,**
**कुकर आदी.**

फुलां फुलोवन जो कवी गीतां रचता तीं खरोखरींच बळिष्ट आनी ताकतवान आसतात. असल्या थोड्या गीतांचेर एक नदर घालचो हो प्रयत्न आसा.

आयज आमचीं चडशीं भुरगीं इंग्लिश माध्यम इस्कोलांत शिकतात. दोन वर्सांचेर धा म्हैने वलांडचेच आवय राकत उरता. तितली पिराय संपतकूच खंयचेय केजी किंवा अर्धकेजी क्लासानी चेपतात. ताणी थंय शिकिल्लीं Nursery Phymes ताजें साहित्य आनी उच्चार सारखे खबरुय आसना. थोड्या आवयांक तर त्या शब्दांचो अर्थ समझना. भुरग्याक तर आनी वेळ लागतलोच. जाल्यार आमी आमच्या इश्टांक, शेजराक चूकमूक गाणी म्हणत हातपाय धाडोवपी भुरग्याचे प्रदर्शन करत, कौतुक करत खोस भोगतात. खंयचोय अणभव आपल्या आवय भाशेंतल्यान मेळचो तितलो सोपो आनी खंयचेय माध्यमान मेळना हे आमच्या लक्षांत वचना. ही आवय भाशेची किंवा आमचें दुर्दैव कोण जाण ?

ह्या दृश्टीन कोकणींतली हीं शिशुगीतां कितलीं शक्तिवंत पळया –

खंयचेय भलायकीसंपन्न भुरग्याक भास शिकतास्ताना प्रास आनी संगीताची आकर्षण आसतातच तांचे दुनियेंत बिलू म्यांव, भौ भौ, काकोमाम खेळतात, चंद्र तांकां पळोवन हासता, नखेत्रां दोळे मिणकायतात. असल्या वेळार ह्या सरळ आनी सुपरिचित विशयाचेर सुरबूस करुन शब्द विणल्यार भुरगीं हालत, धोलत ताळी पेटत नाचतालीं.

**योरे योरे कावळचा काव काव काव**
**आमच्या आंगणांत राव राव राव**
**योरे योरे माकडा हूप हूप हूप**
**आमगेर तोरां खूप खूप खूप**
**योरे योरे हुन्दरा चीं चीं चीं**
**सगळीं भुरगीं वळखीचीं**

दोतोर मनोहरराव सरदेसाय हांच्या ह्या गीतानी भुरग्यांलें एक ल्हानशें पूण खासा वळखीचें जग, कावळो, माकड आनी हुनीर, हांची प्रत्येकाची भास, उलोवची शैलीची वळख करुन दिल्या. अशीं जनावरां आनी सुकण्यांच्या आवाजाची जाणीव करुन दितना लवू तांचे लक्ष्य त्या जनावरांच्या दिनचर्येचेर, तशेंच जनावर आनी मनीसवर्गानी आसल्या वेगळेपणाचेर व्हरचे गरजेचें आसा. देखीक श्रीमती कमलादेवीराव देशपांडे हांची एक कविता –

**कोंबेदाद कोंबेदाद । दिव्यांत वात तोणात हात**
**फांत्यार उटून घालता साद । कों कों कों च कों'**

हांगा दिवळाणी नंतर कोंबो साद घालिना, फांत्यार परत ताजो दीस उजवाडटा म्हळी गजाल बारकायेन सांगल्या. Learning चे प्रक्रियेंतले वयलें मेट हें तांचीच आणी एक कविता म्हंटां

**घूगी गे घूगी । दीसभर वोगी**
**रातचो जाता जागी । घूगी गे घूगी ।**

श्री. भरत नायक हांचे एक कवितेंत अशें म्हळां–

**काळोख करन । घुस्पट मारन । निदले सगळे मनीस**
**हुंदरान म्हळें उजाडलेरे । रातूच आमचो दीस.**

रडटाले भुरग्याक तांचे लक्षय वेगळे कडेन ओडून तांचे रुय विसरावन नाचपाक लावची ही कविता –

**बाबु आमचो नाचता । नाचता नाचता पट्टा**
**बाबु आमचो पट्टा । पट्टा पट्टा रट्टा**
**बाबु आमचो रट्टा । रट्टा रट्टा हांसता ।**

(दो. मनोहरराय सरदेसाय)

भुरग्यांक मोगान फटोवन तांचे कडल्यान जाय

---

'चित्रंगी' क परबीं


# मे. सिंडीकेट प्रिंटर्स

प्रिंटर्स आनी बांयडर्स
मारुतीगड रस्तो
कुडचडें - गोंय

फोन : घर 158
ऑ. C/o 244

जाल्लें काम करून धेपी आपय म्हणटां पळया – हें गीत आसा श्री. रमेश वेळूसकार हांचें –

**बाबू शाणो । भांगरा गोणो**
**बाबू तुका । भो भो घेरे**
**माका एकुच । पापी दीरे.**

न्हावपाक भुरगीं भायर सरनात, खूब वाजेतात असो तुमचो अणभव ? तर हें गीत म्हणत रमया पळोया –

**चली गे चली म्हजी । राजान वेली**
**राजागेर चली म्हजी । भांगरान न्हाली**
**न्हालीगे न्हाली म्हजी । भांगराची चली**
**राजाक जाय म्हण । राजान वेली**

(वेळूसकार)

भुरग्यांचे मन निष्कळंक आसता. तीं गरीबी आणी गिरेस्तकायेचे भेद नकळ. ऊंच नीच हाचो जाणीव ना. तांका सगळे एकूच. म्हणूनच तो विचारता –

**चांदिमामा चांदिमामा आमगेर एशी ?**
**इल्लीशी पेज म्हजे वांगडा जेवशी ?**
**एकूच दीस म्हजे वांगडा, कुटुंड्यानी खेळशी ?**
**म्हळब सोडून आमचे वांगडा, जमनीर एशी ?**
**पुरो तुका जालें तर चल तूं घरा**
**पावंक जाल्यार येन हांव मळबाच्या दारा ! ”**

ही श्री. अभयकुमार वेलिंगकार हांची कविता. हेच कवीले कवितेंतल्यान काणी सांगपाचें एक रुचीक पद हें – मेम्यान माल्ली बुडी

**मेम्याक पळोवन मावुन । नेटान माल्ली उडी**
**मावु पडलें उदकांत । आनी मेम्यान माल्ली बुडी**
**मावुक एना पेवंक । लागलें तें बुचकळूंक**
**नाका तोणांत गेलें उदक । मावू लागलें नाचूंक . . .**

अशें म्हणत मेम्यान माल्ली उदकांत बुडी

**कारणा बगर जो कोण . . . दुसऱ्याक पिडटा**
**देव ताका अशीच । ख्यास्त भोगयता.**

काणी रुचीक आसा आणी नीतीबोधक भी जावन आसा.

खंयचीय कामा 'तू अमकें कर तमकें कर, अशेंच कर, तशेंच कर' अशें सांगत तर तें करून पुरे पडत अशें सांगपा एना. अशेवेळार खूब फावटी ताणी करपा जाय आशिलीं कामा तांच्या बावल्या कडच्यान, तांचे इष्ट – सुणीं, मांजरां कडच्यान करोवका लागतात.

**बाबलो म्हजो गुणाचो गुणाचो**
**खाता भो भो चुनाचो**
**बावली म्हजी गुणाची गुणाची गुणाची**
**खाता पोळी पुरणाची**

(दो. मनोहरबाब सरदेसाय)

त्याच प्रमाणें

**भाटकाराली सून । पेज जेवता हून**
**पापड खाता कुरकुरीत : निवोळ पिता सुरसुरीत**

(कमलादेवी राव देशपांडे)

भुरगीं लंबू लंबू व्हड जावंक लागतात. इश्कोलांक वचपाचें सुरु करतात. अक्षरां, आंकडे आनी हेर खूबशो गजाल्यो शिकपा लागतात

**वंटीचें घड्याळ पळोवन**
**बाबूक जाल्लें अजाप !**

हो बाबू दोतोर भिकाजी घाणेकर हांच्या 'सर्कसींतलो हीरो' !

**वंटीचें घड्याळ – – – –**
**वाकडी तिकडी मान घालून करूंक लागलें नाच**
**किल्लीं जाल्ली व्हरां ? बाबू म्हंटा एक दोन**
**खरी जाल्लीं रातची सात । बाबूक हांसतलो कोण ?**

बरोबर. 'बाबू' क हांसचे न्हय ; तर ताका आंकडे

With Best Wishes —

Hotel Kirti
Kirti General Stores

Nirankal Road
Ponda - Goa

सारखे शिकवप. भुरग्यांक आंकडे शिकोवपाचें ह्या कवींचे कित्लें सुरबूस विधान आसा पळया –

**एक दोन तीन चार । पांच स सात आठ**
**सगळे वांगडा भोंवताले । माये मोगान रावताले**

. . . . .

अशें भुरग्यांक णी मेरेन आंकडो कळटा तर धा कशें घडोवप ?

**सगळ्यां परस एक ल्हान । एकलोच भोंवतालो**
**भोंवता भोंवता ताका 'शून्य' वाटेर मेळ्ळो**
**एक आनी शून्य मेळून । जाल्ले धा जाल्ले धा**
**सगळ्यां परस व्हड मान । मेळ्ळोगा मेळ्ळोगा**

इंग्लीश अक्षरांची वळख सुद्धां ते कितले सोबीत आणी स्वप्नील तरेन करतात पळया

**'A' घसर गुंडेवरि पयलें अक्षर**
**रूफरचंदावे रचलें अक्षर**
**'A' ताजे नांव, सोबीत नांव.**
**'O' चंद्रावरी कशें वाटकुळे, कोम्बाचें तातो कशें**
**'S' सरपावरी ताचें आंग खंयचे अक्षर सांग ?**
**भंय दिस्ता पपा माका 'S' अक्षर काट्टाना ...?**

आमच्या भुरग्यानी **There were Ten green bottles Hanging on The wall ....** म्हंटांना आमचे पाय जमनीक लागनात. कोंकणी शिशुगीत ताजे परस कित्ले बळिष्ट आसा पळया

**आसले स भुरगे माणकुले । न्हाले धुले आनी नेसले**
**एकलो पळोवंक गेल्लो नाच । उरले थंय फक्त पांच**
**आसले पांच भुरगे माणकुले । हासले खेळ्ळे आनी निदले**
**एकलो पयलो उघडुनु दार । उरले थंय फक्त चार**
**आसले चार भुरगे माणकुले । उठले नेटले आनी चा पिले**
**एकली गेलो फिरुंक बसीन । उरले थंय फक्त तीन**
**आसले तीन भुरगे माणकुले । मस्ते खंयचे हुषार कोले**
**एकलो गेलो करूंक फोन । उरले थंय फक्त दोन**
**आसले दोन भुर्गे माणकुले । फुलावरी नाजूक नाजूक भोळे**
**एक हाडूंक गेलो तुरो । उरलो थंय एकलो एकटुरो**
**आसच एकलो भुर्गो माणकुलो । ताणेच गीताचो शेवट केलो ।**

(दो. भिकाजी घाणेकर)

हेच कवीलें आनी एक कवन आसा 'बाबुल्याचें गणित' तातूंत व्हडांत व्हड आनी चडांत चडशे आंकडे घेवन बेरीज करप भुरग्यांक गणितांत रुच हाडोवपाक एक देख जावन आसा. उतर कित्ले चटकन मेळता पळया.

**एक दोन तीन चार . . . . मेळून जाल्ले धा**
**पांच स सात आठ . . . . मेळून जाल्ले पंचवीस**
**णौ धा अकरा बारा . . . . मेळून जाल्लें बेचाळीस**

कविता एक Ready Reckoner बशेन दिसना ?

अक्षरांची वळख करुन दीवन शिकपाक गोडी हाडपाची 'अक्षरांची जात्रा' ही श्री. भरत नायक हांची कविता.

**पळेत ताज्या माथ्यार आसा । तोपयो आनी मात्रा**
**थोडचां कपलाक तिक्ल्यो । सकल्यान शेपटयो**
**थोडी बरीं शेंकटीं लावन । पिळोवंक कोमडचो**
**कोण म्हातारो जाल्लेवरी । घेवन मोवता दांणो**
**कोण जातानाच घेवन आयला । वांकडो तिंकडो कणो**
**एकटचाक एदें नाक जाल्यार। दुसऱ्याचें फुटलां पोट**

अशें वर्णन आयकून, गावन आत्मसात केल्यार मागीर मुर्गी हीं अक्षरां खंयचीं ती पळोवयां म्हणून कुतूहल दाखयल्या बगर रावनात.

अशेंच ट्रॅफीक पोलीसचें वर्णन करीत भुरग्यांक सादेशें आणी सरळ रीतीन संचार नियम शिकोवपाची कविता आसा 'ट्रॅफीक पोलीस' श्री. भरत नायक हांचीच.

---

'चित्रंगी' अशीच परमळूं !

---


**रामचंद्र तुकाराम प्रभु**

निरंकाल - फोंडें
गोंय


---

बेंड, बाजा गम्मत म्हळ्यार भुरग्यांची मजा. असली मजा लूटपाची एक संध म्हळ्यार लग्ना, काजारां. म्हणूनच भुरग्याल्यां गीतांत वेगवेगळी बरेची लग्नां काजारां चित्रित जाल्यांत-बांगड्याचें लग्न आसा, माजराचें काजार घडटा। हुदंराले लेगीत लग्न जमता. फक्त लग्नाची मात्र न्हय माणकुल्यांक आनी कितल्यो तर मजेच्यो घटको आसतात. तातूंन एक आसा 'हळद कुकुंम' श्री. अ. ना. म्हांब्रो हाणी 'माजरांचे हळद कुकुंम घडोवन हाडलां. ह्याच कवीलें "शाली पेद्रूची व्हाडीक" व्हाह्या दीसान खूब गरजेचें अशें मासच्या राष्ट्रीय एकचाराची पांया घालपाक एक सुंदर उदाहरण –

**ताळगांवच्या पेद्रून । घाली मान्याक टोपी**
**आनी म्हळें 'हांव फातरपें चो गोपी'**
**म्हाडोळच्या शालीन । घालो फ्राकाचो भेस**
**आनो म्हळें 'हांव मेशेंचे तेरेस'**
**पेद्रुची मांयपाय । जाली सीताबाई रामराय**
**शालोची आवय बापूय । जालीं सॉतानबाय रॉकपाय**
**सगळी जालीं एकठांय । आनी थारायली सोयरीक**
**शाली आनी पेद्रुचो जमयलो व्हार्डीक**

भुरग्यांली बारीक नदर आणी कुतूहल कितले सुंदर बशेन कवी श्री. अ. ना. म्हांब्रो हांचे कवितेंत आयलां पळया –

**मस्का सांगेंक म्हंटा पणस**
**तूं गे कित्याक अशीं बारीक**
**पणसवादाक म्हंटा सांग**
**तुजी फाट रे कित्याक खरखरीत ?**
**पणस म्हंटा लजेत लजेत**
**आवय मारता दीस भर**
**देखून आयलात फाटीक वळ**
**सांग म्हंटां रडत रडत**
**बापूय माका वाडीना**
**देखून हांव मोटी जायना !**

ह्याच कविलो 'गोपाळ भट बोवाळटा' ही कविता तर शुद्ध हास्याची पराकाष्ठा अशें म्हणू येता. गोपाळ भटालो बोवाळो कितलो तो पळया

**पुडवें व्हरन व्हकलेक दिता**
**जानवें व्हरन मांयक घालता**
**वेणि मागता केळी खोलो**
**भट दिता तांब्या पेलो**
**शेंवट्या फांती नवऱ्याक दान**
**यजमान पिळटा गोपाळाचो कान !**

ह्या कवितेचे अखेरच्या कडव्यांत तर अक्षरांचें अफरातफर करून गोपाळ भटाल्या बोवाळाचें सुंदर चित्रण दिता –

**गोपाळभट बोवाळटा**
**बोवाळभट गोपाळटा**
**बोवाळ बोवाळ बोवाळटा**
**गोपाळभट बोवाळटा'**

भुरग्यांची विचार करपाची शक्त आणी सामान्य गिन्यानाची परीक्षा करपाकूय ही शिशुगीतां सोदात अशे म्हणू येता.

**१ मोवशीच रे फाट**
**विड्याखिणें लेगीत म्हजे**
**रंगतात रे ओंठ**
**तर हांव कोण ? .... (पोपट)**

**२ तिळ्यावरी दिसलो तरी**
**काळो मात न्हंय रे हांव**
**पुनवेचे राती तर**
**नवरो कसो दिसता हांव ! तर हांव कोण ...**

**(चंद्रीम)**
**अ. ना. म्हांब्रो**

---

'चित्रंगी' क परबी !


**वसंत रघुनाथ सावैकार**
किराणा मालाचे व्यापारी

अडवय - सत्तरी
गोंय

भुरग्यांक सैमाचे नेम हांची वळख करुन दिवपाक ही एक कविता - श्री. रमेश वेळुस्कार हांची –

गीम कसो येता
घाम घाम घाम

नाक शिवर जाता
राम राम राम

पावस कसो येता
बिरी बिरी बिरी

पावसांत गुंडाळळे
गिरी गिरी गिरी

शीं कशें येता
कुलु कुलु कुलु

धकटो घालुयां
भुरु भुरु भुरु

अशें भुरग्यांले साहजिक जावन आशिल्ल्या कुडीचे चलनवलनाचे नियमबद्ध शिकवणी पासून सुरू जावपाची शिशुगीतां मुकार भुरग्याले मानसिक विकासाच्या वेगवेगळ्या स्तरांचेर तांची कुतूहल बुद्ध (inquisitivenes अनुकरण imitation रंगांची वळख (identification of colours) खंयच्यो गजाल्यो - वस्तु किंवा क्रिया - एकामेकांक ताळा लागोवन पळावप (comperisan), एक संपादित ज्ञान तें गरज आसा थंय लागू करुन पळोवप (Generali sat on or general application), एक वस्तु किंवा एक भावना आपणावप (sense of possession) आनी ह्या सगळ्या शिकवणी वांगडा कर्मणूक किंवा मनरंजना वरवी शिक्षण हीं शिशुगीतां दितात अशें म्हणू येता. पूण चार-पांच वर्सा भितल्या पिरायेचेर भुरग्यांचे ज्ञानतंतु क्रियाशील करुन सोडल्यारुच मुखावेल्या शिक्षणाची पायरी घट जाता. लवू लवू तांका ऐतिहासिक, पौराणिक व्यक्तिचित्रणां, देशभक्ति गीतां सैमाच्या कर्तबगारीची वाखाणणी (appreciation of the nature) आनी साहित्याचें रसास्वादन (Literary appreciation) असले गुण भी शिकोवपा लागतात. जाल्यार भुरगीं जेन्ना इतलीं जाण्टी जाली तेन्ना तांका शिकोवपाक शिशुगीत किंवा बालगीतांच जाय अशें ना. आतां उपलब्ध अशीं खूबशीं भुरग्यांलीं गीतांची पुस्तकां ह्या वयल्या मेटाचे गिन्यान दिवपा सारखीं. हीं शिशुगीतांचे प्रबुद्ध रुप किंवा matured version अशें म्हणु येता. आनी हीं प्राथमिक शाळा किंवा नव साक्षरांक (New Literates) हांका प्रयोजनाक पडटात. हांतल्यो कविता, किंवा ह्यो गीतकथा वयल्या थरावेल्यो, भुरग्यांक चड साहित्यवंत आनी विचारवंत करी सारख्यो, फकत खेळपाचें आनी आवाजाचें जग सोडुन अंतर्मुखी जावन चितनेक लावपा सारख्यां. आनी कविता जेन्नाहें stage पावता तर ती शिशुगीतांतल्यान वयर पावली म्हणप, देखून जरी उपलब्ध आसा तरी खूबश्या कविते रुपान आशिल्या खूबश्यो कविता, कवनसंग्रह हांगा उल्लेख करुना.

जग आतां खूब फुडे पावलां आनीकूय पावत आसा. सगळे आपले आप चलप असल्या जगांत भुरग्यांक जमनीचो - मातयेचो वास कशी तो खबर ना. नियान लाईटीच्या उजवाडांत चंद्रीम लेगीत एक Globe Light असो भासतालो तांका. झाडां, शेतां माटां, पानां, फुलां, फळां हाजो आनंद लुटपाक एक योजित असो प्रवास जाय तांका. जर आमी तांका एका योग्य अशे पिरायेर योग्य Education दिल्ले ना – हांगा Education म्हळळो शब्द मुजरत वाफरला ... हें Education फक्त अक्षराभ्यास आनी अक्षरांच्या वळखीक लागून मुखार घेवपी 'शिक्षण' न्हय हें स्पष्ट करपाक सोदतां – तर ह्या भुरग्यांचे भुरगेपणच आमी चोरुन काडटात; भुरगेपण लुटून काडटात आनी खंयच्या भुरग्याचे भुरगेपण आमी हरयलां ताजें व्यक्तिमत्वूय हरयलां असोच अर्थ. भुरग्यांक व्हड करप म्हळ्यार खावोन, जेवोन, बिस्त घालुन, शाळेनी चेपुन, त्या चेपिल्ल्याचेर आनीकूय पुस्तकांची वजन लादून ... ना बाबा ना. दया करुन आमच्या भुरग्यांक, तांच्या मोगाळ भुरगेपणाक मारुम काडनाकात. कोंकणी आवयां लागी भास आमची मागता . . "आपल्यांत ती गोडी आसा, आपल्यांत तें सत्व आसा, आपल्यांत ती शक्त आसा ... उजवाडाक आयिल्लीं, काळकांत घुस्पुन पडिल्लीं हीं शिशुगीतां तुमचीच बोली; तुमचीच मोगाची धार. ह्या शिशुगीतांचे पुनश्चेतन करा. तुमच्या भुरग्यांतूय नवो जीव भरा"

**

With Best Wishes From :

M/s. S. U. NAYAK
Cement & Coconut Dealer
CURCHOREM - GOA
Phone No 371




# कशी रे पडली भूल ....!

**जयमाला दणायत**

दनपारचो मार ! पिकेवेल्या वतावरी वत तापतालें. तातूंत रेल्वेच्या डब्यांत लोमकळपी सेकंड क्लासची हळशिकवाणी गर्दी ! असो दारांत लोमकळून प्रवास करप म्हणजे मोटें कठीण काम. गर्देची कितें ताका सवंय नाशिल्ली अशें न्हय. जायतेदां तो मुंबय येवन गेल्लो; पूण मुंबयची ही गर्दीच अजापाची ! दिसान दीस चडटे पावणेची ; ताका सामकी उबगण आयली. कित्यापसत हे इतले लोक दिसपट्टे अशे आपणाक चेपणावन भोंवतात देव जाणा. आनी कितलीय गर्दी आसली तरी जशें कितें व्हडलें म्हत्वाचें काम आसलेवरी तीच गाडी धरतात; फाटले गाडयेन गेल्यार सामकें जल्माचें लुकसाण जाता अशें करप ! तरी पांपांच मिनटांनी गाडयो आसात म्हूण बरें.

पूण ताचे ताकाच आपणाले हे येवजणेचो हांसो आयलो. दोनतीन गाडयो अशोच भरभरून गेल्यो पळोवन पांचच मिनटांपयली ताणेय अशाच चिड्ड्यामुड्ड्यांनी गाडयेंत उडी घाल्ली. ताच्या मनांत दनपार म्हणटकीच व्हडलिशी गर्दी नासतली. तातूंत आनी आयतार. म्हणजे सुटयेचोच दीस. बरो बसून वतलों म्हणून आशिल्लो पूण तो भ्रमच ! फूटबोर्डार पांय तेकोवंक मात्सो जागो मेळळो तेंच नशीब ! वयर लोमकळपी हात मुयेवंक आयलो पूण हालोवपाचो भंय. शेवटाक गाडी एकदांची दादराक थांबली आनी ताका मात्शें सुटिल्लेवरी जालें. गर्दी

गाडयत त्या बोंबाळांतल्यान तो मायर मरलो. स्टेशनाभायरय गर्दीच आशिल्ली, पूण आंगार जुडून येनाशिल्ली. ताका मातशें बरें दिसलें. हातांन कपडे सारके करीत ताणे बोल्सांतलो पत्तो भायर काडलो.

दनपारचो वेळ; तातुंतूय मुंबयची दनपार. वितळावन उडोवपी वोत आनी भितर मनांतय मेंदू वितळावन काडपी येवजण ! कितें जालां काय बायचें ? कित्यापासत ताणे इतले ताकतिकेन आपणाक अाफयलां ? ताच्या पत्रांतलें एकच वाक्य भोवन भोवन ताचो मेंदू कोरांतलें. 'आतां म्हजें कांय खरें ना. जाता तितले बेगीन येवन म्हाका ह्या जंजाळातलें सोडय !' कितें घडलां काय अशें ? दोनच म्हयन्यापयलीं लग्न जावन गोंयच्यान हांगा येतना कितले खोशयेन आसलें ? आतांच अकस्मात अशें कितें घडलें काय ? येवजून येवजून ताची तकली मेरेल्लेबशेन जाली.

दोगांय भयणींत बाय ताचें इल्लें चड अपुरबायेचें. धाकटूली भयणूली जाल्यान जावंये पूण ताचेर ताचो सामको जीव ! तें आशिल्लेंय तशेंच लक्तूबायेचें. जग लोकाक वश करपी. दिसुंकूय धा जाणांत उटून दिसपी. म्हणून तर शेजाऱ्यागेर लग्नाक आयिल्ल्या सोयऱ्यांनी ताका पळेता खिणीच मागणी घाल्ली आनी म्हणटां म्हणटां ताचे दोनाचे चार हात जाल्ले. न्हवरो दिसूंक करूंक देसेंत आशिल्लो. बरो इंजिनिअर ! आपणाले बायेच्यो अर्थअपुरबायो बऱ्यो जातल्यो हें येवजून आवय बापायन हय म्हळें. दारांत चलून आयिल्लें इतलें बरें थळ हातचें कोण सोडटलो ? मुंबय बंगलो आसा, मोटर आसा, गिरेस्त बापायलो एकलो एकसुरो पूत. आनी आनी कितें जाय ? हें येवजून भाईनय फाटी फूडें केलें ना. नाजाल्यार आमचे बायेक गोंयच्या गोयांच न्हवरो सोदप म्हणून आयिल्ल्यो पयसुल्ल्यो सोयरीको मोडपी तो वोगी रावचोच नासलो.

लग्नाच्या थाटान सगल्यांचे दोळे घुंवले. भांगरा शिगरां, शालू - सिल्कां - विचारनाका. मेधाची मांय तर सामकी हाका ताका सांगत सुटिल्ली ' म्हाका जाय तशी सून मेळली. म्हजो चलयेची उमेद आतां मागतली. ' अशें आनी तशें. साखरपुडो जावन आठ दीस गोंयां आशिल्ली तर मेधाक माथ्यार घेवन नाचपाचें दवरिल्लें. घोवय बरो उमेदिचो दिशिल्लो. मेधासकट सगलींच खोशी जाल्लीं.

पूण दोनच दिसापयलीं बायचें ताच्या नांवार ऑफिसांत आयिल्लें पत्र हातांत पडतसावन तो काजाबूल जावन गेल्लो. आवयबापायक कांयच पत्तो लायनास्तना कामाचें निमित्त सांगून मुंबय धांवट आयिल्लो. घराचो पत्तो सोदीत सोदीत शेवटाक एकदांचो तांच्या दारांत पाविल्लो. आयतार आसून लेगीन घरांत किण्ण आशिल्लें. सुटी म्हणून खंयय गेलीं बी नात मूं अशें मनांत येवजीत ताणे बेलीर हात दवरलो आनी दार उगडटनाच

– येयात, येयात बरे बेगीन याद जाली भयणिची ! आमच्या गळयांत त्या पिशाक बांदून आपुण सुटले.

मेधाच्या मांयच्या तोंडांतलीं तीं विखारी मुक्ताफळां ताच्या कानार आदळलीं. येवकार दिवपाची ही कसली रीत अशें येवजून तो मातसो कांचवेलो. पूण दार उकतें जातकीच भितर सरलो. एका सोफार ताचो भावोजी लोडेल्लो. बापूय मात खंय दिसनासलो. बिझनेसमन. गेला आसतलो खंयूय पार्टेक बीन अशें येवजीत

– मेधा खंय आसा ?

ताणे न्हवूच विचारलें.

---

' चित्रंगी ' क येस आंवडेतां

---

श्याम बालाजी बोडके

सांखळी - गोंय

---

भावोजीन पुस्तकांतले दोळे वयर काडून एक खेपे ताचेकडेन पळयले बशेन केलें आनी परथून पुस्तकांत लक्ष घालें. तो काचाबूल जालो

– कितें घडलां ?

सगळो धीर एकवठावन ताणे परथून विचारलें.

– कितें घडलां ? कितें घडूंक ना तें विचारात. जाणाजावन म्हज्या गळ्यांत आपणाली क्रेक भयण घालून वेल्यान सादेभावार्ती जावन विचारता कितें घडलां काय म्हणून ? लज दिसना अशें विचारूंक ?

मांय केंच् करून ताच्या आंगार आयली.

– कितें ? बाय क्रेक ? इतलें M A जाल्लें, सिर्वीस करपी चली क्रेक ?

भाईन अजापून विचारलें.

– M. A. D. जाल्लें. तांतले D तुमी लिपयल्यां जांवये.

घोवान शाळेतल्या भुरग्यांवरी जोक मारलो आनी आवय पूत दोगूय कुचित्र्यांनी हांसूक लागलीं. दोनूय हातांनी दोगांचीय गची आंवळून तो हांसो थंयचे थंय जिरोवंचो अशी एक विचित्र सणक भाईचे तकलेंत आयली. ताचे हात थंयचे थंय वळवळले. इतल्यांत भायलो आवाज कानळून मेधा बाण कशें धांवट मायर आयलें आनी

– भाई रे.

करीत ताच्या गळ्यांत पडलें. चार पांच ल्हान अर्भकाची आवय खूब वेळान दिसतकीच ताणे तिका वेंगावन हुंडकेवचें तशें ! तो देखाव पळोवन फातरा काळीज लेगीत हालपाचें. पूण मेधाच्या घरच्यांचीं काळजां कसलीं घडिल्लीं देव जाणा. ती वोगी रावन पळेताली. मनाचेर ताबो दवरीत दोळे पुसून भाईन मेधाक पळयलें. ताची सामकी रया गेल्ली. उसकांडो चावून चावून तांतलो सगळो रोस चिवन घेवन उरिल्लें चीवण मायर काडचें तशी ताची अवतिकाय जाल्ली. लग्नातले उमेदीन सळसळपी हांसरें रूपखनी मेधा खंय आनी हें अर्दकुटें मडें जाल्लें ध्यान खंय अशें कोणाकूय दिसपाचें. अजापून तो पळेनच उरलो. मानेनळो वयर आयिल्लो, केंसांक ढंग ना, दोळ्यांक तेज ना, गाल भितर गेल्ले, दोन म्हयन्यांभितर मनशाची इतली दुर्दशा जावं येता ? असो ताका प्रस्न पडलो. ताचें तें बाबडें तोंड पळोवन भाईक इतलें वायट दिसलें, आपूण खंय आसा तें विसरून 'बाय' म्हणून ताणे मयणीक घट वेंगेंत धरलें. आवय – पूत दोगांय कपलाक मिरयो घालून खूनशी दोळ्यांनी दोगांकडेन पळेतालीं. त्या भिरांकूळ मनशांपासून आपणाले अपुरबायेचे भयणीक घेवन केन्ना काय पयस वचचें अशें ताका जालें. भयणीची ती दुर्दशा पळोवन हांचीं पाळांमुळां खणून काडचेलो ताणे मनातल्या मनांत सोपूत घेतलो.

– कितें दशा जाल्या गो बाय ही तुजी ? असलो कसलो छळ चलयला तुजो ह्या चांडाळांनी ?

मयणीची दुर्दशा पळोवन ताची सारासार विचारशक्तसोपिल्ली.

– कितें ? आमकां चांडाळ म्हणटा ? हो बरो न्याय ! फटींगपणा करून आपणाले हे पिशे मयणीक - - - -

– हां, खबरदार ताका परतून पिशें म्हणशात जाल्यार आतां हांव खऱ्यानीच ओगी रावपाचो ना. येतसावन आयकतां म्हजे मयणीक क्रेक म्हणटात, पिशें म्हणटात. तुमीच पिशीं जातलीं, देखूनच बायची अशी रया केल्या; आनी कोणे कोणाच्या गळ्यांत बांदलां ? तुमी जावन आमच्या दारांत आयिल्लीं चलयेक मागणी घालूंक आनी आज अशी अवस्था करून सोडल्या ?

तोवूय आतां तिडकलो.

---

'चित्रंगी' क परबीं !

---


**व्यंकटेश देसाय**

अडवय - सत्तरी

गोंय


---

– हय, तेंच चुकलें आमचें आनी म्हणून आमी अशीं फटवलीं. वयल्यान बऽरें दिसलें, पूण तेंच म्हारग पडलें आमकां. व्हडले भयणीक दोट्टी गोंठ घाल्यात, आरमार, मशीन कितें कितें आंदण दिलां खंय आनी आमकां मात ह्या काकणा पाटल्यांच्या वावळयांचेर फटयलें - वेल्यान हें केरेक. तकलेक मार !

माय तिडकून उलयताली.

– अशें अशें,- देखून तुमी हो 'हुंडाबळी' दिवंक सोदतात काय कितें ? केस केल्यार आतां प्रेजावांत पडटलीं.

तो तिडकलो.

– छे ! छे ! आमी खंय आमकां दी म्हणून म्हळां ?

प्रेजावाचें नांव काडीनाफुडें ती गडबडली.

– म्हजें म्हणणें इतलेंच ही चली तकलेन सारकी ना. तिचें कामांत लक्ष ना. तिका धड कितेंच करूंक येना. बसली जाल्यार बसली ! सामकी मानेर कोण बशिल्लेवरी करता.

– तुमचे तकलेर कोणय बसला आसतलो, देखून हे हुशार शिटूक चलयेक तुमी पिशान्तर थारायल्या. चल बाय, तुजें बॅग भर. ह्या घरांत एक मिनीट लेगीत रावचेली गरज ना. हो तुजो भाई आसतना तूं कित्याक भिता ? कोण कितें करता तें हांव पळयतां.

पांच मिनटांमितर ताणे भयणीक घरा व्हरचेलो निश्चय केलो. मेधा दोळे घळघळाप्त थंयच आशिल्लें.

– व्हर व्हर आनी फूलां घालून पूजा कर. हांगां कोणाक गरज ना ताची.

घोवान मुक्ताफळां उधळायलीं.

– हय, पूण ताचें भांगर बी मात व्हरूंक मेळचें ना हां. तें बँकेत आसा.

मायन शिटकायलें.

– भांगरासारक्या मनशाची वाट लायली तीं भांगर कितें दितलीं ?

– आमकां मनशां जोडपाचीं आसलीं. भांगरा आनी पयशांपसत कितें आमी ताचें लग्न केलें ना . . . जंय मनीसपण घाळळां थंय आमी ताका कशीं दवरतलीं ? चल बाय, तुजे कपडे घे, आतां वचूया आमी.

सामके गळचाताकीत येतकीच – सहनशक्त सोंपून मेघान भावाक पत्र घाल्लें आनी तेन्नासावन माई

*With Best Wishes From :*

**HINDUSTAN RUBBER WORKS**

**BORIM, PONDA - GOA**

**PHONE : 236**

येतकीच केद्यायफाराक भायर सरपाची तयारीच दवरिल्ली. खिणाखिणान तें त्या घरात झिजतालें. केन्नाकाय हो घुस्मटमार सोपून हवेंत स्वास घेतां अशें ताका जाल्लें. तरी लेगीत भायर सरतना ताचें पावल हुमऱ्याभितर घुटमळळें. कितलेंय जाल्यार थोडे दीस थंय काडिल्ले, त्या मनशांत वावुरिल्लें, तीं कसलींय आसलीं तरी तांकां ताणे आपलीं मानिल्लीं. घर सोडून वतना ताचो जीव वयर सकयल जालो, पूण तीं मात सामकीं वोग्गीं आशिल्लीं.

कुळरा येतसावन मेधाच्या दोळ्यांक थार नासलो. चार दीस तर तें सामकें न्हिदूनूच आसलें. कोणेय कितेंय विचारल्यार रडूंक लागतालें. भाईन आवय बापायक मातशी झलक दिनाफूडें तांकाय मोटोच शॉक बसलो. आवयन तर हातरूण धरलें. बापायचें प्रेसांवंय चडलें. आल्ल्या घराचीच भलायकी इबाडली. सगळेंच मातशें जाग्यार पडपाक कांय दीस गेले आनी मागीर वखद विरसद करून मेधाची भलायकी सूदारसर आनी ताच्या काळजाचो घाय मातसो बावून ताचेर सालटी धरसर भाई वोगी रावलो. मागीर एकदीस सगळींजाणां रातचीं अशींच उलयत बशिल्लीं आसतना भाईन मुद्दमूच फोड फोडलो.

– बाय, म्हाका दिसता भितल्लेभितर अशें घुसमटचेपरस तुवें तुज्या मनातलें सगळें ओकून उडयल्यार बरें. आमचेकडेन सांगपासारकें आसा तें उलोवन तुजें मन मेकळें जातलें अशें तुका दिसना ?

– भाई, तुमकां सांगना जाल्यार कोणाक सांगतलें रे ? तुमच्याशिवाय म्हाका आसा तरी कोण ? पूण कशे सांगू ? म्हाकाच समजना. सगळेंच विपरीत जावन पडलां पळय.

भरिल्ल्या दोळ्यांनी ताचेकडेन पळयत मेधा तोंडातल्या तोंडांत पुटपुटलें.

– तुका जासा तशें सांग, पूण सांगून उडय. गुन्यांवकारांक ख्यास्त भोगोवंक जाय मुगो ? मागीर चल सांगून उडय. बी ए ब्रेव्ह गर्ल ! चल, लग्नापासून सुरवात कर.

भाईन ताका फुसल्लायत धीर दित म्हळें

– हं ऽ ऽ, कितें सांगू कर्म म्हजें ? भाई, लग्नावेळार खोशयेन फुलिल्लें हांव ! पळेनाफूडें म्हाका तो आवडलो. म्हज्या सपनांतलो राजकूंवरच जसो पूण लग्नावेळार फुलिल्लीं सपना पयल्या दिसाच्यान शेणत गेलीं. मनांतले मांडोर मनांतच करपले. उरलो फक्त तांचो करपट वास !

दोळे पुसत ताणे सांगलें.

– बाय, पूण जालां तरी कितें ? घोव व्यसनी ? मारता ? ताका भायलो नाद आसा ? कितलेंय वायट आसल्यार लेगीत सांग काळजार फातोर दवरून आमी तें आयकूं. आमकां शॉक बसत म्हूण सांगनासतना रावं नाका. भितल्लेभितर चलिल्लो हो तुजो घुसमटमार म्हज्यान पळोवं नज पळय.

आवयन आकूळपिकूळ जावन म्हळें.

– आई, तो व्यसनी जाल्यार सुदारूं येतालो. भायलो नाद आसल्यार हरप्रयत्नान सोडोवं येतालो, पूण तशें कांयच ना. कितें तें म्हजें म्हाकाच सारकें समजूंक ना.

हूंडके दामीत मेधा उलयतालें.

– आई, कशें सांगू तुकां ? लग्न जावन अजूनय हांव सुकेंच आसा हाचेवेल्यान कितें तें समज.

– कितें - - - ?

सगळ्यांकच व्हडलो शॉक बशिल्लेवरी जालो.

– हय. सवायशिण जावन लेगीत हांव आंकवारूच उल्लें

With Best Compliments From :

Prabhu & Company
Prop. Shrikant T. Prabhu

Nirankal Road
Ponda-Goa

गे आई.

आसा नाशिल्लो धीर एकवठावन ताणे मन उक्तायलें आनी सोसूं नज जावन एकच हांवेर फोडलो. ताका बेंगेत घेवन आवय हुंडकेवंक लागली. बापूय सतरवितर जावन उठलो आनी आशिल्लो तसो व्हॉलतेरार आदळळो.

– तरीकय हांव सोंसून रावतलें आशिल्लें गे. जिणेत कसली ना कसली तडजोड करचीच पडटा. ज्या सुखाचो मार्गच खबर ना तें त्यागुंकूय व्हडलेंशें जड वचचें नासलें म्हाका. नशीब म्हजें म्हूण ओगीच बसतलें आशिल्लें. पूण केन्ना ? म्हाका बरें म्होंवें उतर मेळिल्लें जांव बरेतरेन वागणूक मेळिल्ली आशिल्ली जाल्यार.

मेधान सांगलें.

– म्हणजे तो तुजेचकडेन उलयनासलो ?

आईन अजापून विचारलें.

– हय ना, जाय नाका. हाका तूं उलोवप म्हणशीत तर उलयताल्लो.

सगळीं अदीकूच कुवाडयांत पडलीं.

– राव गो, पूण तुमी काश्मिराक बीन वचून आयिल्ली मुगो हनीमूनाक ?

आवयन मदींच विचारलें.

– हनीमून ! हं ––– जगलोकाक दाखोवचेले सगळे देखावे ते !

रडिल्लेभशेन हांसलें मेधा. सगळीं भियेलीं पूण तनरी लागिल्लेबशेन तें उलयत रावलें.

घोव बायलेन वचचें अशें ही तर भोंवडेकाराबराबर भोंवडेक गेल्लेवरी गेल्लें हांव. कितें उलोवं हांव तुमचेमुखार. पूण सामकी लजभीड सोडून सांगचें पडटा. आई, आमी एके खाटीर लेगीत न्हिदलीं नात एक दीस ! पयलीं चार दीस घरांत बोवाळ म्हणून. आनी असल्या कामांत हांवें जावन फुडाकार घेवंचो कसो म्हणून लजेन ओगीच रावलें. भोंवडेक वतकीच पळोवंया म्हणून. पूण ताची कितें तरी भानगड आसा – कांयच समजना.

लज-भीड सोडून मेधा आपलो ओघ घालयतालें.

– म्हणजे ? कितें म्हणटा बाय तूं ? कोणे सांगलें तुका ? ताका कितेंय व्यंग बी ----

– भाई, ताच्या तोंडान ताणे म्हाका सांगलां, हांव ताका आवडना खंय.

– कितें ? मागीर कित्याक लग्न केल्लें खंय ताणे ? तेन्ना अक्कल खंय गेल्ली ?

भाईन तिडकून म्हळें.

– आवयन फोर्स केलो खंय.

मेधान स्पश्ट केलें.

– म्हणून आवडनासतना लग्न करून दुसऱ्यांच्या चलयांची वाट लावप ? आवडटा ताचेकडेन करपाचें न्हय लग्न ?

भाई फडफडलो.

– ताका लग्न करपाचेंच नासलें, पूण आवयन खंय जीव दिता म्हणून भंय घालो आनी म्हणून तो लग्न जालो.

मेधान तिरायताली खबर आशिल्लेवरी सांगलें. आपल्या मनशांकडेन मनाचो ओघ घाल्ल्यान तें बरेंच शांत जाल्लें.

– आवयन शेण खा म्हळें म्हणून खावपा इतलो तो कितें ल्हान आसा ? ताका अक्कल आसा कांय ना ?

– राव गो. पूण माय सामकी जीव करताली न्हंय गो तुकां ? म्हणूनूच दिसता.

---

'चित्रंगी' क यश आंवडेतां


# पायोनियर डिस्ट्रीब्युटर्स

**ड्रग्स आनी सर्जिकल्स**

रमाकांत अपार्टमेंटस
सांतिनेज, पणजी

आवयन तर्क लडयलो.

– आई, थोड्यांचे खावपाचे दात वेगळे आनी दाखोवपाचे वेगळे आसतात.

मेधान सांगलें

– म्हणजे ती कितें करतालीं तर गो ?

आवयन चितेस्त जावन म्हळें.

– हांगा आसामर हांवय त्याच भ्रमांत आशिल्लें. माय न्ही, म्हाकां आनीक एक आईच मेळली म्हणून. पूण तिच्या पुतान म्हाका आपणायलें ना म्हणून दिसता आपणालें खरें रूप भायर काडलें तिणे. उठसूट घालपाकरपावेल्यान उलोवप, ताईक गोंठ बी घाल्यात, आमकां फटयलें करून तरातरांनी थोमणे मारप ! घरांत कितेंय घडूनी, ताचें पानवळ म्हजेर ! मांजरापोर मेल्यार लेगीत म्हज्या पांयगुणान आनी मावांचें काम जालें ना जाल्यार तेंवय म्हजेंच नशीब !

– पाड घालें व्हरून हाचें.

आवय फणफणली.

– इतलेंच न्हय, हांव पिशान्तर, अरवळ, म्हाकां कांय कळना, घोवाक सांबाळूंक कळना, रांदूंक कळना अशें दिसभर हाका ताका सांगत मोंवप. चेडवां वोडकूरांहुजीर लेगीत म्हजी धींड काडची तिणे ! तिची तरा अशी तर घोवाचेर मोनेळ पडिल्लो. भायर हजारजाणाकडेन नाचता खंय. नव्या नवतीच्या दिसांनी हें असलें वागणे कशें सोंसप हांवें ?

मगळें येवजून मेधालीं दोळ्यांकुपां परतीं भरून आयलीं.

– आगो, मागीर तुवें आमकां तरी कळोवपाचें न्हय रोकडें ? कितेंय उपाय काडूं येतालो. वीखापरीक्षा पळयत कित्याक रावलें थंय ?

बापायन कळवळून विचारलें.

– आई, बाबा, तुमी दोगांय बरीं नासता. तुमकां आनी बेठीच चिंता नाका म्हणून ओगी रावलें हांव. आनी नाय म्हळघार मनांत आस्त आशिल्ली हांव ताका कशेंय करून सुदारतलें म्हणून. पूण हरप्रयत्न करून लेगीत परिस्थिती सुदारपावांटचाची इबाडतच गेली. शेवटाक तर घाडी भगत, करण्यो मानपान असले हळशिकावणे प्रकार सुरू जाले आनी हांव दाद दिना म्हणून म्हाकाच पिशें थारावंक सोदतात.

– इतली शिकिल्लीं संवरिल्लीं मनशां आमून लेगीत असल्याचेर विश्वास ?

भाईन अविश्वासान म्हळें.

– भाई, ती मनशां सुशिक्षीत पूण सुसंस्कृत न्हय रे – अडाण्यापाश्ट ! कितें म्हणटा तो पैसो वळखतात ! मरींत भर म्हणजे शेजाऱ्यापाजाऱ्यांक हांव क्रेक म्हणून जाणोवंक लागली. ताकतिकेन लग्न करून फसलीं म्हणून बोवाळ करूंक लागलीं. शिविसेक वचूंक लेगीत आडमेळीं हाडूंक लागली. कशायभशेन म्हजे गोमटेर कोण बसला हें दाखोवपाचो तांचो यत्न सुरू जालो.

उलयतां उलयतां मेधा थांबलें.

– तुवेंच म्हणून सोसलें गो पोरा हें . . . हांव जाल्यार केन्ना पिशें जावपाचें.

आवयन म्हळें.

– तोच तर तांचो हेतू आसलो. ह्या दिसांनी तर म्हज्या मरणार उठिल्लेवरी करूंक लागलीं. ह्या सगळ्या ताणान करून म्हजें मनय शांत उरना जालें. म्हणजे एक तर हांवें पिशें जावप नाजाल्यार वाजेवन आत्मघात करून घेवप इतलोच उपाय उरिल्लो. हालीं हालीं तर म्हज्या जिवाची म्हाका खरीच शाश्वती दिसना जाली. तेन्ना मागीर पत्र घालून भाईक आफयलें.

कपल चिड्डीत मेधान सांगलें.

– पुरो बाय, आनीक आनी कांयच सांगनाका. तुका कसल्या वातावरणांत रावचें पडटालें ताची झळ म्हाका मुंबय आयिल्लो तेन्ना मेळळयाच.

– राव भाई, आतां आडायनाका. उरला तेंय आयक. इतलेंच न्हय रे हें प्रकरण खूब फूडें पावलां. आमकां ताणी सामकीं फटयलीं.

– म्हणजे गो, कितें म्हणटा तूं ?

भाईन विचारलें.

With Best Wishes —

LAXMI STORES
Metal Merchants
Kapadi Building
Curchorem - Goa
403 706

– हांव शेजाऱ्याकडेन बीन उलयत म्हणून म्हाका एकलें केन्ना सोडीनासलीं. घरांत भायर सामकी पाटराखण चलिल्ली. कोणेय कितेंय उल्यल्यार झांकिल्लें भायर सरत म्हणून जांवये. चेडवाक तर ताणो सामके विकतेंच घेतिल्लें -- तें तांचो उजवो हात ! पूण हेरांकडल्यान कितेंय कळळयार ? म्हणून ऑफिसांत लेगीत म्हाका पावप, व्हरूंक येवप. पूण म्हातारेन बऽरो कोमो धाकून दवल्लो म्हणून उजवाडपाचें उरता ? एक दीस कर्मधर्म संयोगान एक लागींची शेजान्न ऑफिसांत आयिल्ली कसल्या कामाक. तिणे म्हाकां शिटकायलें. सावध राव म्हणून सांगलें. हाचेपैलीं एकलेन जाव दिला खंय तांच्या करण्यांनी.

मेधान सांगून सोडलें.

– म्हणजे ? कितें म्हणटा गो तूं ?

बापूय आडुलोच.

– हय बाबा, ताणी आमकां सांगलें ना, पूण हे ताचें दुसरे लग्न. भयंकर त्रास दिल्यात खंय तिका.

मेधान आंग शिरशिरायत सांगलें.

– शी ऽ ऽ इतले हलकट हे लोक म्हणून खबर नाशिल्ले. तांकां पळय बुद्ध शिकयतां आतां ! तांच्यो सगळ्यो करण्यो भायर काडूंक जाय.

– पूण कोणेच कर्णे कांय सांगलें ना काय म्हणटा हांव आवयन म्हळें.

– आनी आमी तरी कशीं घाळ उरलीं इतलीं. चड खोलांत वचून चौकशी केलीच ना. कोणाकडेनय सारकें इफोर्मेशांव काडल्यार सगळें कळटलें आशिल्लें. मागीर फुडलें हें रामायण वडचेंच नाशिल्लें. छे ऽ ऽ

बापूय चुकचुकलो.

– भूल पडली ती आमकां. नाजाल्यार प्रत्येक थळांत हजार खोडी काडपी भाईलेगीत ओगी रावलो ना ?

आवयन म्हळें.

– खरेंच, कसली असली भूल पडली म्हणून देव जाणां.

– म्हजें नशीब, आनी कांयच न्ही.

मेधा हुस्कारलें.

– जांव आतां जालें तें जालें. पश्चाताप करून कितें भोग सरतले ? आतां फूडलें येवजूक जाय.

बापायन तांकां आडायलें.

– खरेंच, आतां घडलां तें एक दुःसपन पडलें अशें

*With Best Compliments From :*

# Caps Printers

**Prop. Paresh Kadkade**

Bicholim - Goa.

समजून सगळे विसरून वच शाण्या आनी पयलेवरीच आमचें मोगाळ बाय जावन राव.

भाईन ताचे फाटार हात भोंवडायत म्हळें.

– भाई,

भरून आयिल्ल्या गळ्यान मेधा उलोवंक लागलें. आतां पयलींमाशेन कशें जातलें रे हांव ? तुमचें तें बाय लग्नातल्या होमांत केन्ना लासून गेलें. ताचो गोबोर जालो.

– अशें कित्याक म्हणटा पापया, आगो तूं अजून आसा तश्शें आसा. तुज्यान परथून पयलीबशेन जावं येता. आमी रोकडो डायव्हर्स मेळोवचेलो यत्न करूंया. तू नवे उमेदीन संसाराचो श्रीगणेशा गिरय.

आवयन-बापायन समजायलें.

– आनी म्हजें मन ? तें खंय तशें उल्लां ? जगातले वायट वायट अणभव येवन ताची कोमरी शेणली, तें निबर जालां आनी हांवें पयलीवरीं रावचेलो यत्न केलो तरी घोवान सोडील्लें म्हणून लोक म्हाकाच बोट दाखयतले. हाचीच कितेंयपूण भानगड आमा म्हणटले.

मनांत घुस्मट्त मेधान म्हळें.

– लोक गेले उडत. तांची पर्वा कित्याक करता ? आगो, तुजो हो भाई आसा ही तुजो पाठीराखो, तूं कित्याक भियेलां ? आनी एक नोकरी काय तुवें सोडूंक ना. परत हांगा ट्रान्स्फर करूक लावंया.

– हय, हांगा येवपाचें ठरयतनाच हांवें आमच्या वॉसाक आमच्या घरच्या वातावरणाची मातशी आयडिया दिल्ली. ताणे आपणे जावन परत म्हजी ट्रान्स्फर करतां म्हणून उतर दिलां

मेधान सांगलें.

– मागीर जालें तर. आनी आई, बाबा, एक सांगता. म्हजें बाय सुखी जाल्लें पळयलेबगर म्हाका कांयच नाका. तुकां बरेतरेन सुखान संसार केल्लो पळेलेपरतें दूसरें सुख नासतलें म्हजे जिणेंत.

भाईन ताका वेंगेत घेत म्हळें.

– संसार ! नाका रे बाबा, भोगलो तो पुरो जालो.

आंग शिरशिरायत मेधान म्हळें.

– पिशें गो पिशें. आगो, एक वायट अणभव आयलो म्हणून सदांच कितें अशें घडना सगळचा दुःखाचेर काळ हें रामबाण वखद आसा. आतां पटलें ना तरी कांय तेंपान तुजे तुकांच पडटलें.

बापायन समजायलें.

– आनी त्या हळशिकावण्या लोकांपासत तूं तुज मुखाकडेन फाट घुंवडायतलें ? म्हज्या बायच्या मुख वीख काळोवण्यांक सारकी बुद्ध शिकयतां पळय.

– नाका, तांकां बुद्ध शिकोवन कितें करतलो तूं कोर्टांत गेल्यार लज बेठीच – घराण्याचें नांव वत आनी पैशांपरी पैसो वतलो. सगळ्या लोकांत बो बोवाळ, चर्चा जातली. नाकाच तें.

आईन भियेत म्हळें.

– हेंच चुकता तुमचें आई. चलयेच्या आयुष्या लुकसाण जालां तें पळय ! घराण्याचें नांव वतलें खं आमचें कित्याक – गेल्यार तांचेंच वतलें – चलो अ तसो म्हणून. आतां पयलिचो काळ उरूंक ना आ लोक सारकें येवजून उलयतात आनी आज आमकां अ घडलां, फाल्यां हेच लोक दुसरे खंयचेच चलये पिडचेनात कित्यावेल्यान ? लज, अब्रू ह्या फटींच्य दंभाक पयस करून आमीच फडें सरून दुसऱ्यां वाचोवंक जाय. समाजिक बांधिलकाय म्हणून कितें आमा काय ना ?

– हय रे हय भाई. आमकां पयलींच समजल्यार हां वाचचें नाशिल्लें ? तेन्ना हांवें थारायलां आई, म्हज बळी गेलो तो गेलो आनीक आनी खंयचेच चलयेक ह अणभव नाकां. हांव माग काडीत रावपी आनी ताच्य लग्नाचें कानार आयल्यार त्या दुसऱ्याक तरी सावध करपीच.

चवताळून मेधान म्हळें.

– शाब्बास ! आतां खरी म्हजी भयण सोबली पळय आतां पयलें काम ताका कोर्टांत खेचपाचें.

भाईन लक्तुबायेन मेधाचे फांटीर थापटीले आनी वयल्या रंगाक भुलिल्लीं तीं मनशां अंतरंगाचे दर्शन घडिल्ल्यान सावधचित जावन फुडले बेत रचूंक गूंग जालीं.

**

With Best Wishes From :

THE PROGRESS
COMMERCIAL INSTITUTE

Curchorem - Goa




# मांगल्य सौभाग्य

सुशीला टी. भट. कोची

कोक्करे ... को ... कोंबो रडता. तो समयु मितरीय सुमित्राले दोळयांचो पत्तियो आड जालेनाय. तिगले मनांतुले संघर्षाक तो वेळु पर्यान समाधान मेळ्लेंना. "देवा ! फल्या सकळीच आठ वरार सिन्नु मामु येत्तोलो. जायत कि जवन्ना म्हळ्लेली जाप हांवें तव्वळी तका दीवुंका. हांवें इत्तें कोरचें परमात्मा ? हजो निर्णयु काडूक आसिल्ली शक्ती तूंची मका दी भगवन्ता." अशी प्रार्थना कोरनु ती बरी जावनु पडली. अनीकय नीद एवंचीं लक्षणा नाय. ती राती एकी काळरात्री जावनु तिका दिसलें.

सुमित्राले मनांतू सिन्नु मामालीं उत्तरां पोडून धाव्नू भोंवताय. "धुव्वे ! तुगेलेय कुटुम्बाचेय चंगपणा खातिर तां हांवं सांगतां. ह्या कार्यांतु तुगेले अवसूक जावो मक्का जावो कांय निर्बन्धु ना. मका हंतु कसोलो लाभुय ना. अत्तांच तुका वर्षां बत्तीस जालीं. समकीच सांगतां जल्यार आयुष्याचो अर्धु भागु सारनु गेलो. नित्य - रोगी जावनु आसिल्ली आवसु, अपस्मार रोगान बुद्धि मन्द जाल्लोलो भावु. तुका तीन वर्षांय, भावु पोटान्तुय अस्तना मोरनु गेलोलो तो तुगेलो बपूसु. तो समयु धार्नु हप्पळाचें अड्डेंय तुगेली अवसूय एक मेळनु कष्ट काडून तां तुमकां व्होड केल्यांय. अज्जीय तोच हपळा ब्यारूच तिका शरण. धा जणाचें पाय धार्नु तुंगेले अवसून चेल्याक मूंजीचो पोडु घालयलो. बपसूले कर्माक अधिकारी केलो. अनीक तुगेली व्हरडीक लागेन

जाल्यार अवसूक तिगेले जीविताचें साफल्य मेळतलें.

हज्जे फूडे उतूलकडे तुका सोयरीक चोयली ? खंय पुणीय जाली वे ? स्त्रीधनु सिखवण, उद्योगु, मन - प्राय हें सर्वंय चोवनु तां अत्तां चेल्ले व्हरडीकेक तैयार जत्ताय. हंतु संगिल्लें सग ना दिकुनूच न्हयवें अतां भितर तुगेली व्हरडीक जावनातिल्लें राबिल्या ? अतां तुका निमगून आयिल्ले मनषाक प्राय सण्ण चढीतां म्हळळेलें सत्यच. जल्यार तूं ह्या व्हरडीकेक तैयार जात्ता जाल्यार तुगेले अवसूलींय भावालींय भावि जीविताचीं कार्यीं तो चोयन म्हुण ताणे स्वयं स्वीकारू केल्यां, जायी जालेली धन - संपत्ती आयिल्लो मनीष तो. हाथ मुखार आयिल्ले लक्ष्मीक चिकूळनु भायर घालूक वोग्गीं जातलें. अनीक तुगेली खुशी तकीत कर्ी. इत्तेंय जल्यारीय चांग कोरनु तुगेले अत्मालागीच आलोचना कोरनु फल्या आठ वरारी माका जाप सांग. "हाँ" जल्यारीय "ना" जल्यारीय दोन दीस जाले तो मनीषु अमगे थंय ह्या खातिर राबला. मका तका फल्य जाप दीवंका.

मनांतु विचार एत्ताय तशीच श्वासु तंडूक कष्ट जाताय सी दिसले; मुमित्राक नीद ना नाची. ती दावे वरीन पडली अम्मा तव - तवळी खंखीताची आसा, नित्य असूचेंच हें. मावु पाप चांग नीद. दिसाचें हप्पळा दंघाचे वोड्डियानीच रत्तीचें खवंचे गुळियांचेय प्रभावान कर्तना तो गाढ निद्देंतु लीन जाता. विचार, धर्म - संकप्ट हें कांय तक्का वाधक न्हय, कशीय जावो अत्तां खवंच्यो गुळियो दिवंचाक आरंभिल्लो उपरान्ते तका रोगु व्होड शक्ति जावनु, लग - लगीच येना. पप्प। तज्जे फूडे उतूले कष्ट भोगतालो; रोगु येत्तरी हप्पळा दंधांतु थाकुन मेळचे आमदनींतुलो चोढ मागुय तागेले वोखदाक वत्ता तां जल्यारीय तका व्होडी पीढा जायना म्हळळेलेंच मुकृत अशी चिन्तन कोरन - कोरनु मुमित्रा दुसेरीय तिगले विषयारीच पावली.

देवा। मका अनीकय नूं कांय व्यक्त जावनु दिस्मयना मू ह्यावें ही सोयरीक स्वीकारू कोरका कि नक्का म्हुणु. मिगेले कुटुम्बा पमावत चिन्तन केल्यार मका "हां" म्हणूक दिसता. जाल्यार त्या मनुष्याली प्रायी, कुटुम्बाचें वातावरण सग चिन्तन केल्यारी "ना" म्हणूक दिसता. स्त्रीधन व्हरडीकेचो वेचु कांय नातिल्लें व्हरडीक जातली जाल्यारीय मनाक व्होडी तृप्ति दिसना. पांच जाण चेरडूवांलो बपूमु. तंतु चार जणालीय व्हरडीक जाली. नत्तूरवालो. व्हरडीक जालेले दोग जाण पुत्तय चांग उद्योगारी परगावांत असय. दोग जाण धुव्वोय तशीच व्हरडीक जावनु बमणाले उद्योग स्थलारी असय. तिसरो पूतु मात्र सिखवण सग्गी जाली जल्यारीय काम सोधून मोवंता खयं. प्राय जल्यार पंचावन दंटवलीं. बायल मोरनु देढ वर्ष जाले खंय चेरडूवां पांच जाणय इतर बन्धुबांधवंय त्या मनषान धक्टि व्हरडीक करतल्यांतु विरूद्ध म्हुणूय अयकीलें.

जाल्यार गांवचें देवळांतुलो "प्रधान अर्चकु" जावनु आसिल्ले त्या मनष्याक अपण्यालें तें स्थान नष्ट करूक व्होड दुख. बायल नात्तिल्ले भट्टाक देवाक पूजा कोरूक नज्ज म्हुण आचारू अस खंय. तें दिकून बायल मरत लागेने अनय भट्टाकरयान तात्कालिक रूपान पूजा कोरोवनु येत्ता खंय; तो मनीषु, बायलेलें वर्षाडीचें श्राद्ध जायत लागेन धक्टि व्हरडीक कोरूक चेल्लि सोधून मोवंचाक आरांभिलें तं. असले सग साहचर्यारी तका बमूणु जावनु स्वीकार करूक प्राय चढी आसिल्यो चेल्लीयो पर्यान तैयार न्हय खंय. सोधून सोधन तो भट - मामु ह्या गांवान्तुय पावलो. सिन्नु मामाले वोळकीन्तु पावलो. पूत कोणय देवाली सेवा करूक तैयार न्हय दिकून सिखून कामाक गेले. वर्ष - वर्षानो देवाक कोरनु एवंचीं पूजा करूक कुटुबांचे त्या शाखेंतु दुसेरे कोण नाय खंय. मरण कालु लागी पावुं भितरी -- जायत उतलेच काल - देवाली पूजा कोरनु, सेवा कोरनु दीस काडकाय म्हुण आग्रहु पवंता दिकुन माव तां धक्टि व्हरडीक कोरूक मटमामु भायर सरला म्हुण सिन्नु मामालागी संगिलें खंय.

ईश्वरा ! हावें ह्या व्हरडीकेक तैयार जत्तां जल्यार थंगाची प्रतिकूल परिस्थिति मका कसी

With Best Wishes From :

**M/s BHAGWANT P. N. KARMALI**

Cloth Merchant
CURCHOREM - GOA

राबतली ? तैयार न्हय जल्यार मिगेली कुटुवांची स्थिति कशी जातली ? मिगलें जीवित त्यागु कोरनु जल्यारीय मिगले मात्राक एकी सवळी मेळता जल्यार चांग्च न्हवें ? अम्मान देवाक पांय पोडचे वेळेर केदनाय सांगचे - देवा मिगेले धुव्वेले गोवंटेक मांगल्य सूत्र बंधुच्चें चोवंचाक मका भाग्य अस्तलें वें ? अयकील्यार मनांतु व्होड दुःख दिसता. भगवन्ता हांव धर्म - संकष्टान्तु पडून तां अतां अस्सा. मका एक चांग वाट दखयी. अशी विचारू करनु सुमित्रा उठायलीं. कोपुरलान्तु थाकुन एकु खोल्लो शेळ उदाक काडून पिल्ली. दुसेरीय वचून मंदरेर पडली जाय कि नाका म्हळळेले संघर्षान्तु थाकुन तावळीय तिगेलें मन मुक्त जालेना.

फल्ले जालें. सुमित्रा उठावनु न्हाली. झाडांचेरी जालेलीं फुल्लांय घेवनु देवळान्तु गेली. मन दुखून देवाक पांय पडली. तिगेलें जीवितच देवाक अर्पण केल्लें. प्रदक्षिण काडून तीर्थ प्रसादु घेवनु मनः समाधानेत घरकडे पवल्यार सिन्नु मामु राखून बेसला. ताणे निमगुच्चे फूडेच सुमित्रान जाप दिल्ली "हांव तैयार म्हुण सांग सिन्नु मामु."

चेल्लेक चोवप, निश्चय तांबूल, ताट्टां परतप हें कांय नात्तिल्लेंच सात दिस्सीं सुमित्राली व्हरडीक चमकीली. सिन्नु मामाले घरांतु भितर चार कोब्ब बन्धून तैयार केल्लेल्या विवाह - मंटव्यान्तु दव्वोरनु, वर - पक्षांतु केवल पांच जाण मनीषां. व्होरेतु. होरताली मयणी, एक चेरडूं अनीक दोग जाण दद्दूले. आस - पास आसिल्लीय बन्धु जनय जावनु धा - तीस मनीषां व्होकलेले भागान सगी - संबन्धी न्हय जल्यारीय सर्व कर्यांय धावनु - मोवनु सिन्नु मामान करयलीं. सुमित्राले बपसूले अंगडीन्तुलो कामाचो चेरको जावनु जीवित आरांभु केल्ललो सिन्नु मामु सुमित्राले कुटुम्बाचे सर्व सुख - दःखान्तुय मागु घेवनु स्वजनां पशी चांग रूपान चमकून आयला.

व्हरडीकेचें जेवण जालें. स्वल्प घडियांचे विश्रमाचे उपरांते व्होरण्ण व्होरता थंय वच्चाक मायर सरलें. कारारी तां यात्रा सुमित्रा रडत - रडत सिन्नु मामाले, अवसूले पय्यांकडे पडली ; यात्रेक अनुमति मग्गून. आवसु धुव्वेक उटकरावनु चांग कोरनु चोयली गोवंटो मोरनु मंगार. जडच मंगल्य सूत्र. हाथ मोरनु ककंणां. आमरणांचे रूप चोवनु तीणे मनांतु केल्लें "हें व्होळळे बयलेलें भंगार अस्तलें. हां इत्तेंय जावो मिगेली धूव भाग्यवन्तीच. जीवितांतु प्रथम जावनु तां पाषिणी मंगार घालता." सुमित्रान रडत मावाक पाटोवनु धरलो, यात्रा सांगली. सेजारी, अन्य जनां सर्वय तिगले भाग्या पसावत, तंतूच एद्दीं जाण तिगेले दुखस्थे पसावतय परस्पर उलोवंचाक लागलीं.

संजे सात वरांचे फुडेचो जावनु कार व्होरता थंय पावलें. सगंय देवलीं. " गृहप्रवेशु " अनीक कोरचो आचारू असा जल्यारीय धकिट व्हरडीक दिकूनुय बन्धु जनालो महकारू ना दिकूनुय भट मामान तें कांय नाक्का म्हुण दवरलें. नवी व्होकल आयिल्ली खबर अयकून सेजारचीं जन, देवळान्तु पांय पडूक आयिल्लीं जनां सग " नवे भटिणमायेक " चोवंचाक अयलीं. त्या गवंचे जनांक तो दीसु उत्सवा लेकान दिसलो.

" उज्जो पायु ववोरनु भित्तरी चढ सुमित्रा." भट मामान नवे बयलेलागी सांगलें. "अनीक मरण पर्यन्त तूं ह्या घरकडे तां राबतली. तें दिकून यो ... तुका वस्सरी, रत्नणी, साधन-सामग्री सग्ग दाखयतां. सगटांक पिवंचाक एद्दी चाय दव्वरी." भट मामालीं हीं उत्तरां अयकून भयणीन जाप दिल्ली " इत्ते जालें


With Best Compliments From :

Western India Steel

Mfg. of Pharmaceutical
Epuipments & Structural
Fabricators
TISK - PONDA - GOA
Prop. Nagesh Shirwant

अण्णा तुक्का ? पाप तिका ह्या घरचो परिचयु जालो वे ? यो वोन्ने ... हांव तुका सर्वय दाखोवनु दित्तां." चाय तैयार करतां - करतां नणन्देन वोन्नेक त्या घरकडचे चाली, आचारू सग्ग संगून मनां केल्लें. अण्णाले चेरडूवां पसावतय सांगलें. अण्णाले हित-अहिता संबन्धीय संगून मनातु केलें "वोन्ने एक सत्य संगल्यार तुका कांय दिस्सूक नज्ज. अण्णान धकिट व्हरडीक कोरचे पुत्तांक - धुव्वांक कांय तृप्ति न्हह. तीं हंगा सरी आयलेनाय दिखिलवे ? मगीर एक कायरें लागेन... अण्णालो द्यकूलो एकलो पूतु असा - प्रकाशु. तो सण्ण वायट संधातु पडून असा ... स्वल्प पित्ता, लहरी सामग्रीचो उपयोगु करता. कांय भिवंचाक ना ... तो इत्तेंय उलयता जल्यरिय तुवें कांय जाप दीवनात्तिल्लें राबल्यार पूरो इतलेंच.

चाय - खाण जाव्नु व्हरडीकेक भागु घेत्तल्ले दद्दूले तग - तगेल्या घरल्याक गेले. "वोन्ने, अण्णा अनीक हाँवय अधिक तोडोवु करना. आजीचे दिसाक हंगा रवतलीं असिलीं. जल्यार मिगले धकूले धुव्वेक बाळान्तीर्‌याक हाडिल्ली असा. दोन - तीन दीस भितर बाळान्ती जावचाक पूरो म्हुण डाक्टरणीन सांगल्यां. "मेधाकय गर्भाकय पत्तेवचाक नज्ज" म्हुण परणी म्हण्णी असा न्हवें ? त्या पसावत हांव वत्तां. जायत जल्यार फल्य दोनपारां हंगा येवंचाक चोयतां." यात्रा संगून नणन्दय गेली. सुमित्राक शून्यता अनुभव जालो. भय्यान मनांतु भारू दिसलो.

हाथ - पाय धूवनु भटमामु घरांतु अयलो. " सुमित्रा हांव एक देवळांतु वोच्चून येत्तां. मंगलारतीचो वेळु जाला. फल्य थाकुन हांवच तां देवाक पूजा करूक वत्ता. देवळाची चावी काणु घेवंची आसा. मिगेले प्रति अत्तां परयान पूजा केलेल्या नरसीं भटाक इत्तेंय दुडुय दीवनु येत्तां. हावें देवळांतु थाकुन पोरतून पावु भितरी लागी घरकडची ही प्रीता तुजे लागी बेसतली. रत्तीचे आहाराक अंकां रूलावुं फण्ण धालनु खाऊं. केळीं, दूद सगट असा. हांव वत्तां. तुमी कवट धंपून बेसाय" हें सांगुन भट मामु देवळांतु गेलो.

प्रिया म्हळळेले सात वर्षांचे चेलिये लागी एकेक खबर उलोवनु सुमित्रा बेसली. मनान्तु मोरनु अशंकाय अन्धकारूय मात्र. "कवट काडी गो" ह्यळळोलो आक्रोशु अयकून ती भिल्ली. कवटारी भरतची असा, भायर थाकुन. तीणे धैर्य संभरण कोरनु कवट कडलें. "अय्यो प्रकाशन्नु ... हांव वत्तां" अशी संगून प्रिया धवली. सुमित्रालें. शरीर भयान कड्कडेलें. शेळ जालें.

मगीर एक गर्जन तिगले कन्नांतु पडलें. सुराची घाणीय "व्हयगो चेडिये ? मिगेलो म्हन्तारो बप्पा न्हन्तना तुका वेगोळो कोण बमूण जाव्नु मेळ्ळो ना न्हयवे ? मिगेलें बप्पाली धन - संपत्ति अपहरण करतली म्हळळेले मोहान तां तूवें ह्या म्हतंऱ्याक व्हरडीक केल्या इत्तीगो तूं कांय उलयना ? तूं मुंगी वे ? " तका कांय जाप दीवनात्तिल्लें ती भुयचेर बेसलीं तिका बोधु नष्ट जाता सी दिसलें.

"अगो प्रथम तुगेले मांसाची रूचि हांव पळयतां. मगीर तुवें तुगेले बमणाक दिल्यार पूरो." हें सांग - सांगतां ताणे तिक्का वोड्डून भायर जगलेर हडली. तिगेलें कपड, चोळी पिंजून नग्न केली. तिका तो भोगूक लागोलो. खबर आयकून धावनु पाविल्ले बप्पाक ताणे चुनौती दिल्ली "धैर्य असा जाल्यार यो रे काम - पिशाचा, तुगेले तरणे बयलेक रक्षण कोरूक" तावळीय मृतप्राय जालेल्या तिका तो भोगीतच असा - बलातसंग.

भट मामाली बोब अयकून जनां धावनु पावलीं प्रकाशा लागी वचाक कोणाक धैर्य ना. तगेलें रौद्र भाव तसलें. जाल्यारीय चार पांच जणानी तका वोड्डून दूर काडलो. सुमित्रान पडलेलकडे रक्ताचो प्रळयु स्तब्ध जावनु राबिल्ले त्या जनानी लागी वोचून चोयताना सुमित्रान गोवंटो आड घालो.

**

'चित्रंगी' क परबीं !

वर्षा बुक स्टॉल

आझाद मैदानालागीं पणजी

सगळे तरेचीं पुस्तकां आनी वेगवेगळ्या भासांतलीं वर्तमानपत्रां आनी मासिकां मेळपाची सुवात




# एक चिटी घुस्पागोंदळी

सुनीता धेंपे

शर्मीला म्हळयार कॉलेजींतलें वादळ. अतीफामाद चली. पयली गजाल म्हळयार इंजीनियरिंग कॉलेजींत चलयो भोव उण्यो तातूंत शर्मिलाचे बॅचींत ताका ॲडमिशनाक एकल्याकच चान्स पडिल्लो. वर्गांत सगल्या चल्यांमदीं एकलें चली जाल्ल्यान प्रोफेसरांमदी ताचें दालें जड आशिल्लेंच. ते भायर पयल्या तीन नंबरांत ताचो नंबर आशिल्ल्यान ताची आनीक अपुरबाय जाताली. ताचेकडेन इश्टागत करपाक तरनाटे विद्यार्थीच न्हय तर प्रोफेसरय धडपडटाले. पूण शर्मीला मात सगल्यांकडेन सारकें. आयज अजयावांगडा तें कॅन्टिनात दिसल्यार फाल्यां तें प्रो. मुदस्सरांचे गाडयेंत आसल्यार कोणाक अजाप जावचें न्हय असो ताचो सभाव आसलो. आनी एक दीस अकस्मात असो आयलो, शर्मीला अचकीत बदलून गेलें. ताणे सगल्यांचकडेन उलोवपाचें सोडलें. मोन्यांनी येवन आपलें काम करून वचपी शर्मीलाचें रूप पळोवंक आख्खे कॉलेजीक कितेंतरीच दिसतालें. पूण ताचें गुपीत एक दीस आपसूक उक्तें जालें.

शर्मीलाचो साखरपुडो एका मंत्र्याच्या चल्यावांगडा जालो अशी जायरात दिसाळ्यांनी झळकली आनी शर्मीलाचो इश्टागत पायापोंदा चिडुल्याची सगल्यांक जाणवीकाय जाली. कॉलेज वर्स सोंपता त्या निमण्या दिसा सॅन्ड ऑफ जालो तेन्ना शर्मीला हो-हो करून रडलें. सगल्यांनी एकामेकाचो

निरोप घेतलो. शर्मीलाक हांसोवंक सगल्यांनी ताच्यो मस्कऱ्यो केल्यो, लग्नाक आपोवंक न विसरपाच्यो शिटकावण्यो मेळळचो, अजयान ताका आपलो लेंस दोळे पुसूंक दिलो जाल्यार कोणे ताका सेंटाची बाटली दिली. निमण्या वर्सा शर्मीला कॉलेजींत येवंक पावत काय ना हो दुबाव दिशिल्ल्यान सगल्यांनी ताका भावपूर्ण निरोप दिलो. सगल्यांक 'बाय बाय' करत शर्मीला गेटींतल्यान भायर सरतलें इतल्यान एकनाथ प्यून धांवत ताचेसरीं आयलो आनी ताणे ताका एक चीट आनी तांबडो टवटवीत गुलाब दिलो.

तांबड्या गुलाबावांगडा आशिल्ले चिटयेर प्रो. शाम वेर्लेकार अशी सय आसली. शर्मीलान चीट पर्सींत दवरून गुलाबाचो वास घेतलो आनी आपल्या बॉब केल्ल्या केसांत हेअरपिनीन घट्ट बसयलो. घरा पावतकच तें कांय कामांनी इतलें घुस्पलें, ताका प्रो. शाम हांचे चिटयेची यादच उरली ना.

दुसऱ्या दिसा शर्मीलाचो फियान्स राजीव येवन ताका भोंवडावक घेवंक गेलो. गाडयेंत बशिल्लेकडेन शर्मीलाचें लक्ष भायर आसा तें पळोवन राजीवान ल्हवू ताची मस्करी करूंक पर्स उकती केली. अचकीत पर्सींतली प्रो. शाम हाची चीट ताका दिस्टी पडली आनी ती ताणे काडून आपल्या बोल्सांत घाली.

कांय दिसांमितर राजीव शर्मीलाचें लग्न जालें. लग्ना पयलीं दिसपी राजीवाचो सभ्यतायेचो मुखवटो आतां गळून पडिल्लो. रात रात राजीव भायर रावता, ताका वायट सांगात आसा हें शर्मीलाचे नदरेंत आयलें. तें दिशीमाशीं सुकूंक लागलें. मावांक सांगून कॉलेजीचें निमणे वर्स शिक्षण पूर्ण करपाचें ताणे यारायलें आनी अकस्मात राजीवान शर्मीलाचेर हय नस्ते आरोप करून ताची तीय वाट बंद करून उडयली.

एक दोस निश्चेवान शर्मीलान राजीवाक विचारलें,

– तूं, म्हजेकडेन असो कित्याक वागता? आरोप कित्याक करता? हांवें तुजें नांव घाणावपासारकें कितें केलां?

– तें त्या प्रो. शाम वेर्लेकाराक आनी तुकाच खबर. पापाचे प्रतिश्ठेक लागून हांव वगी रावलो नाजाल्यार ज्या दिसा ती चीट हातांत सांपडिल्ली त्याच दिसा हांव एंगेजमेंट ब्रेक करपाचो.

राजीव

*With Best Compliments from :*

**LAXMI ENGINEERING SERVICES**

MECHANICAL ENGINEERS
9' CRUZ MANSION
MARGAO - GOA

PHONE : Off. 21553
Res. 23505

– चीट ? कसली चीट ? आनी ती तुका खंय मेळ्ळी ?

शर्मीला

– तुजे पर्सींत.

राजीव

– चीट म्हजो आनी म्हाका खबर नासतना तुवें ती पर्सींतल्यान काडली. बरें काडली ती काडली तातूंत किते बरयलां तें म्हाका दाखयलें ? विचारलें वा फोडणीशी मागली ? ना. राजीव, आय ॲम शुअर यू हॅव मिस अंडर्स्टुड मी

शर्मीला

– पूण प्रो. शाम आनी तुजे तशे संबंद आसले बगर तशी चीट बरोवपाचें धाडस तो करीत अशें म्हाका दिसना. तूं पिशें पांगुरता.

राजीव

– प्रो. शाम हाणी म्हाका कॉलेजीच्या निमण्या दिसा चीट दिल्ली हें खरें आसलें तरी ती हांवें उकती लेगीत करूंक नासली आनी ते खातीर तातूंत कितें बरयल्लें तें म्हाका खबर आसपाचो प्रस्नच येना.

शर्मीला

– पूण ताणे तुका चीट बरोवपच कित्याक ?

राजीव तापलो.

– राजीव, आय थिंक यू आर गोइंग बियाँड यूवर लिमिटस. प्रो. शाम ॲण्ड आय व्हर गुड फ्रेंडस. दॅटस ऑल. तशें पळेल्यार म्हाका खूब फ्रेंडस आसले पूण आमी इश्टच म्हणून वागलीं. चली म्हणून चल्यानी म्हाका केन्नाच मानलें ना. सगळे प्रोफेसरय म्हजे बरे इश्ट आसले. आय वॉज पॉपुलर अमावंग यंगस्टर्स एज वेल एज एल्डर्स. ॲण्ड दॅट वे प्रो. शाम वॉज अ यंगस्टर, सो वुई शेअर्ड गुड रिलेशनशीप.

शर्मीलान म्हळें आनी राजीवाचो तोल गेलो.

– यू ब्रट, प्रॉस्टयुटचूट खंयचें, आमच्या मपक्याक भुल्लुसलें आनी आमकांय गुठलायलें.

राजीवाच्या तोंडातल्यान नस्तीं उतरां भायर फुटनाफुडें शर्मीला तिडकलें.

– माइंड युवर टंग राजीव. म्हाका इश्ट, इश्टिणी आसल्यो हे हांवें तुका सांगलां, पयलीय सांगिल्लें पूण एकल्याकय हांवें 'लायफ पार्टनर' ह्या नात्यान पळोवंक ना, वा केन्नाच म्हजी वागणूक हाताभायर गेल्ली म्हाका तरी याद जायना.

शर्मीला.

– संवसार उलयता तितलें पुरो.

राजीव.

– संवसार ? वॉट ड् य मीन ? तुका म्हजेविशीं कोणे कितेंय सांगल्यार ताचो खुलासो करून घेवंक जाय टेल मी वॉट इज द मॅटर ?

शर्मीला

– कांय सांगपाची गरज ना आनी म्हाका एवसप्लेनेशनय नाका.

-- राजीवाची तीडक वाडत चल्लिली.

उतरां फुटटालीं. एका दुकल्याचेर आरोपय जाताले आनी दिशीं-माशीं घरांतले तंटे वाडत चलिल्ले. तातूंत राजीव सांग्याचे नशेंत ! शर्मीलाक मारपाच्योय एक दोन घडणुको घडल्यो आनी एक दीस शर्मीला वाजेवन कुळारा उठून गेलें.

शर्मीलान आवय-बापायक खरी गजाल सांगली. खूब विचार करून शर्मीलाचो बापूय प्रो. शामाक मेळ्ळो आनी चिटयेंत कितें बरयल्लें तें शामाकडल्यान कळटकच राजीवाच्या दुबावीक सभावाची ताका कल्पना आयली. शर्मीलाचो ससार वाचोवपाखातीर प्रो. शामान स्वता राजीवाकडेन वचपाची तयारी दाखयली पूण शर्मीला हट्टाक पेटिल्लें. ताका दुबावीक घोवावांगडा संसार करपाचो वीट तर आयिल्लोच तेभायर फुडारांत इल्ल्या इल्ल्याशा कारणावेल्यान उज्यांतली कीट वयर उसळपाची भिरांत आसलीच.

बापायच्या आदारान शर्मीलान सोडचिटयेखातीर न्यायालयांत अर्ज केलो. राजीव मंत्र्याचो चलो. प्रकरण धांपपाचे येत्न जाले, सोड-चीट दिवपाक आडमेळों


## M/s. Superfast Xerox

Stationary, Xerox Copies on Canon & Blue Prints.

**Prop. : Subhash V. Naik**

M/s. Superfast Xerox
Rajhauns Vitaran
1, Minaxi Building
Near Samrat Ashok Theatre
PANAJI - GOA
Phone : 3C02

आयलीं, समझोतो करपाचे येत्नय जाले पूण शर्मीला निश्चेवान झुजलें. ताचो बापूय ताच्याफाटल्यान समाजाची पर्वा करनासतना उबो रावलो.

पुराय देडवसांचे चकाचकी उपरांत कोर्टान निमणो निर्णय दिवपाची तारीक धारायली. खूब पुरावे, खूब साक्षीदार उबे जाल्ले. मुख्य म्हळयार प्रो. शामाची चीट तर आसलीच. न्यायाधिशान सगल्या प्रकरणाचो आढाव घेतना ती चीट मेठ्यान वाचून दाखयली. तातूंत बरयल्लें, 'तुजी इश्टागत सगल्यांच्यावरी म्हज्याय मनात सदांच घर करून रावतली. तुका फुडारांत खोस आवंडतां मायेमोगान प्रो. शाम . .'

खरेंच चिटयेंत आशिल्लें कितें? निर्मळ इश्टागतिचीं दोन उतरां पूण ताचो अर्थच राजीवान समजून घेवपाचो येत्न केलोना आनी आपल्यावांगडा एके चलयेची जीण सुकयली. अशेतरेन चलयेची जीण सुकोवपाचो हक्क तर ताका पावनाच, तेभायर चलयेची ताजेबरोबर रावपाची इत्सा ना आनी तिजेर ती सज्ञान आशिल्ल्यान तशेंच तिचो बरो - वायट निर्णय घेवपाचो आशिल्ल्यान कोर्ट राजीव आनी शर्मीला आजपासूम वेगळीं जालीं अशें जाहीर करता. न्यायाधिशानी न्याय दिलो.

शर्मीलाच्या दोळ्यांतल्यान दोन दुकां गालाचेर गळ्ळीं. देड वसांत केल्ले धडपडीक जें येस मेळिल्लें ताचो खोस आसलीच तर दूसरेवटेन आपुण एक संसार तिगोवंक अयेसस्वी ठरलें हाचें दुख्ख आसलें. आपले पर्सींतल्यान लेंस काडपाक शर्मीला पर्स उक्ती करतलें इतल्यान धवो फुल्ल लेंस फुडें करपी एक हात ताच्यामुखार आयलो. शर्मीलान अजापान वयर पळयलें. बगलेक प्रो. शाम.

– सर, तुमी?

शर्मीला

– तुका परबीं दिवंक आयलां. आमचे इश्टागतीच्या बळग्याचेर तूं जिवलें. ह्या संवसाराक एक निर्मळ इश्टागत म्हळघार कितें तें तर दाखोवन दिवपाचें धाडस तुवें केलेंच ते भायर समाजाची पर्वा करनासतना, इस्टेटीच्या चेपणाखाला लिपून रावनासतना मेकळेपणान तूं भायर सरलें. तुका काळजाथावन परबीं.

प्रो. शाम

– थँक्यू सर

शर्मीला

– एक मिनीट. संवसाराची, समाजाची पर्वा करनासतना ज्या शर्मीलान आपले इश्टागतीखातीर संसारार उदक सोडलें ती इश्टागत हांव आयज वेगळ्या नात्यान विरायभर बांदून दवरूंक सोदता. आय ॲम शुअर यु हॅव नो ऑब्जेक्शन.

शामान अशें म्हणून बोल्सांतल्यान एक मुदी काडून कोर्टांतच शर्मीलाच्या बोटांत सरकयली.

आनी शर्मीला? खीणभर अजापान कानार विश्वास न बसून बावलेवरी शामाकडेन पळयत रावलें. ताचें मुखामळ आदलें हांशें सोबयतालें आनी तें पळोवन हाजीर आशिल्ल्यानी ताळ्यांचो गडगड केलो.

शामान न्यायाधिशाकडल्यान ती चीट, गोंदळभरी चीट आपलेकडेन यादीक दवरूक ताब्यांत घेतली आनी तें पळोवन शर्मीलाच्या तोंडातल्यान अचकीत उतरां फुटलीं, 'एक चिटी धुस्पागोंदळी'

**

With Best Wishes From :

**P. KUMARAN**
**P. W. D. Contractors**
House - THRIPTI
Ponda - Goa
Phone : 326




# प्रतिष्ठा

रजनी भेंब्रे

गांवभर शोभाल्या लग्नाची चर्चा चलल्या. आनी खरें म्हळ्यार चर्चा जावपाचीच. चर्चेचीं कारणां खूब आसलीं. एक विधवा बायल परत लग्न जाता आनी तीयबी एका दुसरे जातींतल्याकडेनच न्हय तर दुसऱ्या धर्मातल्या दादल्या कडेन. समाजाचे नदरेन लग्न म्हळ्यार घोवा बायलेचो संबंध हाचे भायर चड म्हत्व नाशिल्ली बाब. पूण शोभाच्या लग्नाक खास म्हत्व आशिल्लें.

शोभा एका प्रतिष्ठित घराण्यांतलें चली प्रतिष्ठित घराण्यांतली सून. ह्य, आनी प्रतिष्ठित घराण्यांतली विधवा बायल मनीस.

शोभाक समाजाची पर्वा ना. ताका दिसता, ताणे केलां तेंच योग्य. थोडयानी ताका वायट चाल्लीचें थारायलां, थोडयांनी ताका मुर्वत नाशिल्ले तर थोडयांनी ताका कुळाचार प्रतिष्ठा बुडयली अशें म्हळां. जो तो गांवातलो मनीस तोंडाक येता तें उलयता.

शोभाचें मन फाटीं फाटीं वता. कॉलेजींत पावता. कॉलेजींत आसतनाचे दीस. कितले उमेदिचे दीस आसले ! कितले इश्ट आनी इश्टिणी. शोभा सगळ्यांच कडेन मेकळेपणान उलयतालें, वागतालें. शोभा बगर पिकनिकेक मजा येना आसली आनी कॉलेजाचें गॅदरिंगय रंगना आसलें. देवान ताका सोबीत रूपय दिल्लें आनी सभाव तर इतलो गुणेस्त ! ताका वायट

उतरां आसतात म्हणपाची खबरच नासली. सदांच खळखळून हांसप. हांसतना पोल्याक खळयो पडप. कितलीय गंभीर विचार करचेली गजाल आसूं ताच्या हांसपामुखार विरगळून वताली. ताचे विचारय फुडारिल्या मताचे आसताले. हाका लागून कांय काकूबाय चल्यांक तें पारफोळ चलीशें दिसतालें. आनी ताचो कितल्याशाच चल्यांकडेन तीं संबंध जुळोवन समादान पावतालीं. तशें बारीकसाणेन पळोंवक गेल्यार शोभाचेर खुबशा चल्यांचो मोग आसलो. मोनो मोग. कोणूच आपलो मोग उक्तांवक धज नासलो.

कितली सुखी जीण ! आनी अश्याच एका सुखाच्या खिणाकच ताच्या संसारीक जिविताची वाटचाल सुरू जाली. शोभा इंटर पास जावून बी. कॉम. च्या पयल्या वर्साक आसलें. त्या वर्सा कॉलेजच्या गॅदरिगाक शोभान शंकुतलेचो पार्ट केल्लो. पयलींच सोबित दिसपी शोभा, शकुंतलेच्या भेसांत चडच रूपेस्त दिसतालें. इतलें, त्याच खिणाक मुखेल सोयऱ्यान ताका आपल्या धाकट्या भावाखातीर ताच्या बापायकडेन लग्नाची मागणी घाल्ली.

शोभाक खूब शिकपाचें आसलें. लग्नाचें तारणें येत्ना चितूंकच नासलें. कॉलेज्याचे दीस फुलपाखरा वरी उडटाले. अचकीत लग्नाची मागणी ! आपल्यायहून मोठें आनी प्रतिष्ठित घराण्यांतल्यान आपले धुवेक मागणी आयली म्हणटकूच शोभाचो बापूय भुल्लुसलो. आनी आवयक तर मळब चारच बोटां उरलें. शोभाची आवतिकाय कितें जाल्या हाजेर कोणेंच विचार केलो ना. जेत्ना बाबान ताका लग्नाचे मागणे संबंदान विचारलें तेत्ना तारणें आपल्याक बी. कॉम. शिकून सी. ए. जावपाचें आसा म्हणपाचें निश्चेवान सांगलें. पूण प्रतिष्ठित घराण्यांतली मागणी शोभाच्या मता परस व्हड थारली. शोभाचें शिकप अर्दकुटें वडोवन लग्न थारलें. शोभान चार दीस जेविनास्तना आनी घरांत उलयनास्तना आपलो राग उक्तावपाचो यत्न केलो पूण उमत्या कळशार उदक जालें.

शोभाचें व्हड दबाज्यान लग्न जालें. ताच्यो इश्टिणी इश्ट लग्नाक बोबाळ घालतालीं. तांकां पळोवन ताका चडचडच रडूंक येतालें. आयच्यान फुलपाखराची जीण मोंपली. पांचवो चुडो – हातभर मांगराच्यो वस्ती, गळथांत, माथ्याक, कानांत, भांगरच भांगर. ताजुकणे केळीक व्हड घडाचो मार पेलना तमो हो मगळो मांगराचो शृंगार शोभाक पेलनासलो. पू ताका अशी समज आसली, आयच्यान हे सगळ पेलपाची आपणें तयारी करूंक जाय म्हण.

जरी शोभा खोशये भायर लग्नांक तयार जाल तरी लग्न जातकच आपसूक घरांत रूळ्लें. घर सगळ्य आधुनिक सुखसोयीनी भरिल्लें. धाकटो देर आन व्हडल्या देरालीं भुग्गीं ताका वयनीच म्हणूंक लागली घरकार शेखर तर भांगराचो कुडको. मुळच्या गुणेस्त सभावान शोभान घरच्यांचीं मना रोखडींच जिखू घेनलीं. फकत एकूच ताका आळबंदा हाडचें पडलें आनी तें म्हळचार खळखळून हांसप ताचे मांयक आनी देराक सगळींच मान दितालीं सुरवेक शोभाक आपलें हांसो चिड्डून दवरपान घुस्मटिल्लेवरो जातालें पूण हळू हळू संवय जाली. सगळींच ताका बरी करतालीं. घरांतल्या माणकुल्या भुरग्यांचें तर शोभा वयनी बगर पान हालनासलें. आपली कॉलेजींतली जीण शोभा केन्ना विसरून गेल्लें. नाय म्हळ्यार केन्ना – केन्नाय उत्कंठेन याद जाताली. पूण आळवावेल्या थेंबाबशेन, रोखडीच ना जाताली. इतलें शोभा संसारांत रमून गेल्लें.

मुस्तायकी घेवूंक जाय, शोभावयनीनव दचू जाय. कोण पिकनिकेक वता – खाणांची वळेरी शोभावयनी कडेन. आधुनिक मताची जाल्ल्यान घरांतल्या भुरग्यांक तीच चड मानवूंक लागली. शोभाक दीस गेले आनी सुखाचो चडच शिवर जावूंक लागलो ताणें एके सोबीत चलयेक जन्म दिलो.

त्याच दिसा ताचो घरकार शेखर काळजाच्य दुयेंसान भायर पडलो. वाऱ्याच्या नेटान अचकित

With Best Wishes From :

G. V. Wavikar

Shambhavi Industrial Packing

Manufacturers o

Corrugated Boxes & Sheet

Factory : D2 3 Kakoda Industrial Estat

Curchorem - Go

403 70

रूख मुळासकट हुमटता तशें शोभाचें जालें. तें सामकें मुळासकट हुमटलें. वेंगेंत त्याच दिसा जल्मल्लें माणकुलें सोबीत बाय. शेखराचेर निमणी नदर लेगीत घालूंक येळ्ळीना. शोभाचें सदचें हासतें मुखामळ सासणाचेंच बावलें. ताचीं जीण चिडुल्या – माडुल्या फुलावरी जाली

कितें करतलीं ? सकाळीं ताका पाचारूंक येतालीं पूण दुःख उकतांवक कोणाचींच तोणां उगड नासलीं. शोभा फुगार जातालें. घुस्मटटालें. शेखरान ताचें हाशेंच न्हय तर रडें लेगीत व्हेल्लें. शोभा शिळा जावून उरिल्लें.

दीस गेले – म्हयने गेले. आतां शोभान कितें करप ? अख्खी जीण सामकार उबी. जरी घरकार गेलो तरी वेंगेंत माणकुलें बाय. आपले जिणेचो ताका हुस्को जातालोच पूण आपल्याय परस ताका आपले माणकुले चलयेचे जिणेचो चड हुस्को जातालो. चोंयवशीन ताका उमाशेचोच काळोख दिसतालो. ताचीं घरचीं पयलीं बरींच ताजेकडेन व्यवहार करेतालीं. व्हडलो देर तर ताका चडच आपुलकी दाखयतालो. आनी दुबादाची पाल चुकचुकताली. पूण तें जाण आसलें तोच ताजो आदार.

जर आयज ताजें शिकप पुराय जाल्लें तर शिर्विशेच्या निमतान शोभा भायर सरतलें आसलें आनी खिणा पुरतो तरी ताका काळे कुट्ट जिणेचो विसर पडटलो आसलो. आवयक बापायक आपूण गुन्यांवकार कशें दिसतालें. आपूण शिकप पुराय करतां म्हणपाची धुवेचीं उतरां सळमळिल्ल्या तेलावरी कानांत पडटालीं. धुवेमरीं आपलें दुःख उकतांवक ताजेलागीं उतरां नासलीं.

वर्सां वतालीं. मजगतीं शोभाच्या दुसऱ्या लग्नाचे प्रस्ताव आयले. ताच्या इश्टिणिनीच ते हाडिल्ले. सुर्वेक शोभाच तयार जायना आसलें. पूण जेन्ना फुडाराचें चित्र ताच्या सामकार उबें केलें तेन्ना तें कशेबशेन तयार जालें. पूण अजापाची गजाल म्हळयार जेन्ना दुसऱ्या लग्नाचे सोयरिकेक शोभा तयार जालें तेन्ना व्हडल्या देरान घराण्याचे प्रतिष्ठेचो प्रश्न उबो केलो. आनी सोयरिको न्हयकारल्यो. शोभाकय दिसलें, खरेंच आपले जिणेत कितें उरलां ? आपणें दुसरें लग्न जावून

---

'चित्रंगी' क परबीं !

कोंकणीच्या मळावयल्या सगळ्या वावुरप्यांक दिवाळी आनी नवें वर्स खूब खोशयेचें आनी समाधानाचें लाबूं अशें आमी आंवडेतां.

---


**बाप्पा लवंदो**
**आनी घरचीं**

सांखळी - गोंय
४०३५०५


---

घराण्याची अब्रू कित्याक व्हगडावची ? म्हजें बाय जातलें कशें तरी व्हड. म्हजो व्हडलो देरच आतां ताचो मायबाप.

माणकुलें तोशा शाळेंत वचूंक लागलें. वर्सां धांवतात. हालींसरा ताजी जाव आतन्या पयन्यान दुयेंत जाताली. पुताच्या मरणा उपरान्त मांयन जें हातरूण धरिल्लें तें तिणें सोडूंकच नासलें. धाकट्या देराचें लग्न जाल्लें आनी ताणे आपल्या सोयी पसत शारांतच राबितो केलो. घरांत आतां खऱ्या अर्थान शोभाचें वावरप सुरू जाल्लें. पूण ताचो ह्या घरगुती वातावरणांत घुस्मटमार जाताली. आनी ह्याच पसत ताणे आपल्या इश्टिणीच्या आदारान फुडलें शिकप पुराय करपाचें धारायलें. ताच्या कॉलेजींतल्या सगळ्याच इश्टिणींची लग्ना जाल्लीं. संसार आनी शिविस बरेतरेन सांबाळटालीं. फाविल्या वेळांत तीं शोभाची वासपुस घेतल्याबगर रावनासलीं.

शोभाच्या घरांत व्हडलो देर सोडलो तर कोणाकूच किंमत नासली. हार्जी शोभाक मुलूस आसलीच आनी जेन्ना शोभान कॉलेजींत वचून आपलें अर्दकुटें शिकप पुराय करपाची इत्सा घरांत उकतायली तेन्ना तर ती सापच जाणवली. आमच्या सारख्या प्रतिष्ठित घराण्यांतले विधवा सूनेन कॉलेजींत वचप म्हळ्यार घराण्याक सोबा दिवची ना म्हणून न्हयकारून वडयली. आनी शोभाचें मन बंड करून उठलें. ताका आपली जीण मारूंक हाडिल्ले गायेवरी दिसूंक लागली.

प्रतिष्ठा – प्रतिष्ठा आनी प्रतिष्ठा. प्रत्येक वेळार प्रतिष्ठेचें नांव. घराण्याचो आव. जणूकाय शोभा करूंक वता तें जगाभायलें कर्तुप. शिकप म्हळ्यार वायट काम. पूण हे खेपे शोभान निश्चेवच केल्लो, फाटीं सरचें ना. कॉलेजींत वचप नाका जाल्यार घरा बसून शिकून आपूण परीक्षा दितलेंच अशें हट्टान सांगतकच निरूपायान ताचो देर तयार जालो.

बरेतरेन अभ्यास करून शोभा परीक्षेची तयारी करतालें. जेन्ना परीक्षेचे दीस लागीं पावले तेन्ना जाण्टेपणाच्या नात्यान ताजो देर ताका घेवून शारांत आयलो. नवें शार म्हणटकच ताका आदार जायच आसलो. तशें पळोवंक गेल्यार शोभाचो धाकटो देर ताका मदत करूंक शकतालो पूण तरी लेगीत ताका व्हडलो देरच घेवून आयलो. कारण एके प्रतिष्ठित घराण्यांतले विधवेन एकटीच शारांत वचप तांका साप मानवूं नासलें. बऱ्याश्या हॉटेलांत ताणीं व्हड कूड घेतली.

परीक्षा दुसऱ्या दिसा सुरू आशिल्यान शोभा रात जागून परीक्षेची तयारी करतालें. अचकित ताणे कच्च करून आंग काडलें. आपल्याक कोण सांसपित म्हणून फाटल्यान पळय जाल्यार ताजो देर ! ज्याका आयज मेरेन तें देवा समान मानतालें तोच ताचेर बळजबरी करपाचो यत्न करतालो. शोभाक किते घडटा तें समजना जालें. ताचो ताळो सुकून आयलो. सगळी कूड आपल्या भोंवतणी घुंवता अशें दिसूंक लागलें. इतल्यान ताणे आपल्याक सांबाळ्लें. अशेतरेची बळजवरी आनी तीय आपल्याच मनशांकडल्यान. प्रत्येक वेळा घराण्याची प्रतिष्ठा फुडें करपी होच – होच काय काय तो दोंगी मनीस ? प्रतिष्ठेच्या नांवाखाला शेखर मरतकर घरांत चिड्डून, घुस्मटावन दवरपी कावेबाज, धुर्त मनीस ? कितलो तेंप हाची बुरशी नदर आसली काय म्हजेर ? आपल्याक सासणाची रखेल करूंक सोदपी राक्षस कॉलेज्यांतली बंडखोर वृत्ति जागी जाली आनी ताज्या आंगात भार भरलो. आपूण कितें करतां

---

'चित्रंगी' क उपाट यश आंवडेतां

---


# विवेक ट्रेडींग कॉर्पोरेशन

वर्दे वालावलीकार रस्तो

मडगांव - गोंय

फोन : २०९५३

हाची ताका जाणविकाय येंवचे पयलींच ताणे मेजावेलो पितळेचो व्हाज काडून देराचे तकलेर इतल्या फोर्सान माल्लो कि तो न्हिन्नळ्ळो आनी धडाम् करून जमनीर पडलो. रगत वंबाळ जालो. शोभा आकांतान रडपाक लागलें. बोवाळान हॉटेल जागें जालें. मॅनेजर आयलो शोभा काचावूल जाल्लें. कितें घडलें हें सांगलेबगर सगळ्यांक कळ्ळें. रोखड्या रोखडो दोतोर हाडून देराक उपाय जाले आनी जेन्ना ताका साबूद आयली तेन्ना ताका शोभाच्या दोळ्यांत पळोवचेली शक्त नामली.

शोभाची परीक्षा खंयचे खंय व्हांवून गेली. शारांतल्यान गांवाक वचपाक भायर मरचे पयलीं देरान ताचे पांय धरले आनी माफी मागली. शोभा फातोर जावून उबें आमलें. देराचे प्रतिष्टेचो तें सूड घेवूंक सोदी. शोभा चित्तालें, फाल्म प्रतिष्ठितपणाखाला आयज मेरेन अशा कितल्या विधवांक अशे तरेची जोण जियेवची पडल्या आसत ?

सूड घेवपाची वाट पळेत आशिल्ल्या शोभान आयज लग्न केलां. आयज ताणें फाल्स प्रतिष्ठेचें पांगरूण पिंजून वडयलां. वादन्यो-वादन्यो केल्यात ज्यो उगड्या दोळ्यांनी ताचो देर पळेता - तोणातल्यान ब्र काडिनास्तना. शोभान आपलो निश्चेव तडीक व्हेला. आयज-आयज शोभा धादोशी जालां.

**


With Best Wishes From :

AJANTA Cashew Industry's

AJANTA CASHEW OIL

&

ALLIED PRODUCTS

Ponda - Goa

# गोरवां-सांबाळ आनी गोरवां-सेवा संचालनालय पणजी

पावताय आशिल्ल्या शेतकामत्यांखातीर वेगवेगळ्यो येवजण्यो मुखार दवरता.

१. दूदाचो वेवसाय
२. कुकडां पोसप
३. डुकरां पोसप
४. बोकडां पोसप
५. सोंशे आनी हांयसां पोसप आदि

अ) शेतकामत्यांचे जोडींत भर घालप तशेंच दूद, मांस, तांतयां, लोकर आनी हेर जिनसांच्या उत्पन्नांत वाड करप.

ब) शेताचें उत्पन्न वाडोवपाखातीर बैलांचो शेत कसपाक उपेग आनी जमनीच्या उत्पन्नाची तांक वाडोवपाक आनी पिकावळीखातीर गोरवांच्या शेणखताचो वापर करप.

व्हेटरनरी हॉस्पिटल्स, व्हेटरनरी डिस्पेन्सरीज, लाईव्ह स्टॉक फॉर्मस, डेअरी प्लांट, ब्रीडींग स्टेशन्स आनी डायग्नोस्टिक लॅबोरेटरीज ह्या स्वरूपांत गोंय राज्यांत गरजेच्यो मुळाव्यो सुविधा निर्माण केल्या. ह्या सुवातीचेर जनावरांचे भलायकेची राखण जाता आनी प्रजोत्पादना खातीर सुविधा आसात.

बरे भलायकेच्या जनावरांचें उत्पादन करप, तांची जतनाय घेवप, सुधारीत संकरीत पाडकां/रेडकां/कुंकडां हांचो सांबाळ करप हे बाबींत मार्गदर्शन करता.

बरी भलायकीचीं आनी चड उत्पन्न दिवपी जनावरांची पैदास करपाखातीर आनी हेर गोरवां-सांबाळणेचे कार्यक्रम आनी तंत्रीक माहिती खातीर संचालक 'गोरवां-सांबाळ आनी गोरवांसेवा' हांचेकडेन संपर्क करचो.

समाजांतले दुर्बळ घटक आनी मागास जाती हांच्या विकासाखातीर तयार केल्ल्या तरेकवार येवजण्याविशीं चड समजूत घेवपाखातीर सकयल्या पत्त्यार संपर्क जोडात.

## प्रोजेक्ट ऑफिसर स्पेशल लाइव्ह स्टॉक प्रोग्रम्स आनी तालुको लेवल व्हेटरनरी ऑफिसर

## गोरवां-सांबाळ आनी गोरवां-सेवा संचालनालय

गोंय सरकार
पणजी-गोंय
हांचेवतीन

# उदका शिंपणी खातें

**गोंय सरकार**

उदक सुविधाखाला गोंय सरकार उदरगतिचीं कामा करून राज्याच्या विकासांत वांटो घेता

ह्या बांदकामावरवीं :–

१. साळावली उदका शिंपणी येवजण
२. तिळारी उदका शिंपणी येवजण
३. हणजुणे उदका शिंपणी येवजण
४. मुखेल वाठारांच्या उदरगतिच्यो येवजण्यो दोनांतूय हणजुणे आनी साळावली शिंपणावळ येवजण्यानी.
५. बंधारे, टांकयो आनी उदक वयर चडोवपाची मांडणी अशेतरेच्यो ल्हान उदका शिंपणी येवजण्यो
६. चापोली उदका शिंपणी येवजण आनी उदक सुविधा विकासाखाला खूब हेर येवजण्यो

# उदका शिंपणी खातें

**गोंय सरकार** हाचे वतीन

# नेहरू आनी गोंय

---


* जवाहरलाल : एक बेताज बादशाह
  – रवींद्र केळेकार

* एक म्हान योगी ... गोंयचो मोगी
  – चंद्रकांत केणी

* नेहरू : गोंयच्या प्रश्नासंबंदान

* काव्यांजळी
  – मनोहरराय सरदेसाय
  – शंकर भांडारी
  – उदय भेंब्रो.



# जवाहरलाल : एक बेताज बादशाह

रवींद्र केळेकार

जवाहरलाल म्हळ्यार, स्वराज्य मेळचे आदीं आमचे तरूणायेचे एक 'बेताज बादशाह' !

ह्याच रूपान आमी तांचे कडेन पळेताले.

महात्मा गांधीं विशीं आमकां सगळ्यांक आदर भक्ती. स्वातंत्र्य संग्रामांतले एक सामान्या भायले – लोकोत्तर – सेनानी म्हूण सगळ्यांची तकली तांच्या मुखार नमताली. पुणून ते पुजा करपा सारके - शे आमकां दिसचे. जवाहरलाल आमकां आमचे, आमचे सारके, आमच्यांतले कशे दिसताले.

तांचे भोंवतणी जीव अुंवाळपाची आमची तयारी आसताली.

अहमदनगरचे बंदखणीतल्यान सुटून आयल्या उपरांत ते पयलेच खेपे मुम्बंयत पावल्यात त्यावेळार तांकां येवकार दिवपाक हांव बोरीबंदर स्टेशनार गेल्लों. हांवूय तेन्ना मुम्बय. आयज सांगल्यारूय कोणाक खरें दिसचें ना – हांव जे. जे. स्कूल ऑफ आट्सांत पेन्टिग शिकतलों म्हूण गेल्लों. बोरीबंदरार त्या दिसा हजारांनी लोक जमिल्ले. हे भुरावळींत हांवूय वचून राविल्लों. जवाहरलालांक आयुष्यांत पयलेच खेपे हांवें पळेल्यात ते थंय – बोरीबंदरार. हजारांनी लोकांचे भुरावळींत. बोरीबंदरा सावन वाळकेश्वरा मेरेन तांगेली मिरवणूक लोकांनी

काडिल्ली. ते एके उक्ते जिगीर उबे राविल्ले आनी आमी सगळे तांच्या फाटल्यान फुडल्यान घोषणा दीत धांवताले. बोरीबंदरा सावन घोबीतलाव, कालबादेवी, भूलेश्वर, पायधूनी प्रेरनचे वाटेर हांवूंय हेरांवांगडा तांच्या फाटल्यान 'पं. जवाहरलाल नेहरू की जय' अश्यो घोषणा दीत धांवलां. आमचो 'बेताज बांदशाह' पळोवन हांव त्या दिसा सामको उचांबळीत जाल्लों.

पुणून हें पळोवप, पळोवप म्हणूं नज.

मनीस उठ्ठा, बसता, हांसता, उलयता हें लागीच्यान पळोवप हाका पळोवप म्हणटात.

जवाहरलालांक हांवें लागींच्यान पळेल्यात ते तांगेल्या येवकारा उपरांतच्या तिसऱ्या काय चवथ्या दिसा. हांवें तांगेली आत्मकथा हाचे पयलीं वाचिल्ली. एक आनी दोन खेपे न्हय, कितलेशे खेपे. पुणून मराठींत तांकां पयसल्यान पळेल्या उपरांत दुसऱ्याच दिसा हांवें तिची मुदल अिंग्लीशींतली एक प्रत घेतली. आनी अमृतलाल शेठीसरीं गेलों, म्हळें, म्हाका हाचेर जवाहरलालजीची स्वाक्षरी जाय अमृतलाल शेठींकडेन म्हजी निकतीच वळख जाल्ली. गुजराती भाशेंतले एक झुंजार पत्रकार म्हूण तांगेली नामना. ते 'जन्मभूमि' चे संपादक आशिल्ले. सगळ्या व्हडल्या फुडाऱ्यांगेर तांगेलें येवप वचप चलतालें. ते म्हाका आपणा वांगडा वाळकेश्वराक घेवन गेले. वाळकेश्वराक जवाहरलालांची धाकली भयण कृष्णा हठीसिंग रावताली थंयच जवाहरलाल उतरलेले.

जवाहरलालां भोंवतणी थंय कितलेशे तरणाटे फुडारी एकठांय जाल्ले. हे कॉंग्रेस सोशियालिस्ट पार्टीचे फुडारी म्हणपाचें म्हाका अुपरांत कळ्ळें. जवाहरलाल तांचे लागीं फकांडां मारीत उलयताले. अमृतलाल शेठींक पळेना फुडें ते उठले आनी 'क्यों, कैसे आना हुआ ?' म्हूण विचारून तांकां तांणी आपणासरीं व्हरून वसयले. अमृतलाल शेठीन म्हाका मुखार काडलो आनी म्हळें, 'हो गोंयचो एक भुरगो. हाका तुमची स्वाक्षरी जाय.' हांवें पुस्तक आनी पेन मुखार केलें. जवाहरलालजीन खिणाचोय कळाव करीनासतना स्वाक्षरी दिली. म्हज्याच पेनान.

धा-एक मिणटां हांव थंय उरलां जातलों. ह्या धा मिणटांत हांवें तांगेली व्हंवेन व्हंव नियाळून पळेल्या. प्रत्यक्ष ईश्वर दिश्टी पडिल्लो जाल्यार जातली आशिल्ली तशी-शी खोस म्हाका त्या दिसा जाल्या.

धा-पंदरा दीस एके तरेचे मस्तींत हांव उरलां. त्या उपरांत –

शेंकडचांनी खेपे हांवें तांकां पळेल्यात. तांगेलीं भाशणां आयकल्यांत. तांगेल्या प्रेस-कोन्फरंसांक हाजीर रावलां. तांगेल्यो चर्चा आयकल्यात. तांकां तापिल्ले पळेल्यात. खंती जाल्ले पळेल्यात, हांशिल्ले पळेल्यात. तांगेलें शान्त सौम्य रूप पळेलां. तांगेलें रूद्र रूपूय पळेलां.

पुणून हें सगळें लाखांनी कोटींनी लोकांनी पळेलां ते तरेचें पळोवप म्हणूंक जाय.

प्रत्यक्ष संपर्क खूब वरसां उपरांत आयला. तोवूय खूब थोडो. एकूण चार काय पांच खेपेच हांव तांकां मेळळां. कसलें तरी काम घेवन तांचे सरीं पावलां. तांतले अेके भेटीचो अुगडास मुजरत सांगूंक सोदतां –

---

सोबितकायेक भांगरान नटोवंक

**कावेरी ज्युवेलर्स**

**प्रो. रामचंद्र बी. रायकार**

रोज अपार्टमेंटस, दुकान नं. ५

फ्रांसिस लुइश गोमिश मार्ग

वास्को-द-गामा ४०३८०२

गांधी स्मारक निधीच्या पाल्वान हांव मुम्बय 'गोमंत भारती' नांवाची एक संस्था चल्यतालों.

धोबी तलाव, चिरावाजार बी सुवातांनी गोंयकार जीं 'कुडां' घेवन रावताले तांच्यांत वावुरतालों. तांचे खातीर हांवें 'गोमंत भारती' नांवांचें एक सप्तकी नेमाळें सुरू केल्लें – रोमी लिपींतले कोंकणींत. राष्ट्रवादाचोच प्रचार करतालों. पुणून आमच्या हेर राष्ट्रवाद्यां भाशेन पुर्तुगेजांची कुतां काडून वा सालाझाराक गाळी घालून न्हय. गांधी रवींद्रनाथ हांच्यो खबरी सांगून भारतीय अितिहासांतले कांय प्रसंग· विकसावन कोंकणी विशिचें प्रेम जागोवन 'गोमंत-भारती'चे चार पांच आंक भायर सल्ल्यात जातले, आमचीं 'पुलितिकां' सुरू जालीं. मुम्बयच्या सचिवालयांत भारत सरकाराच्या परराष्ट्र खात्याची अेक कचेरी आशिल्ली. ती गोंयकार राष्ट्रवाद्यांचेर नदर दवरताली. कांय जाणांक तांच्या वावराक आधारूय दिताली.

हे कचेरेंत जो ऑफिसर बसतालो ताच्या हातांत म्हजें नेमाळें पावलें. ताका जाय आशिल्लें तें तांतूंत नाशिल्लें म्हूण ताणे एका राष्ट्रवादी प्रोफेसराक मुखार काडलो आनी ताका 'तूं एक नेमाळें चलय' म्हूण सांगलें. ताका सगळो आधार दिवपाचेंय उतर दिलें.

म्हाका हें कळ्ळें तेन्ना हांवें त्या प्रोफेसराक आनी त्या ऑफिसराक दोगांकूय सांगलें –

तुमगेलें नेमाळें भायर सरलें जाल्यार तुमी तें फुकट वांट्टले. तुमगेलें फुकट मेळटा म्हूण म्हगेलें कोण विकतें घेवचों ना. दुसरें, म्हगेलें लोक वाचतात, तुमगेलें लोक हातांतूय घेवचो ना. कुडांतल्या लोकांक दुसरे तरेन राष्ट्रवादाची दीक्षा दिवंक जाय – हांव दितां ते तरेन . . .

म्हजें म्हणणे दोगांकूय पटलें ना.

हांव दिल्लीक गेलों. थंय समर सेन गो डेस्क सांबाळटाले. तांकां समजावन सांग तांकांय म्हजें म्हणणे पटलें ना. चन्द्रकान्त के त्यावेळार दिल्लींत. तांचें म्हणणे, हांवें जवाहरलालांक वचून सांगचें. येदेंशें ल्हान का घेवन येद्या व्हडल्या मनशाकडेन कितें वतलो तरी आसतना चीट बरोवन धाडली. वे मागलो. दुसऱ्याच दिसा म्हाका वेळ मेळ्ळो.

सांजचो साडे पांचांचो वेळ दिल्लो. ह पांचांकूच सेक्रेटरियरांत पावलों. भितर पाव दवरिना फुडें रिसेप्शनिस्टान विचारते Mr. Kele Kar? हांवें हय म्हळें. 'Prime Minist is free now would you Like to see hi now !' हांवें परतेंय हय म्हळें. रिसेप्शनिस्टा म्हाका अेकल्या सुवादीन केलो आनी तो म्हाक वयर घेवन गेलो.

---

'चित्रंगी' क परबीं

OLA ICE CREAM
फोंडें - गोंय

कितें उलोवचें हाची घराकडेन हांव येसाय मारून गेलों. दोन तीन मिणटांत सगळें सांगून उडयतलों म्हूण थारायल्लें ते प्रमाण 'एक ल्हान काम घेवन आयलां येद्या व्हडल्या मनशा कडेन इतलें ल्हान काम घेवन येवपाची लज दिसता म्हाका...' ही प्रस्तावना करून हांवें दोन मिणटांत सगळें सांगून उडयलें. म्हज्या कामाची दिशाय सांगली. ताणी एका कागदाचेर म्हजें म्हणणे नोंदून घेतलें. फोन उखल्लो. समर सेन आसा काय ना हाची वासपूस केली आनी म्हज्या तोंडा कडेन पळोवन म्हळें, 'रास्ता तो मजबूत है... मैं सेन को बता दूंगा'

म्हजें काम सोंपिल्लें. हांवें उठून म्हळें, 'तो मैं चलूं?' 'नहीं, बैठो' अशें म्हणून म्हाका ताणी बसोवन घेतलो. आनी –

कोणा कोणा संबंदान ते म्हाका विचारपाक लागले. दोन दीस पयलीं जुझे अिनासियु लोयॉला तांकां भेळून गेल्ले. मनीस कसो कितें, तें विचारलें. 'फादर अेच. ओ. मास्कारॅन्यशाक चर्च त्रास दिता म्हूण आयकलां... खरें? मनीस कसो? तें विचारलें पीटर आल्वरिसाक कितले शें Standing आसा गोंयकारां मदीं, तें विचाल्लें. पुरुषोत्तम काकोडकारांक लोक मानतात काय ना तें विचारलें. हांव काम कितें करतां, पयलीं खंय आशिल्लों, कितें करतालों, कितें शिकलां, तें विचारलें.

म्हाका अजाप!

म्हळें, येदो व्हडलो हो मनीस. येदो व्हडलो देश चलयता! आंतर-राष्टीय राजकर्णात जागरुकपणान वावुरता आनी येद्याश्या आमच्या गोंयच्यो इतल्यो बारीक बारीक खबरी लक्षांत दवरता!

कितलो efficient कोम्प्यूटर देवान ह्या मनशाचे तकलेंत बसयल्लो आसूंक जाय!

हांवें घडचाळी कडेन ल्हवूच तिरश्या दोळ्यांनी पळेलें. अर्द वर जाल्लें. अवचित् तांणी म्हाका विचारलें, 'और क्या?'

म्हाका दिसलें, कोंकणीची केस तांच्या मुखार दवरपाची ही भांगराची संद चलून आयल्या. हांवें ती तांच्या मुखार दवरली. कोंकणी भास खंय खंय लोक उलयतात, कोणा कोणाली जल्मभास ही, मराठी लोक तिचे कडेन खंयचे नदरेन पळेतात, गोंयचे हिन्दू मराठीक दसून रावल्यात. किरिस्तांवांक तिची ओड कित्याक... हांवें कित्याक म्हजें जिवीत हे भाशेचे सेवे खातीर ओंपलां... सगळें थोडचा भितर मांडलें.

तें मांडून जातकूच पर्थून जेन्ना तांणी 'और क्या' म्हूण विचाल्लें तेन्ना हांवें म्हळें, 'म्हाका कितलो वेळ दिला, हाचो म्हाका अदमास नाशिल्लो. पाउण वर हांवें तुमचें घेतलें. म्हजें काम सोंपलां आतां आनीक बसलों जाल्यार तो स्वच्छंद जातलो. हांव येतां... अशें म्हणून हांव उठलों.

म्हाका दारा मेरेन ते पावपाक आयले. तांगेली चाल ही – कोणूय येवं, ताका दारांत घेवपाची आनी दारांत पावोवपाची. दारांत पावतकूच म्हज्या खांदार हात दवरून म्हणपाक लागले, 'परतो दिल्लीक पावलो जाल्यार मुजरत येवन मेळ.'

हांव पांखां फुटिल्ले वरी उडत उडत घरा परतलों. दिल्लींत हांव काकासायब कालेलकरांकडेन उतरला थंय पावतकूच म्हजीं कितें कितें उलोवणी जालीं हाचो रिपोर्ट हांवें काकासायबांक दिलो.

हांव हो रिपोर्ट दितालों त्या वेळार थंय म्हज्यांत काकासायबांचे सुपुत्र सतीश कालेलकर आशिल्ले. ते परराष्ट्र खात्यांतले एक ऑफिसर. ताणी म्हळें, 'असल्या मोटचा मनशाक मेळटकूच

घरा येवन एक अेद् मेमोआर वरोवन काडूंक जाय कितें कितें उलोवणी जालीं तें वरोवन काडूंक जाय आनी ताची एक प्रत तांकां धाडून दिवंक जाय.

सतीशांच्याच आधारान हांवें अेद मेमोआर वरोवन काडलो. एक म्हज्या कामा विशिचो आनी दुसरो, कोंकणी संबंदान हांवें जें कितें सांगिल्लें त्या विशया वेलो.

दुसऱ्या दिसा दोनूय प्रती हांवें जवाहरलालजींक धाडून दिल्यो.

दोन चार दिसांनी डॉ. लावरा ड सौझा तांकां मेळून आयल्यो. तांकांय होच अणभव. तांकांय ताणी कांय जाणांविशीं विचारलें.

म्हज्याय संबंदान विचारलें, कसो मनीस, लोक ताका कितलो मानतात, इत्यादी ..

१९५८ तल्या मार्च एप्रिलांतली ही खबर.

तीन साडे तीन वरसां उपरांत गोंय मेकळें जालें. रोखडोच गोंयांत कोंकणी मराठी वाद सुरू जालो. डिसेंबरांत गोंय मेकळें जाल्लें. जुनांत सरकारी अिश्कोलांनी खंयच्या माध्यमांतल्यान शिकोवचें हो प्रस्न उपराशिल्लो.

आमी म्हणटाले, कोंकणींत.

मराठी भक्त म्हणटाले, मराठींत.

वाद हमरी तुमरीचेर आयिल्लो. अंती केन्द्रसरकारान ह्या प्रस्नाचो अभ्यास करून निर्णय दिवपाक एक कमिशन नेमलें – ताका झा कमिशन म्हणटात. ह्या कमिशना मुखार साक्ष दिवपाक हांव पावूंक नाशिल्लों. मुम्बय गेल्लों – कोंकणी क्रमिक पुस्तकां छापून हाडपाक. काम सोंपोवन घरा पावलां तेन्ना मेजार म्हाका झा कमिशनाचें आमंत्रण मेळ्ळें . . . हांव धांवत पणजे गेलों. कमिशनाचो हो निमाणो दीस आशिल्लो आनी साक्ष दिवपीय हांव निमाणो आशिल्लो.

म्हाका पळेना फुडें झा म्हणपाक लागले 'इतले दीस आमी तुजी वाट पळेताले, तूं खंय गेल्लो ?'

मागीर, तांणीं म्हाका सांगलें –

हांगा येवचे पयलीं पंडितजीन आमकां, आफोवन घेतिल्ले. तुवें तांकां दिल्ली नोट ताणी म्हाका दिल्ली आनी म्हळ्ळें, 'गोयांत ह्या मनशाक सोदून काडात. हाणे ह्या प्रस्नाचो सारको विचार केला.'

इतलें सांगून झांनी फायलींतली पंडितजीन तांकां दिल्ली नोट काडली. खंयची आसची ? चार वरसां पयलीं एद मेमोआरच्या रुपान हांवें जी कोंकणी विशीं तांका नोट धाडिल्ली ती !

**



# एक म्हान योगी .... गोंयचो मोगी

चंद्रकांत केणी

पंडित जवाहरलाल नेहरू हांचो जेन्ना जेन्ना हांव उगडास काडटां तेन्ना तेन्ना म्हज्या दोळ्यांसामकार हिमालयांतलीं हिमशिखरां उबीं रावतात. तशें पळोवंक गेल्यार हिमशिखरां पळोवंचे आदीं हांवें जवाहरलालजींक पळयिल्ले. पूण ल्हानपणासावन जिवीतांत ज्यो दोन वस्तू पळोवपाची म्हाका उमळशीक लागिल्ली त्यो म्हळ्यार हिमालय आनी जवाहरलाल नेहरू.

परतंत्र गोंयांत कांसावली नांवाच्या एका ल्हानशा खेड्यांत रावपी हांव, म्हाका जिवीतांतलीं हीं दोन सपनां केन्ना पुराय जायत अशें दिसूंक नासलें. पूण १९५४ वर्साच्या अदमासाक मुंबय पाविल्लेकडेन चौपटीचेर पं नेहरूंची एक भौशीक सभा जावचेली आसा म्हणपाचें समजलें आनी हांव त्या दिसा ते सभेक गेलों. सभेखातीर इतले चड लोक जमतात म्हणपाचें हांवे पयलेच खेपे पळयिल्लें. गर्दतल्यान वाट काडीत हांव सभेचे सुवातेचेर पावलों खरों; पूण जे माचयेचेर बसून पंडितजी भाषण करताले ती म्हजेपसून उणेंच म्हळ्यार अर्द किलोमीटर पयस आसलीं. खाचींतल्यान तकली वयर काडून पंडितजींचें दर्शन घेतलो म्हळ्यार फाटल्यान उबे आशिल्ले लोक म्हाका ओडटाले भाशण पुराय आयकूंक मेळ्ळें पूण

पंडितजीचें दर्शन सारकें घडले ना. देखून दुदाची तान ताकाचेर भागोवपाचो अणभव त्या दिसा हांवे घेतलो.

पंडितजीविशीं हांवे खूब वाचिल्लें. ताचेपरस चड आयकल्लें. कोणेतरी म्हाका सांगिल्लें, १९३६ वर्सा मुंबयसावन कोलंबोक वतना तांगेलें विमान तेन्नाच्या मुरगांव विमानतळाचेर पेट्रोल घेवंक देंविल्लें त्या वेळावयल्या प्रसंगाचीं तीं वर्णनां म्हज्या कानार गेल्लीं. कांय लोक पंडितजींक मेळूंक गेले आनी ताणी तांकां एक निवेदनय पावतें केलें. पूण मुरगांवच्या आदमीनिस्त्रादोरान तांकां तें निवेदन वाचूंक वा विमानतळार गेल्ल्या लोकांकडेन उलोवंक आडायले आनी गागान तांबडे जावन पंडितजी विमानांत वचून बसले.

त्यावेळार म्हजी पिराय पुरती दोन वर्सांची नासली देखून हांवे मुरगांवां वचून तांकां पळोवपाचो प्रस्नच नासलो. तरीकय जो कोण त्या दिसा विमानतळार घडिल्ले घडणुकिचें वर्णन करतालो तें हांव कान दिवन आयकतालों. ते घडणुकेचीं तरेकवार वर्णनां त्या दिसांनी आयकूंक मेळ्ळीं. पुर्तुगेज अधिकारी आनी पंडित नेहरू हांचेमदीं इंग्लीश भाशेंत जाल्ल्या संवादाचो तपशीलय लोक सांगताले. तातूंतलें खरें कितें आनी फट कितें कोण जाणा !

फुडें जेन्ना हांव पंडितजींक मेळ्ळों तेन्ना हांवे त्या प्रसंगाविशीं तांकां प्रस्न विचारलो. 'राष्ट्रमत' निकतेंच सुरू जाल्लें आनी आमकां पंडितजींनी एक खाशेली मुलाखत दिल्ली. म्हजो प्रस्न आयकून पंडितजी हांसले, एक खिन्न हांसो. पूण त्या प्रसंगाविशीं चड कांय उलयले नात. ताणी इतलेंच म्हळें, त्या वेळार इत्सा आसूनय गोंय पळोवंक मेळ्ळें ना . . . आतां गोंय स्वतंत्र जालां. पयली संद घेवन हांव तें पळयतलों.

## पयलें दर्शन

पंडितजींक लागींच्यान पळोवपाची पयल संद म्हाका मेळ्ळी ती १९५६ वर्सा. हांव तेन्ना आकाशवाणीच्या मुंबय केंद्राचेर कोंकणी विभागांत काम करतालों. मुंबय शारांतल्य गोंयकारांचे एके भौशीक सभेंत पंडित नेहरूं भाशण जावपाचें आसलें. तो दीस ५ जून १९५६ सभा गोंयकारांची आशिल्ल्यान भाशणाचो रेकॉर्डींग करपाचें काम कोंकणी विभागाकडे आयिल्लें आनी आकाशवाणीच्या पथकांत म्हजो आसपाव जाल्लो.

सभेक हजारांनी लोक आयिल्लो रेडियोच्या पथकाक व्यासपीठाचे उजवे कुशीक जागो दिल्लो. थारायिल्ल्या वेळाचेर पंडितजी आयले. व्यासपीठाचेर मदींच एक उंच स्टूल दवरिल्लें. सामकार कितलेशेच माय्क. स्टुलाचेर वसून पंडितजी वरभर उलयले. म्हज्या आनी पंडितजीमदीं सुमार २ मीटर अंतर आसलें. त्या दिसा म्हजें एक पोरने सपन पुराय जालें. विसाव्या शेंकडचातल्या एका पुरुषोत्तमाक भारताच्या भाग्यविधात्याक, म्हज्या काळजांतल्या एका दैवताक हांवे लागशिल्ल्यान पळयलें. तांच्या तोंडावयले बदलते हावभाव आनी सादेसोपे भाशेंतल्यान गोंयचो प्रस्न इतिहास, वर्तमान आनी फुडाराच्या संदर्भांत आपल्या भाशणांत पंडितजींनी लोकांक समजायलो. सुरवेक ताणी भारतीय स्वातंत्र्याच्या झुजाचो नियाळ घेतलो आनी पुराय देश स्वतंत्र जालो तरी गोंय परतंत्र उरलां म्हणपाची खंत उकतायली. जोंमेरेन गोंय स्वतंत्र जावचेंन तोमेरेन भारताचें स्वातंत्र्य पूर्ण जालें अशें आमी मानचे नात अशें ताणी निवळ उतरांनी सांगले.

त्यावेळावयल्या पुर्तुगेज राज्यकर्त्यांची मनोवृत्ती, युरोपी आनी अमेरीकी राष्ट्रांचें वसणुकेपणाक मेळटा तो तेंको विस्कटावन

समजावन ताणी दोन गजाली उकतेपणान सांगल्यो. भारतांत ख्रिस्ती धर्म पुर्तुगेजांनी हाडलो हो डॉ. सालाझार हांचो दावो इतिहासाक धरून ना अशें सांगून ताणी म्हळें, खासा पुर्तुगालांत ख्रिस्ती धर्म पावचे आदीं भारतांत तो धर्म आसलो. पुर्तुगाल हो युरोपी संस्कृतीचो प्रतिनिधी कसोच जावंक नज अशें सांगून गोंयची अस्मिताय वेगळी आसली तरी ती विविध रूपांच्या भारतीय संस्कृतिचें सैमीक आंग आसा अशें ताणी म्हळें.

ह्याच भाशणांत पंडितजींनी गोंय स्वतंत्र जाल्या उपरांत भोवभाशी, भोवधर्मी भारतांत गोंयचे संस्कृतीक, भाशीक आनी प्रशासकी वेगळेपण भारत सरकार सांबाळून दवरतलो अशें गोंयकारांक जाहीर उतर दिलें. गोंयच्या प्रस्नाचेर कांय म्हयन्याआदीं आपूण रोमांत पोपाकडेन उलोवणी केली आनी गोंयचो प्रस्न हो धर्मीक न्हय अशें पोपानी आपल्याक सांगलें म्हणपाचें ताणी गोंयकारांक कळीत केलें. भाशणाच्या शेवटाक गोंयकारांच्या सोंशीकपणाची, तांच्या त्यागाची, तांच्या स्वतंत्रतायेच्या झुजाची तोखणाय करून पुर्तुगालाकसावन परत आयिल्ल्या दोन गोंयकार देशभक्तांक ताणी नांवां घेवन येवकार दिलो. श्री. पुरुषोत्तम काकोडकार आनी डॉ. राम हेगडे हे ते दोन देशभक्त ते सभेक हाजीर आसले.

भाशण सोंपले आनी लोकांनी केल्ल्या जयजयकाराक हात उखलून प्रतीसाद दीत पंडितजी गेले. पूण ते उपरांत कितलेशेच दीस हांव एके वेगळेच तंदरेंत उरलों. जिणेंत कांय कृतार्थतेचे खीण येतात. त्या दिसा तसलो एक खीण म्हजे जिणेत आयलो.

## फोटोंत कसो पावलों ?

ते उपरांत रोकडोंच हांव मुंबय सोडून दिल्लीक आचार्य काकासाहेब कालेलकार हांचे 'सान्निधींत' त पावलों. काकासाहेबांचें ऋषीतुल्य व्यक्तिमत्व लागींच्यान पळोवपाची आनी तांकां मेळूंक येतल्या देशविदेशांतल्या व्हडव्हड राजकी, अध्यात्मिक आनी समाजिक फुडाऱ्यांक मेळपाची एक संद तेन्ना म्हाका लाबली. गोंय, गोंयकार आनी कोंकणी भाशेविशीं पूज्य काकासायवांच्या मनांत जो आपलेपणाचो कळवळो आसलो ताका लागून सान्निधींतल्या मेकळ्या वातावरणांत हांव तांच्या खूबूच लागीं पावलों.

जल्मान हांव गोंयकार. इतलेच खातीर म्हाका गोंयचे विशीं आपलेपण दिसतालें. पूण पूज्य काकासायबांकडेन जीं उलोवणी जातालीं तांकां लागून गोंयच्या प्रस्नाची म्हाका सारकी जाणविकाय जावंक पावली आनी गोंयच्या स्वातंत्र्याखातीर हांवेय कितेंय करूंक जाय म्हणपाची भावना बळावली.

पूज्य काकासाहेब तेन्ना राज्यसभेचे वांगडी आसले. संसदेंत ते पंडितजींक वयले वयर मेळटाले. तांचो पंडितजींकडेन पत्रवेवहारय चलतालो. आयिल्लीं पत्रां फायलींत दवरपाचें आनी तांच्यो काकासायबान डिक्टेट केल्ल्यो जापो टायप करून घेवन धाडपाचें काम म्हजेचकडेन आसलें.

दिल्लीक हांव जे सान्निधींत रावतालों ती राजघाटाचेर आसा गांधी जंयतीच्या दिसा सकाळीं आमी गांधी समाधीचेर गेल्ले. हांव समाधी म्हज्यांत पावता म्हणटसर पंडितजी थंय आयले आनी ताणी समाधीचेर फुलां ओंपली. हांव थंयच उबो रावन तांकां पळयतालों. फुलां ओंपून ते पायां पडले आनी समाधीक प्रदक्षणा घालून पांचव्या लॉनाचेर प्रार्थना चलताली थंय वचून बसले. जिवीतांत दुसरे खेपे पंडितजी लागींच्यान पळोवंक मेळिल्ले.

दुसऱ्या दिसा सकाळी फुडें म्हज्या एका

इस्टान म्हाका फोन करून म्हजें अभिनंदन केलें. त्या दिसा दिल्लीच्या वर्तमानपत्रांनी पंडितजी गांधीजींक श्रद्धांजली ओंपतना घेतिल्लो फोटो छापून आयिल्लो. त्या फोटयांत पंडितजींचे कुशीक हांव उबो आसलों. फोन येयसर हांवे वर्तमानपत्रां वाचूंक नासलीं. तीन चार वर्तमानपत्रांनी तो फोटो आयिल्लो. खंयच्याय एका खिणापुरतो हांव पंडितजी म्हण्यांत पाविल्लों आनी त्याच खिणाक फोटोग्राफरान फोटो घेतिल्लो.

फुडें तोच फोटो 'इलस्ट्रेडेड विकली' त छापून आयलो तेन्ना दिल्ली भायर रावतल्या म्हज्या वळखीच्यांक दिसलें, हांव दिल्लीक वचून पंडितजींच्या खूब लागीं पावलों. लोकांची कल्पना पळोवन हांव सुखावलों. पूण तो एक निखटो योगायोग म्हणपाचें दुसरें मन सांगतालें.

एक दीस पू. काकासायबांक पंडितजींचो आपोवणो आयलो. भायर सरच्यावेळार ताणी म्हाका म्हळें, "तूंय यो."

## तीन मूर्ति भवनांत पावल

खोशयेचे उमाळे म्हज्या काळजांत दर्याच्या ल्हारांवरी उंचवळून आयले. तीन मूर्ती भवनांत काकासायबांचो आनी पंडितजींची भेट जाली. गोंयचेविशींच ते उलयले. हांव कुशीक आंग चोरून वशिल्लों. म्हजी पू. काकासायबांनी पंडितजींकडेन वळख करून दिली. नमस्कारांची देवाणघेवाण जाली. पंडितजींनी म्हाका विचारलें, "हांगा दिल्लीक कितें करता ?"

"काकासायबां बांगडा आसता." हांवे संकोचून जाप दिली.

"तें तुजें भाग्य. पूण गोंयचे खातीर कितें करता ?" पंडितजींनी विचारलें.

म्हजेकडेन जाप नासली. हांवे लजेन मान मकल घाली.

त्या दिसा म्हज्या मनाची अवस्था विचित्र जाली. पंडितजी म्हजेकडेन उलयले म्हणपाची धन्यताय भोगतालीच. पूण बंदिवासांत पडिल्ल्या गोंयाखातीर हांव कांय करिना म्हणपाची लज मनात चाळवली.

त्याच दिसा पू. काकासायबांचे कडेन उलोवन तांच्याच आशिर्वादान हांवे दिल्लींत गोवा समाचार केंद्र सुरू केलें. ह्या केंद्राचे वतीन भारतीय फुडाऱ्यांक आनी लोकांक गोंयचे परिस्थितीची खबर दिवप, विदेशी दूतावासांक गोंयकारांचे उमाळे कळीत करप, गोंयचे विशी ल्हान ल्हान पुस्तिका आनी लेख उजवाडावप, गोंयच्या फुडल्या प्रस्नाचेर व्याख्यानां घडोवन हाडप, गोंयांत बंदखणीत आशिल्ल्या देशभक्तांक दिवाळी, नातलांसारक्या परबे दिसांनी दिल्लीच्या नागरिकांचे शुभेच्छा संदेश पावते करप, तांकां भेट म्हणून पुस्तकां धाडप असलीं कामां हें केंद्र करतालें. केंद्राच्या कामाक दिल्लीच्या लोकांचो उत्स्फूर्त तेंको मेळळो आनी त्यावेळार गोंयचो प्रस्न हाताळतल्या परराष्ट्र मंत्रालयाकडेन म्हजो खूब लागीचो संबंद येवंक पावलो.

## गोंयकार बायलेचो चीट

एक दीस परराष्ट्र मंत्रालयाकडच्यान म्हाका पत्र आयलें. गोंयचे एके बायलेन पंडित नेहरूंक मराठींतल्यान बरयिल्लें एक पत्र मंत्रालयान म्हजेकडेन अणकारूंक धाडिल्लें. ते बायलेन पत्रांत एक कागाळ केल्ली. गोंयच्यान मुंबय वतना माजाळीच्या मेटाचेर भारतीय पोलीस खात्यान तिची असभ्य तरेन झडटी घेतिल्ली. एका दादल्यान आपणाक एके कुडींत व्हरून तपासली ही तिची कागाळ आसली. हांवे पत्राचो अणकार करून तें मंत्रालयाक धाडून दिलें.

दुसऱ्या दिसा म्हाका फोन आयलो. फोन

धानमंत्र्यांचे कचेरेंतलो आसलो. त्याच दिसा ांजवेळा चार वरांचेर साऊथ ब्लॉकांत धानमंत्र्याच्या ऑफिसांत म्हाका पंडितजींनी ापयिल्लो. तो फोन येना फुडें म्हजी ावतीकाय 'सुपांतय धरना आनी वल्लींतय रना.' तसले ल्हायेसारकी जाली.

हांव साडेतीनवरांचेरच पंडितजींच्या ॉफिसांत पावलों. तांगेल्या पी. ए. न म्हाका ासोवन घेतलो. विदेशमंत्रालयांत हांव ते आदीं ूब वेळ पाविल्लों. थंयच्या वेटिंगरूमांत अर्दवर सचें पडलें. चार जावंक दोन मिनटां आसतना धानमंत्र्यांचो पी. ए. वेटिंगरूमांत आयलो आनी म्हाका घेवन प्रधानमंत्र्यांच्या चेंबरांत ेलो. चेंबराचें दार पी. ए. न उकतें केलें आनी हांवे भीतर पावल दवरिनाफुडें तें भायल्यान ओडून घेतलें. एका रूंद टेबलाचेर पंडितजी बशिल्ले. माथ्याक तोपी नासली. तांच्यामुखार एक उकती फायल आसली.

दाराच्या आवाजासरशीं ताणी नदर वयर करून म्हाका पळयलो आनी मुखावयल्या कदेलाचेर बसूंक सांगलें. हांव संकोचान आंग चोरून बसलों. म्हजी नदर भारत भाग्यविधात्याक नियाळटाली. पंडितजींनी फायल बंद केली आनी दुसरी फायल लागी ओडली. खिणभर त्या फायलींतल्या कागदांचेर नदर भोंवडावन एक कागद म्हजेमुखार दवरलो.

हांवे तें वाचलें. ते बायलेच्या पत्राचो हांवे केल्लो अणकार त्या कागदाचेर टायप केल्लो. मूळ पत्रय फायलींत आसलें.

"तुवें मूळ पत्र वाचलां ? हो अणकार सारको आसा न्हय ?" पंडितजींनी म्हाका विचारलें.

हांवे "हय" म्हणिनाफुडें पंडितजीचें गोरेंपीठु तोंड तांबडेगूंज जालें. भाराच्या आंगांत अवसर येवंचो तशे ते दिसताले. एक सुस्कार सोडून ताणी विचारलें, "हे बायलेक तूं वळखता ? पत्रांत तिणे आपलो पत्तो बरोबंक ना."

हांव तिका वळखना आसलो. तशें हांवे पंडितजींक सांगले.

"बरे आसा." पंडितजीनी म्हळें, "तूं एक काम कर. आजच माजाळे वच आनी थंय कितें घडटा ताचो म्हाका एक रिपोर्ट दी"

हांव कबूल जालों. म्हजो वेळ सोंपिल्लो. हांव उठून दाराकडेन आयलों. बशिल्ले कडच्यान पंडितजींनी म्हळें, "हें पळय तुज्या खर्चाची वेवस्था कशी जातली ?"

हांवे कांय जाप दिली ना. ताणीच म्हळें, "बरें आसा, चल तूं."

घरा परत येना फुडें हांव दुसऱ्या दिसा सकाळीं मुंबय वचपाची तयारी करूंक लागलो.

सांजेच्या स वरांच्या अदमासाक म्हाका परराष्ट्र मंत्रालयांत फोन आयलो. फोन एस. वेन नांवाच्या संयुक्त सचिवाचो आसलो. ताणे म्हळें, "तूं माजाळे वता खरो पूण सरकारी मनीस म्हणून वचना इतलें मतींत दवर. तुजी वेवस्था तुकाच करची पडटली. तुज्या खर्चाखातीर आमी पयशे धाडल्यात."

फोन दवरून भायर आयलों तेन्ना म्हज्या हातांत एक लाखाटो पडलो. लाखाटयांत श्री. सेन हाणी फोनावयल्यान केल्ली सुचोवणी बरयिल्ली आनी शंवराच्यो धा नोटी आसल्यो.

पंडितजी सारक्या व्हड मनशाक एक म्हजेसारकिल्या ल्हान मनशाचो अडचण वळखूपाची नदर आसा म्हणपाचो दिश्टावो त्या खिणाक म्हाका जालो.

हांव माजाळे वचून आठ दीस रावलों. आंगडी गांवांत त्या वेळार श्री. रामभाऊ काकोडकार आनी श्री मोहन कारापूरकार आश्रम चलयताले. तांचो म्हाका खूब आदार मेळ्ळो आनी म्हजो रिपोर्ट जेन्ना परराष्ट्र

मंत्रालयाक धाडलो तेन्ना सरकारान चार दिसांभीतर आगळीकांचे आरोप आशिल्ल्या अधिकाऱ्यांच्यो बदल्यो करून चवकशी सुरू केली.

ते उपरांत पंडितजींक खूबशे फावटीं मेळपाची संद म्हाका मेळ्ळी. सरकारी अधिकाऱ्याचेर चड पातयेवन रावना आसतना विधायक कार्य करतल्या सामान्य कार्यकर्त्यांक ते कितले मानताले ताचो अणभव हांवे घेतलो.

**एक वेगळो अणभव**

एका प्रसंगाचो म्हाका घट उगडास आसा. एक दीस सकाळीं आठ वरांचेर पंडितजीकडेन म्हजी भेट थरिल्ली. पूण आदल्या दिसा इंग्लंडच्या पॅसिफिस्ट चळवळीचे फुडारी श्री. होरेस ॲलेक्झांडर हे कराचीचे वाटेन दिलीक पावले. (आयच्या वर्तमानपत्रांत श्री. ॲलेक्झांडर हांका पिरायेच्या शंबराव्या वर्सा मरण आयले म्हणपाची खबर वाचली.) तांकांय पंडितजींनी त्या दिसा आठाचो वेळ दिल्लो. णव वरांचेर पंडीतजी तांका मेळूंक वा तांचें दर्शन घेवंक आयिल्ल्या लोकांकडेन वतात हे हांव जाणा आसलों पावणे आठ वरांचेर हांव तीन मूर्ती भवनांत पावलों. ताचे सेक्रेटरीन म्हाका वसोवन घेतलो आनी म्हळें, "आयचो तुजो अपाँइंटमेंट रद्द जातलो असो दिसता."

आनी ताणे होरेस ॲलेक्झांडर आयिल्ल्याची खबर म्हाका सांगली. हांव वचूंक उठलों तेन्ना ताणे म्हाका बसयलें आनी म्हळें, "तूं राव अपाँइंटमेंट रद्द करूंक प्रधानमंत्र्यांनी अजून सांगूंक ना.'

हांव रावलों. ती मुलाखत रद्द जाल्ली जाल्यार म्हाका शीणपाक कारण नासलें. पूण आठ वरांक पांच मिनटां आसतना पंडितजींनी म्हाका भितर आपोवन घेतलें आनी सांगलें, "तुजें दुसरें कितेंय काम आसल्यार फुडले खेपे उलोवया. पूण तूं राव. होरेस ॲलेक्झांडर हांकां गोंयची खबर सांग."

दुसऱ्याच मिनटाक होरेस ॲलेक्झांडर आयले. तांकां घेवन ते जेवणाच्या मेजार वचून बसले. म्हाकाय एका कदेलार वसयलो आनी सकाळची कॉफी घेतना त्या दिसा गोंयचे परिस्थिती विशीं पंडितजी तांचेकडेन उलयले. तांची भेट कामाखातीर नासली, पूण म्हाकां वेळ दिवन हांव आयलां इतलेचखातीर पंडितजीनी म्हाका त्या दिसा तांच्या सांगातान बसपाचो मान दिलो.

**आत्मकथेची प्रत**

आनीक एका प्रसंगाचो म्हाका उगडास जाता. गोवा समाचार केंद्राचेवतीन डॉ. राजाराम केळेकार हाणी पुर्तुगेज भाशंत केल्लो श्रीपद् भगवत गीतेचो अणकार ब्राझीलाक धाडपाची एक येवजण आमी आंखिल्ली. त्या दिसांनी ब्राझीलचो एक पत्रकार दिल्लीक आयिल्लो, पंडितजींक तो मेळूंक गेलो तेन्ना म्हाकाय आपयिल्लो. हांवे गीतेचें पुस्तक पंडितजींच्या हातांत दिलें आनी त्या पत्रकाराक दिवंक सांगलें.

त्या दिसा पंडितजींनी म्हळें, "पुर्तुगेज संवसाराक भारताची वळख दिवचे खातीर कांय वेंचीक पुस्तकांचे पुर्तुगेज अणकार उजवाडावपाची कल्पना वायटशी न्हय."

तें सूत्र धरून हांवे पंडितजीकडेन तांगेल्या पुस्तकांचो — आत्मकथा, डिस्कव्हरी ऑफ इंडिया आनी त्याच दिसांनी पंडितजीनी दिल्लीत दोन दीस दिल्ल्या एका व्याख्यानाचें पुस्तक (इंडिया टुडे ॲण्ड टुमॉरो) पुर्तुगेजींत अणकारून उजवाडावपाखातीर तांची परवानगी मागली. हांवे म्हळें, "जमल्यार ही पुस्तकां हांव कोंकणीतय हाडूंक सोदता."

व्हड खोशयेन परवानगी दितना पंडितजींनी आपले इंग्लीश आत्मकथेचें एक

स्तक घेतलें आनी ताजेर आपली सय करून हाका दिलें.

त्या दिसांनो डॉ. राजेंद्रप्रसाद हाणी आपली आत्मकथा आनी डॉ. सर्वपल्ली राधाकृष्णन हाणी कांय पुस्तकां अशीच स्वाक्षरी करून दिली, अजून तीं पुस्तकां म्हज्या संग्रहातले भोवमोलादीक ग्रंथ जावन आसात.

ह्या पुस्तकांमदले 'इंडिया टुडे ॲण्ड टुमॉरो' हें एकच पुस्तक अणकारून आमी उजवाडायलें 'गोंयचे हिंदू आनी पुर्तुगेज प्रजासत्ताक' हचा नांवाच्या एका पुर्तुगेज पुस्तकाचो इंग्लीश अणकारय आमी त्यादिसांनी तयार केलो. हेर पुस्तकांचें काम सुरू जावचें आदींच गोंय स्वतंत्र जालें आनी गोवा समाचार केंद्र बंद करून हांव गोंयांत आयलो.

**जावंक नाशिल्लो सत्याग्रह**

गोंयकारांविशीं जवाहरलालजींक जो एक कळवळो आसलो ताचो फायदो खूब गोंयकार घेताले. आऱ्यापयऱ्यान एकाद्रो गोंयकार फुडारी तांकां मेळटालो. एकाद्रें निवेदन तांच्या हातांत दितालो आनी पंडितजी सांगतान फोटे घेवन सांजचे पत्रकार परिशद घेताले आनी त्या फोटयाक आनी निवेदनाक प्रसिद्धी दिताले. खूबशे फावटीं असलीं निवेदना पंडितजींनी वाचचे पयलींच वर्तमानपत्रांनी छापून येतालीं आनी सरकार अडचणींत येतालो.

गोंयांत गेल्ल्या निःशस्त्र सत्याग्रहीचेर फार मारून तांकां पुर्तुगेज पोलीसांनी जिवानिशीं मारिल्ल्याचे खबरेन भारतभर आकांत पातळिल्लो. कितें करचें हें सरकाराक समजना आसलें. पूण निःशस्त्र देशभक्त पुर्तुगेज आर्मान, भकीक पडचे न्हय अशें येवजून भारत सरकारान सत्याग्रहीनी गोंयांत वचूंक बंदी घाली. अशा वेळार एक गोंयकार फुडारी सकाळचो दर्शना वेळार पंडितजींक मेळ्ळो आनी एक निवेदन तांच्या हातात दिलें. प्रधानमंत्र्यांसांगातान ताणे आपलो एक फोटोय काडून घेतलो आनी सांजची एक पत्रकार परिशद घेवन तें निवेदन उजवाडायलें. निवेदनांत अशें म्हणिल्लें, पांच हजार सत्याग्रही गोंयांत वचूंक तयार आसात तांका प्रधानमंत्र्यांनी परवानगी दिवंची.

दुसऱ्या दिसा दिल्लीच्या पेपरांनी फोटयासयत ती वातमी छापून आयली. ती वाचून पंडितजींक अजाप जालें ही फकाणां सदाखातीर बंद करचीं अशें येवजून पंडितजींनी विदेशमंत्रालयाक ताका आपोवन घेवंक फर्मायले. तो खंय रावता हें कोणाक खबर नासलें मंत्रालयान ताका सोदून काडपाचें काम म्हजेर सोपयलें. पूण दिल्लीक ताका खंय सोदपाचो ?

एका हॉटेलांत पन्नास साठ गोंयकार काम करताले आनी हॉटेला फाटल्या क्वार्टर्सांत ते रावताले हें हांव जाणा आसलों. हांव थंय गेलों तेन्ना तो फुडारी त्याच हॉटेलांत रावता म्हणपाचें म्हाका कळ्ळें. ताका घेवन हांव परराष्ट्र मंत्रालयांत गेलों. त्या दिसांनो श्री. एम. जे. देसाय हे विदेशसचीव आसले. ते ह्या फुडाऱ्याक घेवन पंडितजीसरीं गेले. पंडितजींनी ताका विचारलें, "पेपरांत जें छापून आयलां तें खरें ?"

"हय." ताणे जाप दिली.

"पांच हजार सत्याग्रही तयार आसात ?" पंडितजींचो दुसरो प्रस्न.

"हय."

"गंभीरपणान हें तूं सांगता ?" पंडितजींनी विचारले.

फुडारी पेंचात पडलो. ना कशें म्हणटलो ?

"तशें जाल्यार तूं तुगेले सत्याग्रही घेवन गोंयांत वच" पंडितजींनी सांगले.

तकली हालोवन फुडारी उलली आनी तो परत केन्ना दिल्लीक गेलोच ना वा तागेलो तो सत्याग्रह घडूनय आयलो ना.

भारत सरकाराच्या धोरणाचें भांडवल करून लटकी प्रसिद्धी घेवंक सोदतल्या फुडाऱ्याचो पंडितजीनी केल्लो तो बंदोबस्त खऱ्यांनीच तोखणायेचो. हे एके घडणुके वयल्यान पंडितजी गोंयच्या फुडाऱ्यांक कितले वळखल्ले म्हणाचें दिसून येता.

पूण असल्यो घडणुको घडल्यो तरी गोंयकारांविशीचें तांचें आपलेपण उणे जालें ना.

**कोंकणीचो अध्यक्ष**

फ्रँक मोरायश हे तेन्ना इंडियन एक्सप्रेसचे मुख्य संपादक आसले. ते दिल्लीकच रावताले एक दीस ते पंडितजींक मेळूंक गेल्ल्यावेळार ताणी तांका विचारलें,

"तुमी गोंयकार मूं, तुमची आवयभास खंयची ?"

"कोंकणी" श्री. मोरायश हाणी जाप दिली.

ही गजाल दुसऱ्या एका संदर्भात (गोंय स्वतंत्र जावन गोंयांत कोंकणी मराठीचो वाद चलतालो त्या वेळार) पंडितजींनी म्हाका सांगली आनी म्हळें, "जी भास फ्रँक मोराइस सारक्या विचारवंताची आवयभास आसा ती हेंगाडी वा अविकसीत कशी आसतली ?"

पंडित नेहरू कोंकणी भाशेचो पांखो घेताले ताचे फाटल्यान कुडें समर्थन नासलें वा राजकारणय नासलें. देशांत जे ल्हान उपेक्षीत आसात तांचेविशीं तांकां आपलेपण दिसतालें. गोंयाक संघप्रदेशाचो दर्जो दिवपाखातीर जेन्ना ताणी संसदेंत विधेयक मांडलें तेन्ना महाराष्ट्रांतल्या खासदारांनी चड करून बॅरिस्टर नाथ पै हाणी विधेयकाक विरोध करता आसतना गोंय महाराष्ट्रांत विलीन करचें कित्याक तर कोंकणी ही मराठीची बोली आनी सगळ्या नदरांनी गोंय हो महाराष्ट्राचो भाग अशें सांगले. इतलेंच न्हय तर कोंकणी ही मराठीची बोली म्हणपाचें सिद्ध करपाखातीर कांय शास्त्रज्ञांचींय मतां वाचून दाखयलीं.

त्या दिसा म्हाका परराष्ट्र मंत्रालयांतल्यान एक फोन आयलो. कोंकणीविशींचीं पुस्तकां पंडितजींक जाय आसलीं म्हजेकडेन त्या वेळार दोनच पुस्तकां आसली. तातूंतलें एक डॉ. एस. एम. कत्रे हांचें 'द. फॉर्मेशन कोंकणी' हें पुस्तक आसलें. हांवे तीं पुस्तकां धाडून दिलीं.

दुसऱ्या दिसा संसदेंत पंडितजींनी कोंकणीचो पांखो घेवन एक इतिहासीक भाशण केलें. ताणी दुसऱ्या तज्ञांची मतां दिवन म्हळें, "कोंकणी भास कांय पोटभास हे विशीं तज्ञांमदीं मतभेद आसले तरी भारत सरकार कोंकणी ही एक स्वतंत्र भास मानता."

दोन दिसांनी म्हजीं पुस्तकां परत आयलीं. डॉ. कत्रेच्या पुस्तकांत तांबड्या पेन्सिलीच्यो खूबशो खुणो आसल्यो. म्हाका कोणेतरी सांगले, ह्यो खुणो खासा पंडितजींनी केल्ल्यो, आपले भाशण तयार करचें आदीं ताणी ते पुस्तक वाचिल्लें.

कोंकणी भाशेक तोवेर आचार्य काकासाहेब कालेलकार आनी डॉ. राम मनोहर लोहिया सोडले जाल्यार खंयच्याच दुसऱ्या तोलामोलाच्या राष्ट्रीय फुडाऱ्यान उकतेपणान तेंको दिवंक नासलो. पंडित जवाहरल ल नेंहरूंनी अभ्यास करून दिल्लो तेंको हो कोंकणीच्या बऱ्या फुडाराखातीर एका पुण्यवंतान दिल्लो आशिर्वाद अशें म्हाका दिसलें बगर रावलें ना.

आनीक एक प्रसंग सादो आनी तशें पळोवंक गेल्यार ताचो गोंयाकडलो संबंद अप्रत्यक्ष. चित्रकार लक्ष्मण पै हाणी 'आलियांस फ्रांसे' च्या सभाघरांत गोंयचे जिणेवयल्या

आपल्या चित्रांचे एक प्रदर्शन घडोवन हाडिल्लें. त्या चित्रांमदीं जवाहरलाल नेहरूंचे एक चित्र आसलें. मॉडर्न आर्टचें ते चित्र. तातूंत नेहरूंची तकली वयर उकती करून तातूंत सवणीं बी दाखयिल्लीं. प्रदर्शन दोन तीन दीस चल्लें. गोंयचे जिणेवयल्या त्या चित्रांची खबर पेपरांनी छापून आयिल्ली. एक दीस अचकीत खासा पंडित नेहरू प्रदर्शन पळोवंक आयले आनी खुशाल भरोत जावन गेले.

उपरांत हांवे लक्ष्मण पैक विचारलें, "तुमची गोंयचे वयली चित्रां वरीं आसात. पूण आपलें चित्र पळोवन जवाहरलालजींक कितें दिसलें ?"

"तें तर तांकां खूबच मानवलें." चित्रकारान जाप दिली.

कामांतल्या व्यापांतल्यानय एका गोंयकार चित्रकाराचीं चित्रां पळोवन ते आपोवणे नासतना गेले हाजेवयल्यानय तांचो गोंयचे वयलो मोग उकतो जाता.

## गोंयकारांची कार्यावळ

गोंयकारांविशी जवाहरलालजींक जें अगत्य दिसतालें ताची कल्पना दितलो जाल्यार कितलेशेच प्रसंग सांगपासारके आसात. गोंयचे जेष्ठ स्वातंत्र सैनिक श्री. पुरुषोत्तम काकोडकार दिल्लीक गेल्ले खेपे पंडितजी तांकां आपल्या घराकडेन दवरून घेताले. तशें करपाफाटल्यान एका त्यागी गोंयकाराचो भोवमान करपाची नदर आसलीच पूण ते भायर आपल्या राष्ट्रीय आनी अंतरराष्ट्रीय कामाच्या व्यापांतल्यान फुरसद मेळटा तेन्ना गोंयचे विशीं तांचेकडेन उलोवणी करचीं होय हेतू आसतालो. पूण सामान्य गोंयकाराक लेगीत ते तितलीच अगत्याची वागणूक दिताले एके खेपे दिल्लींतल्या हॉटेलांनी काम करतल्या गोंयकारांची एक कार्यावळ आसली. पंचकुआ रोडवेर तांचे एक असोसिएशन आसलें आनी थंय ते नाच, गितां, तियात्र सारकील्यो कार्यावळी करताले. एक खेपे ताणी पंडिजींक आमंत्रण दिलें. आपूण पांच मिनटांखातीर येवन वतां अशें पंडितजींनी तांकां उतर दिलें. त्या दिसा कसली गरजेची वसका चलताली. थंयच पंडितजींक दिल्ल्या उतराचो उगडास जालो आपल्यावांगडा तेन्नाचे लोकसभापती श्री. अनंतशयनम् अंयगार हांकाय घेवन पंडितजी ते कार्यावळीक आयले. एका उकत्या शामियानांत सुमार देडशें गोंयकार जमिल्ले. थयच तियात्र जावपाचो आसलो. पंडितजींनी तियात्राक रावचें असो तांचो आग्रो जालो. पूण हांव जाणा आसलों, त्या तियात्रांत बायलांची कामांलेगीत दादलेच करताले आनी ते करपी लोक कसबी कलाकार नासले, ताचो कथाय किरकोळ आसताली आनी सगळो भर कातरांचेर आमलो. देखून म्हाका पंडितजी राविल्ले नाका आसले.

परत जेन्ना रावपाचो आग्रो जालो तेन्ना ताणी आदीं श्री. अय्यंगार हांच्या तोंडाकडेन पळयलें. तांच्या तोंडावयल्यान पंडितजीक घेवन तांकां बेगीन परतुपाची ताकीद आसा म्हणपाचें दिसतालें. हांवे म्हळें, "तुमी आयले हे व्हड उपकार जाले. तुमचो मोलादीक वेळ चड मागप अन्यायाचें जातलें." हांसून पंडितजी उठले आनी वचूंक गेले. जमिल्ले लोक निराश जाले पूण हांवे सुटकेचो उस्वास सोडलो.

## एक इतिहासीक खीण

आनीक एका इतिहासीक दिसाचो प्रसंग आसा. अठरा डिसेंबर १९६१ हो दीस. सकाळच्या पेपरांनी भारतीय मुक्तीसेना गोंयांत भितर सरली अशी खबर आसलीं. आकांताचें शीं आनी धुकें पडिल्लें. तरी सकाळीं णव वरां मेरेन सन्निधींत शेंकडयांनी लोक जमले. चडशे गोंयकार. पूण हेरय लोक आयिल्ले. आमचे

सोशयेट खनखनतो आयिल्लो, आमचे उमाळे उलोवन आमचें समाधान जायना आसलें. सूवशा जाणांनी मिठाई हाडिल्ली. सान्निध्यींतल्यां लोकांनी सगळ्यांक कॉफी दिली.

मदींच कोणेतरी म्हळें, 'खरें म्हळचार आमी गोंयकारांनी पंडितजींक मेळून सगळ्या गोंयकारांचे वतीन तांचे उपकार मानूंक जाय."

कल्पना सगळ्यांकच मानवली हांवे पंडितजींच्या घराकडेन फोन केलो सेक्रेटरीन एक मिनिट फोन धरून राव अशें सांगलें आनी दुसऱ्यान्त्र खिणाक आमकां सगळ्यांक रोखड्या रोखडे तीन मूर्ती भवनांत येवंक फर्मायले.

कोणेतरी धांवत वचून फुलांचो हार हाडलो आनी आमी आशिल्ले तशेच तीन मूर्ती भवनांत पावले. आमी सुमार पन्नास गोंयकार आसले.

डिसेंबरांतल्या भांगराच्या वताची ऊब घेत आमी तीन मूर्ती भवनाच्या लॉनाचेर उबे राविल्ले. पंडितजी थंय आयले. आमच्या फुलांचो स्विकार केलो. आनी म्हळें, "खरें म्हळचार हांवच तुमकां आनी तुमचे वरवीं समस्त गोंयकारांक परबी दिवंक सोदतां मुबारक हो आज का दिन!"

ते उलोवपाचे मन: स्थितींत नासले आनी तांकां ताकीदय आसलीं तरी आमच्या सांगातान ताणी एक फोटो काडलो.

ते परत वचूंक वतात इतले म्हणसर म्हाका दिसलें हो इतिहासिक खीण इतले सादे तरेन सोंपूक फावना. हांवे म्हळें, "आमकां गोंयकाराक तुमचो संदेश जाय."

खीणभर म्हजेकडेन नदर रोखून पंडितजीनी म्हळें, "काम तो पुरा होने दो! ..." आनी ते वचूंक गेले.

**गोंयकारांक संदेश**

दुसऱ्या दिसा गोंय स्वतंत्र जालें. सत्तांतर घडून आयिल्लें. सांजच्या वेळार पंडितजींनी एक पत्र म्हाका धाडलें. त्या पत्रांत ताणी वरयिल्लें, "गोंय स्वतंत्र जालें हाजी म्हाका कितली खोस भोगता हें हांवे तुका सांगूक जाय अशें ना. आजमेरेन गोंय भायर आशिल्ल्यान भारताचें स्वातंत्र्य अपूर्ण आसलें आतां पैसाविल्लें गोंय मांयभूंयेचे कुशींत पावलां. आनी भारताचें स्वातंत्र्य पूर्ण जालां."

स्वातंत्र्य हो एक व्हड आशिर्वाद आसता. पूण ताच्या वांगडा जापसालदारक्योय येतात. ह्यो जापसालदारक्यो वळखून गोंयकार आपले मदलीं किजिलां सोंपयतले आनी एकचारान गोंयचे आनी भारताचे उदरगतीखातीर वावुरतले असो म्हाका भरवंसो आसा."

त्या पत्राइतलीं अप्रूप वस्त म्हज्या संग्रहांत दुसरी ना.

गोंय स्वतंत्र जाल्या उपरांत लेगीत पंडितजीचो गोंयाविशींचो कळवळो उणो जालो ना. स्वतंत्र गोंयात भाशेच्या नांवान वाद चलूंक लागले आनी त्या वादाफाटल्यान गोंय महाराष्ट्रांत विलीन करपाचें राजकारण आसा म्हणपाचें पळोवन पंडित नेहरू खूबच खंती जाले. संद मेळत तेन्ना आनी त्या मनशाकडेन ताणी गोंयचे विशींचें आपले धोरण परत परत विसकटावन सांगलें. त्या दिसांनी ताणी ज्यांका ज्यांका पत्रां बरयलीं तांकां सगळ्यांक एक गजाल भर दिवन सांगली, इतिहासान आनी भूगोलान गोंयची वेगळी अस्मिताय केळयल्या. व्हड राज्यांत लहानशें गोंय घालें जाल्यार ती अस्मिताय विरगळून वतली. भारत सरकार केदेय व्हडलें मोल दिवन ती सांबाळटलो. खासा गोंयकारामदले कांय जाण अविचारीपणान गोंयचें विलीनीकरण मागतात, कोंकणी आपली भास न्हय म्हणटात हाजें तांकां अजाप जातालें. संघप्रदेशाच्या दर्जांत गोंयाक स्वराज्याचे

अधिकार मेळटले. उदरगतीखातीर आर्थिक पालव मेळटलो, गोंयकारांनी राजकी फुडार थारावचेली ताकीद करची न्हय, आपली उदरगत करची आनी सवकसायेन फुडाराचो निर्णय घेवंचो. पूण लोकशायेवयली तांगेली निश्ठा इतली जबरदस्त, गोंयचो फुडार फकत गोंयकारांनीच थारावचेलो. आनी तशी संद गोंयकारांक दितले हें मात ताणी सदांच सांगलें. गोंयाक जो १९६७ वर्सा ओपीनियन पोल मळळो तो पंडितजींच्या ह्या आश्वासनाखातीरच इतलें आमी विसरूंक फावना.

१९६३ वर्सा मे म्हयन्यात पंडित नेहरू तीन दीस गोंयचे भेटेर आयले आनी गोंयकारांनी आपलें काळीज तांकां ओंपलें. हे भेटेंत ताणी आपलें आदलेंच धोरण भर दिवन लोकांमुखार मांडले.

## कोंकणीविशीं कळवळो

त्याच अदमासाक कोंकणीच्या फुडाराविशीं एक खेपे तांचेकडेन उलोवपाची म्हाका संद मेळ्ळी. तेन्ना पंडितजींनी म्हाका आयसलँडीक भाशेची खबर सांगली आनी म्हळें, "कितले लोक एकाद्री भास उलयतात हाजेवयल्यान तो भास ल्हान वा व्हड थारना. ती भास उलोवपी लोक केदया तोलामोलाचे ते भाशेंतले साहित्य कितलें मोलादीक हाचेवयल्यान भाशेचें व्हडपण थारता. इंग्लन्ड आनी अमेरिका हांचेमदीं आयसलँड नांवाचो एक ल्हानसो जुंवो आसा. थंय सुमार तीन लाखांची वस्ती थंयची भास आयसलँडीक. ते भाशेंतल्या साहित्याक नोबेल इनाम लेगीत मेळूंक पावलां कोंकणी भास उलयतल्यांनी सगळ्या मळाचेर व्हडवीक जोडल्या. पूण राजकी कारणाखातीर ती फाटीं उरल्या. एके फावटी तिचो, साहित्यिक कस वाडलो म्हणटकच घटनेचे आठवे वळेरेंत तिचो आसपाव करपाचो विचार करूं येता.

पंडितजींची कोंकणी वयली भूमिका बदलले बगर विलोनीकरण वादाक फुडार ना म्हणपाचें विलोनीकरण वादयांक समजलें. तेन्ना ताणी पंडितजीकडेन गोंयच्या मराठीवादयांचें एक शिष्टमंडळ धाडलें

शिष्टमंडळाक बसोवन घेवन पंडितजींनी विचारलें, "तुमचें म्हणणे कितें ?"

"कोंकणी आमची भास न्हय." शिष्टमंडळाच्या फुडाऱ्यांन एका वाक्यांत सगळो प्रस्न मांडपाच्या इराद्यान जाप दिली.

"तुमचो भास खंयची तर ?

"मराठी." सगळ्यांनी एका आवाजांत जाप दिली.

"वेस बरी गजाल." पंडितजींनी थंडसाणेन म्हळें, "मराठी ही एक समृद्ध आनी फुडारलेली भास. ते भाशेक ह्या देशांत वरो मान आनी स्थान आसा तुमी गोंयांत रावतात मूं ? तुमी खुशाल मराठीचो वापर चालू दवरात."

"पूण आमकां कोंकणी नाका." कोणेतरी मदींच म्हळें.

"कांय पर्वा ना. तुमचे मराठीक कोण विरोध करचो ना. पूण ज्यांची भास कोंकणी आसत तांकां तुमी विरोध करूं नाकात."

"कोंकणी ही भासच न्हय" दुसऱ्यान फोण्ण फोडलें.

"ताचो हुस्को तुमी कित्याक करतात ? तुमी तुमचे भाशेची सेवा चालू दवरात." पंडितजींनी तांकां सांगले.

मुलाखत सोंपली. शिष्टमंडळ परत आयलें.

त्या शिष्टमंडळाविशीं मागीर म्हजेकडेन उलयतना म्हळें, "अजीव हैं ये गोवा के लोग ..."

भारतांतल्या सादार भागांतले आनी भासांचे लोक आपले सरीं येतात आनी आपली भास वयर काडपाखातीर सोंपेपणा मागतात.

पूण गोंयकारांची जात विचित्रच. ते जी भास आपली न्हय ती आपली म्हणटात आनी कोंकणी ही आपली भास न्हय हे सांगूकच वेळ वगडायतात. तांचो ही वृत्ती पळोवनच पंडितजींनी अजीब हैं ये गोवा के लोग म्हणिल्ले.

ही खबर हांवे कोंकणी साहित्य परिशदेचे वसकेंत सांगली आनी तेन्नाच्यान पंडितजींचे ते वाक्य सगळेच वापरूंक लागले

यादींचे पेळे उस्तूंक वसतकच कितलेशोच उगडासाच्या तळाक वशिल्ल्यो यादी तकली वयर काडूंक लागतात. एक एक याद म्हळचार पंडितजीच्या व्यक्तीमत्वाचें, तांचे विचारसरणीचें, कार्यपद्धतीचें एक वेगळें तास.

गोंय स्वतंत्र जालें तेन्ना हांगा लस्कराचे जवान मेकळेपणान भोंवताले एका जवानान एके वायलेकडेन आगळीक केली. कोणेतरी टायम्स ऑफ इंडियांत ते विशीं एक पत्र उजवाडायलें. तें पत्र वाचिनाफुडें पंडितजी तापले आनी ताणी गोंय प्रशासनाक आदेश धाडलो कीं लस्कर गांवापसून पयस व्हरात आनी लस्करी आस्थापना बंद करात. 'डिझमेंटल मिलीटरी बॅरेक्स इन द पॉप्युलेटेड एरियास' अशें उतर ताणी त्या आदेशांत वापरिल्लें. लस्कर कुशीक गेलें पूण पुर्तुगजाच्या काळार बांदिल्ली बॅरॅकां आमलीं. पंडितजींच्या आदेशाक पाळो दिवपाखातीर गोंय प्रशासनान तीं सगळीं मोडून उडयलीं. पंडितजीच्या आदेशाचो हेतू तांकां समजूक नासलो कोणेतरी मागीर त्या आदेशाचो खरेलो अर्थ सांगलो. पूण ते आदींच खूबशीं बॅरेकां भूयसपाट जाल्लीं.

आनीक एका प्रसंगाचो उगडास जाता. मडगांवच्या आगाखान (भुरग्यांच्या) उद्यानांत एक हॉटेल बांदपाची येवजण घडली. आनी एका स्वातंत्र्य सैनिकान ताका विरोध करूंक उपास सुरू केलो. आपूण उपासक वसलां म्हणपाचो ताणी पंडितजींक तार धाडली. त दिसांनी हांव दिल्लीक पाविल्लों. पंडितजीं तार दाखोवन म्हाका विचारलें, "ही खब खरी ?"

"तो व्हडलो गंभीर प्रस्न न्हय आन उपासाक वशिल्ल्या मनशाची गंभीरपणा दखल घेवपाचें कारण ना" अशें हांव उलोव गेलो.

म्हजी जाप आयकून पंडितजींनी मेजा हात मारलो आनी म्हळें, "तो कसो हें हां तुका विचारूंक ना खबर खरी कांय फट इतलें विचाल्लां."

ती खबर खरी अशें कळना फु पंडितजींनी हॉटेलाचें बांदकाम बंद करपाचे आदेश दिलो

१९६३ वर्सा गोंयची भेट सोंपोवन वतकच गोंयची कसली प्रतिमा तांच्या मनाचे उदेल्या असो प्रस्न हांवे तांकां विचाल्लो.

"लाल मिट्टी . . . हरा मन" एक कवीसारकी ताणी जाप दिली.

पंडितजीचे गोंयचेविशींचे विचार आनी उमाळे तांच्या उलोवपांतल्यान बेस बरे व्यक्त जाल्यात. गंगेकडेन वचून पोसोभर तीर्थ हाडचे तसले हे तांचे विशींचे म्हजे उगडास.

तांचे नांव घेतां तेन्ना तेन्ना हे उगडास जा जातात आनी म्हजें मन तांच्या व्यक्तीमत्वाची हिमशिखरांकडेन तुळा करतात अशी तुळां हांव कित्याक करतां काय ?

भारतीय जनमानसांत हिमालयाक जे स्थान आसा तेंच तांचे हयातींत पंडित नेहरूंक आसलें अशें म्हळचार आतिताय जावंची ना. पाश्चात्य संस्कृतींत वाडिल्लो एक भारतीय तरनाटो परंपरा आनी परिवर्तनाच्या संदर्भात वावुरतना आपलो मूळ पींड कसो सांवाळटा आनी ह्या देसाचेर इतलो उपाट मोग करता

: तो देशायेदचा व्हड व्यक्तीमत्वाचो जाता. ा काळांत पंडित नेहरू वावुरले त्या काळांत ळचार विसाव्या शेंकडयांत ह्या देशांत ळबांतल्या तेजिश्ट ताऱ्यांसारके एकापरस एक ग्गज जावन गेले जाणी समाजकारण, जकारण, धर्म, अध्यात्म, साहित्य, संगीत, ला, विज्ञान . . . जिणेच्या दर एका मळाचेर ापल्या कर्तृत्वान, तेजीश्ट बुद्धीन, त्यागी वृत्तीन ानी सेवेवरवीं इतिहास घडयलो. अशा काळार का परतंत्र देशांत पंडित नेहरूंक जी ोकप्रियता मेळ्ळी ती भारताच्या लांब तिहासांत श्रीकृष्णा उपरांत दुसऱ्या कोणाकय ळिल्ली नासतली.

आमी एका व्हड कार्याक वेंग मारून बसले. धन शुचितेचो आग्रो धरून एका ध्यासान ेष्ठ त्याग करूंक तयार जाले. देखूनच आमकां ्हडपण मेळ्ळें." अशें खासा पंडितजींनी एका त्रेपेक सांगिल्लें. भारत परतंत्र आसतना आनी स्वतंत्र जाले उपरांत लेगीत भारतीय प्रजेच्या काळजाच्या शिवासनाचेर पंडित नेहरूंची सुवात अढळ उरली. महात्मा गांधी हे आपले गुरू अशें पंडितजी मानताले. भारतीय मनशाक गांधी विशीं भक्ति आनी आदर आसलो. पूण तांकां सुवात काळजाचे गर्भकुडींत दवरली. काळजाचें शिवासन ताणी नेहरूंकच ओंपलें.

आनीकय एका कारणाखातीर म्हाका पंडित नेहरूंची तुळा हिमशिखरांकडेन करची अशें दिसता. संकुचितपणापसून वयर वचून ते एक प्रसन्न निर्मळ आनी पवित्र अशें व्यक्तीमत्व केळोवंक पाविल्ले. तांचें व्यक्तीमत्व हिमशिखरांइतलेंच आनी चकचकीत आसलें. अशें आमूनय देशांतल्या ल्हान व्हड मनशाचेर, ताच्या प्रस्नांचेर तांची अखंड नदर उरताली आनी तांचो उजळ फुडार घडोवपाचो हावेस तांच्या मनांत सदांकाळ आसतालो.

**


# CO-OPERATIVE MOVEMENT

Has served the weaker sections of the community mainly through :-

1. Reorganised primary Agricultural Credit Societies
2. Consumers Co-operatives
3. Dairy Co-operatives
4. Housing Co-operatives

For economical upliftment by effective service, stabilization of prices of consumer goods of daily use, for boosting production of milk and for easing the acute housing problems.

" Co-peratives art for the service of the people '

For further details please contact
ZONAL ASSTT. REGISTRAR, CO-OPERATIVE SOCIETIES, AT PANAJI, MARGAO, MAPUSA, AND PONDA OR HEAD OFFICE AT PANAJI.

*Issued by* :- **Registrar of Co-opratived Societies**
PANAJI-GOA.

# INSTITUTE OF PUBLIC ASSISTANCE

## (Provedoria da Assistencia Publica)

**Panaji - Goa.**

The most popular lottery today, which is 4 decades old is sold everywhere.

It offers more prizes than any other lottery. The drawing of the lottery is the most unique feature. You have got to see it to believe it.

Get a Goa Lottery ticket. The good fortune may be yours. Remember that every ticket you buy goes towards a good cause.

The Goa Lottery run by the provedoria helps to meet the various social welfare schemes like assistance to poor families and individuals, Immediate Relief to victims of fire, flood and other calamities, to the disabled persons, for family plaining, financial assistance to poor students, for running of its homes for the aged orphans in Goa.

It's your generosity that counts. Give a hand to the Provedoria.

**Buy a ticket - Help the poor win a prize.**

# तालक

तालक होम्स अॅन्ड इस्टेट्स

तालक अॅन्ड एसोसिएट्स

रामराज इंटरप्रायजीस

आर. आर. कन्स्ट्रक्शन

आशियाना

कोंब - मडगांव - गोंय

फोन : २०६७५

# साहित्य अकादेमी

## कोंकणी उजवाडावपां

| | | |
|---|---|---|
| कोंकणी काव्य संग्रह | संपादक : डा. भ. बोरकर | 45/- |
| कोंकणी कथा संग्रह | संपादक : चंद्रकांत केणी | 50/- |
| दोन दंगाळी भात | बरोवपी : तकझी शिवशंकर पिल्ले | |
| | अणकारपी : आर. के. राव | 35/- |
| डोळ्यांतले किशीर | बरोवपी : रवींद्रनाथ ठाकुर | |
| | अणकारपी : एन्. एन्. आनंदन | 45 - |
| मलयाळम् साहित्याचो इतिहास | बरोवपी : पी. के. परमेश्वरन् नायर | |
| | अणकारपी : आर. के. राव | 45/- |
| कन्नड साहित्याचो इतिहास | बरोवपी : रं. श्री. मुगळि | |
| | अणकारपी : जे. बी. मोरायस | 60/- |
| नानालाल | बरोवपी : उमेदभाई मणियार | |
| | अणकारपी : पुंडलीक नारायण नायक | 5 - |
| गालिब | बरोवपी : एम्. मुजीब, | 5/- |
| | अणकारपी : नारायण सादोळकर | |

## ENGLISH

The Golden treasury of Indo-Anglian Poetry
Comp. **V. K. Gokak** (6 th ed) 50/-

Dalgado - The Man and the Scholar
**Fr A. Pereira S. J.** 12/-

A History of Marathi Literature
by **Kusumawati Deshpande** and **M. V. Rajadhyaksha** 40/-

A History of Indian English Literature
by **M. K. Naik** (2nd ed.) 60/-

*SAHITYA AKADEMI : REGIONAL OFFICE*
172, Mumbai Marathi Granth Sangrahalaya Marg,
Dadar, Bombay - 400 014
Phone : 4135744

हजार बार चुनाव हारेंगे
लेकिन देशकी शान रखेंगे

# नेहरू : गोंयच्या प्रश्नासंबंदान

**स. जवाहरलाल नेहरू**
**हांच्या भाषणांतले आनी पत्रांतले**
**कांय वाटे**

– १ –

## मुळावी नदर

**गोंय** हें भारताच्या संघराज्याचो एक भाग जातकूच गोंयचेकडेन पळोवपाची आमची मुळावी नदर कितें आसतली हेविशीं म्हाका परत एक फावट कांय गजाली स्पश्ट करपाच्यो आसात :

अ) भारतीय संविधानान नागरिकांक जे अधिकार आनी जीं स्वातंत्र्यां दिल्यांत ते अधिकार आनी तीं स्वातत्र्यां गोंयांक लागू जातलीं - म्हळ्यार जण एकल्याक ताच्या धर्मा प्रमाण चलपाची, पूजा करपाची आनी आपणाल्या भावार्ताप्रमाण चलपाची मेकळीक आसतली.

ब) इतिहासान जी एक खेरीत सांस्कृतीक, सामाजीक आनी भाशीक प्रदेश म्हूण भावना गोंयकारांच्या मनांत निर्माण केल्या तिचो आदर जातलो.

क) जे कायदे आनी ज्यो परंपरा थंय चलणुकेंत आसात आनी जे सामाजीक बांदीलकेक जुळून आसात तांचो आदर जातलो आनी तांतूंत कसलोय बदल घडपाचो आसल्यार तो वाटाघाटीनी आनी परस्पर मान्यतायेनच घडटलो.

ड) भारतांतल्या हेर भागांनी आमी जशें केलां तेचभशेन सरकारी यंत्रणा, न्यायालयां आनी हेर यंत्रणेचो लाव तांकां पुरायतरेन मेळटलो. लोकांचे इत्सेप्रमाण तांची उदरगत आनी सवस्तकाय जातली आनी तांच्या स्वातंत्र्यान मांयभुंयेकडलो एकचार सादतलो.

(२५ ऑगष्ट १९५४ : लोकसभा)

– २ –

## गोंय वेगळेंच उरतलें

गोंय आनी भारतांतले हेर पुर्तुगेज प्रदेश जेन्ना भारताक येवन मेळटले आनी म्हाका खात्री आसा ते येवन मेळटलेच तेन्ना ह्या प्रदेशांचो दर्जो कितें आसतलो? हाची जाप हांव तुमकां दिवचोंना. हरशीं जाल्यार हांव ती दितलो आसलों, पूण म्हाका तशी गरज दिसना कित्याक तर फ्रेंच वसणुकांचे बाबतींत आमी कितें केलां हाचें एक प्रत्यक्ष उदाहरण तुमचेमुखार आसा.

फ्रेंच वसणुकांचें आमी कितें केलें? पयली गजाल म्हळ्यार आमी ताचें वेगळें अस्तित्व सांबाळून दवरलें. आमच्यांनी तांकां मद्रास राज्यांत वा मद्रासांतल्या खंयच्याय जिल्ह्यांत आसपावन घेवं येताले. पुणून आमो तशें करूंक ना. कित्याक तर आमकां पाँडिचरीची आनी कारीकलची स्वतंत्र वळख दवरपाची आसा. थंयचो फ्रेंच संस्कृताय विकसीत जाल्ली आमकां जाय. फ्रेंच भाम तिगोवन दवरलेली जाय. तांकां तांचे स्वत:चे कायदे, नेम, शिक्षणिक यंत्रणा, साधनां आनी हेर सगळचो गजाली चालू दवरपाक आमी तांकां पुराय मेकळीक दिल्या.

तांकां जाय तशे बावुरपाची मेकळीक दिल्या. भारत सरकार आनी फ्रेंच सरकार हांचेमजगतीं जाल्ल्या करारांत आमी स्पश्ट केलां तें म्हळचार लोकांचे मान्यतायेबगर आमी ताच्या जिवितांत कसलोच बदल करपाचे नात, बदल तांकां नाका म्हूण न्हय, आमकांच खासा भारतांत फ्रेंच संस्कृतायेचें आनी भाशेचें एक केंद्र आसचें अशें दिसता. फ्रेंच ही एक समृद्ध भास, एक समृद्ध संस्कृताय, हे भाशेचें प्रतिनिधीक केंद्र भारतांत आसप हें भारताचे नदरेनूय खूब फायदयाचें.

कोणाचेर बळजबरी जावंची ना वा खंयच्याच जिल्ह्यांत वा राज्यांत ताचें विलीनीकरण जावंचें ना. लोकांक जोमेरेन आपणाली अशी खाशेली वळख दवरपाची इत्सा आसा तोमेरेन तांकां ती दवरूंक मेळटली. म्हाका ताकतीक करून कोणाचेर विलीनीकरण लादपाचें ना. हावें हांगा धार्मिक वा देवस्पण-पूजा पाठाचो प्रश्न घेवंक ना. सांगपाची गरज ना : हया मळार तांकां पुराय मेकळीक आसा. सांस्कृतीक आनी हेर गजालीनी जरी कांय प्रमाणांत मर्यादा आयल्यो तरी धर्मीक गजालींचे बावतींत ते पुराय स्वतंत्र आसात.

जेन्ना गोंय भारतांत विलीन जातलें तेन्ना ताचें कितें जातलें ? तुमचेमुखार फ्रेंच वसणुकीची देख आसा. गोंयचे बावतींत तशेंच जातलें. बऱ्या वायट कृत्यांची जाप विचारपाचें स्वातंत्र्य, धर्मआचरण आनी संस्कृताय तशेंच रिती-भाती हांचे जतनाये संबंदान दिल्ल्या म्हज्या आश्वासनांची पूर्तताय आमकां पाँडीचरी, कारीकल आनी हेर फ्रेंच वसणुकांच्या खऱ्याखुऱ्या उदाहरणांनी पळोवंक मेळटा. हांगां हो प्रश्न फकत प्रशासकीय पांवडचार उरूंक ना तर ताचो प्रत्यक्षांत कितलो वापर जाता हाचेर आसा.

हें सगळें तुमकां सांगपाचें कारण म्हळचार एक तर फटकिऱ्या प्रचाराक लागून वा गोंय महाराष्ट्राक वा कर्नाटक राज्याक जोडूंक मुखार सारिल्ल्या अति उत्साही लोकांक लागून कांय लोकांमदीं गैरसमज जाल्लो आसा. तुमी महाराष्ट्र राज्य आनी नव्या कर्नाटक प्रांताक सामके तेकून आसात. म्हाका अ स्त आसा तुमी अेकामेकांकडेन लागींचे शेजारी इश्टागतीन आनी सहकार्यान चलतले.

पूण गोंयांची आपणाली खाशेली अस्मिताय तिगून अुरूंक जाय हो म्हज्यामतान म्हत्वाचो मुद्दो.

(४ जून १९५६, मुंबय गोंयकाराची अेके सभेंत)

भारत सरकारान परत परत सांगलां की गोंयांतलो वसाहतवाद जेन्ना सोंपतलो आनी गोंय भारतांत समाविश्ट जातलें, तेन्ना गोंयची खाशेली अस्मिता आनी तेचवांगडा ताचे सांस्कृतिक खाशेलेपण तशेंच धर्म, भाशा आनी परंपरा आदींचो राखण जातलो.

(२८ डिसेंबर १९६१, पत्रकार परिशद, नवी दिल्ली)

— ३ —

## आमचो निश्चेव

म्हाका आजून कळना, गोंयचे विशीं मैसुरांत आनी महाराष्ट्रांत इतली अुचाबळाय कित्याक ती. हावें स्पश्ट केलां, : गोंय वेगळेंच उरतलें, तें खंयच्याच राज्यांत विलीन जावचें ना. कांय भायले अधिकारी तांचे पात्रतेप्रमाण थंय आसतले. पुणून हेर प्रदेशांपरस तांची संख्या उणीच आसतली.

(२० मे १९६२, निजलींगप्पाक बरयिल्ल्या अेका पत्रांत)

आमकां दिसता, आनी म्हाका तरी खूब पयलींसावन दिसत आयलां : गोंयाक अेक वेगळेंच व्यक्तिमत्व आसा. ताचें हें व्यक्तिमत्व काडून घेवप ही अेक दुखदिणीच गजाल जातली. आतां

हळूहळू काळाप्रमाण आनी हेर कांय प्रभावांक लागून वदल घडून येवं येता. तें काळ थारायतलो आनी तुमी थारायतले. पूण आमी जावन कितेंय वदल घडोवन हाडपाचेनात. गोंयच्या व्यक्तिमत्वाक बादा येवंक जायना. **तेखातीर आमी थारायलां आनी तसो निश्चेवच केला, कीं, भारत देशांत गोंयांक आपली वेगळी अस्मिता आसूंक जाय. हें सगळ्यांनी बरे तरेन समजून घेवपाक जाय कित्याक तर आमी हें सामकें थारायलां आनी तेखातीर विरोध करपाचो प्रश्नूच उपरासना** तशें करप म्हळ्यार त्रासांचें जातलें, निकाल मात लागचो ना. आनी गोंय ह्या राज्यांत विलीन करचें अशी इतली आस तरी कित्याक ? म्हाका हाची जाप मेळना. भारताचे फास्के भितर रावन गोंयाच्यान जाय तशी आपली उदरगत सादूं येता आनी तेचवरोबर भारताचे गिरेस्तकायेंत भर घालूं येता. खूब प्राचीन काळापासून भारताची एक संकल्पना आसा राजकी मळार भारतांत खूब फावटीं फूट पडली पूण वर्सांचीं वर्सां एकचाराच्या सिद्धांतान भारत घट उरलो. लागीं लागीं तीन हजार वरसाच्या ह्या सिद्धांताचें वर्णन करतात. तो म्हळ्यार हिमालय धरून दक्षिणेकडल्या समुद्रामेरेन तशेंच सांस्कृतीक आनी हेर गजाली कुशीक काडून लेगीत वेगळेपणांत एकचार सादपाचो आमचो सिद्धांत आसा. ह्या वेगळेपणांतली गिरेस्तकाय तिगोवन दवरपाचेर आमी सदांच भर दिला. पूण तेचवराबर भारताच्या एकचाराक खंयच बादा येवंक दिवं ना.

(२२ मे १९६३ भौशीक सभा, पणजी)

प्रश्न : गोंय एक ल्हान विभाग आशिल्ल्यान तुमकां दिसना, शेंकडयांनी वर्सां महाराष्ट्राकडेन संबंद आशिल्ल्या प्रदेशांत तें विलीन जावंचें म्हण ?

प्रधानमंत्री : हांवें तें आदींच सांगलां. म्हाका तशें मातूय दिसना. **म्हाका खात्रीन दिसता की गोंय एक वेगळेंच उरयाक जाय.** एक गजाल खरी ती म्हळ्यार शेजारच्या राज्यांकडेन आनी भागांकडेन ताचो संबंद येतलो. तें सभावीक आनी फुडाराक कितें घडटलें हे कोणाच्यान सांगपाक जावचें ना. पूण हे घडकेक, **ताच्या गुणासयत म्हाका दिसता तें वेगळेंच उरयाक जाय.** गुण कुशीक दवरल्या आनी हांगासल्ल्या लोकांचो विचार करूया, तांची संख्या अदीक उगी जांव, तरी आसतना म्हाका दिसता दुसऱ्यांल्या व्यक्तिमत्वांत मिसळून वचत म्हणपाची तांकां भिरांत आसा. हें सगळें सांबाळून दवरपाखातीर तांकां एक संद दिवप म्हत्वाचें.

(२३ मे १९६३ पत्रकार परोशद, पणजी)

– ४ –

## पयलें योग्य कारण
## आमचे भितल्ली भावनीक एकात्मता

गोंय महाराष्ट्रांत वचचें हे गजालीचेर भर दिवपी कांय लोक हांव पळयतां. म्हाका दिसता ते सामके चुकतात. गोंयचें भवितव्य गोंयकार थारायतले हें हांवें सांगिल्लेंच आसा. हाचो अर्थ असो न्हय कीं, सुटकेउपरांत रोकडेंच गोंय महाराष्ट्रांत वचचें वा अशा विशयाक मुद्दाम हात घालचो. गोंय हो केंद्रशासीत प्रदेश उरून ताची उदरगत सादप ही तुर्ताची गरज. नवी वेंचणूक ही संघप्रदेशाचे धर्तेचेर जातली. गोयांक ही सगळेतरेन फायदयाची थरतली. तेचवरोवर आमी हेंवूय सिद्द करपाक मोदतात तें म्हळ्यार गोंयकारांचेर आमी रोकड्यान रोकडो कसलोच निर्णय लादूंक मोदीनात. भारत सरकार ह्यानफुडें खंयच्याच बिलीनीकरणाक तयार जावचो ना हें स्पश्ट

आसा.

**(९ सप्टेंबर १९६३ श्री. पुरुषोत्तम काकोडकार हांकां बरयिल्ल्या पत्रांत.)**

गोंयचे वावतींत आमी कितें चिंततात ? गोंयचो विकास जावंचो आनी गोंयच्या लोकांची उदरगत जावंची हातूंत दुवाव ना. गोंय जेन्ना भारतांत भितर आयलें तेन्ना गोंयाक संघप्रदेशाचो दर्जो दिलो हें खूब बरें जालें. कित्याक तर संघप्रदेश जाल्ल्यान ताका एका सारकीच सुवात आनी वाकीचे सगळे लाव मेळटले. आतां सगळ्यान पयलीं सुरवातिच्या वर्सांनीं आमकां म्हत्वाच्यो गजाली करपाक जाय त्यो म्हळ्यार इतल्या वरसांचे परकी सत्तेखातीर जीं लुकसाणां जाल्लीं तीं भरून काडप आनी गोंयच्या लोकाक तशेंच पुर्तुगेजांचेर आदारून आशिल्ल्यांक स्वावलंबी, घटमूट करप आनी आपल्या पांयांचेर उबें रावपाची वृत्ती तांचेभितर जागोवप ह्याच कारणांखातीर तर हावें म्हळां गोंय हें सद्या तरी केंद्रशासीत प्रदेशूच उरूंक जाय. महाराष्ट्रांत ताचें विलीनीकरण जावंचें न्हय. तें पुराय वेगळें राज्य जावचें चालू वेंचणुकेंत तरी हो प्रश्न मुखार येवंचो न्हय. कांय थोडे लोक तो प्रश्न मुखार काडटात जाल्यार तें वरोवर न्हय. हे तरेचो प्रश्न फुडें काडून ते लोकां भितर एकचार वा एकात्मता हाडिनात तर तांचेभितर फूट घालतात विलीनीकरणा-सारक्या प्रश्नाचेर गोंयकार स्वताच विचार करतले आनी ताचेर योग्य निर्णय घेतले हें आमी सामकें स्पश्ट केलें आसा. पूण असले प्रश्न सोडोवपाचो हो वेळ न्हय. ह्या विशयाचेर कसलेंय विधान करप वा वाद घालप म्हळ्यार गोंयांत भितल्लेभितर झगड्यांक मुळावण घालप. अशेतरेचीं झगडीं ह्यावेळार योग्य न्हय. लोकांभितर एकचार वाडोवप, तांकां स्वावलंबी करप आनी एकात्मता हाडप हांचेर आमी चड भर दिवंक जाय. देशांत हेर सुवातांनी जशो बऱ्यो सुदारणा जातात तशो हांगां करपाच्यो ज्यांची गोयांक अ यज सामकी गरज आसा. तेखातीर म्हाका दिसता, येता ते वेंचणुकेंत गोंयांक शेजारच्या प्रदेशांत विलीन करपाचें वा नव्यो आडखळी उब्यो जातल्यो अशें स्वतंत्र राज्य करपाचें येवजप हें बरोवर जावचें ना. गोयांत आनी गोयां भायर भावनीक एकात्मता वाडोवप, तशेंच अर्थिक उदरगत सादप हे सारके जे म्हत्वाचे प्रश्न आयज लोकां मुखार आसात तांचेवयलें लक्ष दुसरेकडेन व्हरपाचेर भर दिल्यार तें बरें जावचें ना.

**(डिसेंबर १९६३ वेंचणुकेवेळार गोंयकारांक धाडिल्ल्या संदेशांत)**

– ५ –

## दुसरें योग्य कारण
## गोंयचें खास व्यक्तिमत्व

प्रश्न : गोंयच्या लोकांविशीं विचारपाचें जाल्यार गोंयकार हे भारतांतल्या हेर भागांतल्या लोकांपरस वेगळे आसात अशें तुमकां दिसता ? तांकां आपलीं खाशेलीं व्यक्तिमत्वां आसात ?

प्रधानमंत्री : भारतांत अगणित व्यक्तिमत्वां आसात हातूंत दुबाव ना विहार हें जरी बंगालचे कुशीचें राज्य आसा तरी लेगीत बंगालचें व्यक्तिमत्व विहारापरस वेगळें भारतांत सगळ्या राज्यांक आपलेपरीन व्यक्तिमत्वां आसात पूण म्हाका दिसता आनी पुराय खात्री आसा ती म्हळ्यार गोंयाक आपलें अशें खास वेगळें व्यक्तिमत्व आसा. पूण भारतापरस वेगळें कितेंतरी गोयांत आसा असो मात हाचो अर्थ करचो न्हय. गोंय हो भारताचोच एक भाग. पूण भारतांतल्या हेर भागांपरस कांय प्रमाणांत, न्हय चडच म्हळ्यार जाता गोंय हें वेगळें

आसा. हाचें इतिहासीक कारण म्हळ्यार गोंयचेर आशिल्लो ४०० वरसांचो पुर्तुगेजांचो शेक. हें एक कारण सोडलें जाल्यार हेरांपरस तें वेगळें आसा अशें जें तुमी म्हळां ताका अर्थ ना. भारतांतलो दर एक भाग दुसऱ्या भागापरस कांय प्रमाणात वेगळो आसा. तीच आमची स्वतंत्र वळख. तो आमचो हक्क. तो तसोच आसूंक जाय. इंग्लंडसारकेल्या धाकटया राष्ट्रांत लेगीत दर एका भागाक ताचें व्यक्तित्व आसा. तांचीं कांय वैशिश्ट्यां एकसारकीं तर कांय वैशिश्ट्यां वेगवेगळीं आसात.

(२५ मे १९६३ पत्रकार परीशद, पणजी)

प्रश्न : गोंयच्या समाजांतलीं जीं वैशिश्ट्यां तुमचे नदरेंत आयल्यांत तीं तुमी विस्तारून सांगशात ?

प्रधानमंत्री : वैशिश्ट्यां दोन प्रकारचीं आसतात. एक हावें म्हळां तशें, गुजराथी मनशाचें वेगळेपण पंजाबी, मराठी वा उत्तर प्रदेशांतलो मनीस वा बंगाली मनीस हांचेकडेन फारकत घेता. तसो भारतांतल्या दर एका भागाच्या वैशिश्ट्यांनी फरक दिसून येता. हांव जंय वतां थंय असल्या वैशिश्ट्यांनी रूची दवरतां मागीर दुसरो प्रकार म्हळ्यार अशीं वैशिश्ट्यां जीं दीर्घ काळाच्या पुर्तुगेजाच्या शेकांतल्यान आयिल्लीं आसात तीं फकत संपर्काचीं. परीणाम कोणाच्याय विचारांचेर, भाशेचेर, नाचाचेर वा पदांचेर जाता. सगळें आकर्शित करपासारकें आसता. ह्यो सगळ्यो गजाली म्हत्वाच्यो.

(२५ मे १९६३ पत्रकार परीशद, पणजी)

– ६ –

## तिसरें योग्य कारण
## कोंकणी भास

भाशेचो विचार केलो जाल्यार भारतांत दर एके भाशेचो वापर करपाची मेकळीक आसा. आमचेकडेन भाशीक प्रदेश खूब आसात. म्हाका दिसता, गोयांत ह्यो भाशा वापरांत आसतल्यो. मागीर ती मराठी आसूं वा हेर खंयचीय, तांचो वापर करूंक मेकळीक आसतली. पूण गोयांत रावपी लोक आनी तांचेमदीं वापर जाता ती कोंकणी भास हातूंत एक खाशेलें वैशिश्ट्य आसा. कोंकणीक मराठीचो विरोध आनी मराठीक कोंकणीचो विरोध आसप बरें न्ही. अशेतरेन भाशेचेर चेपण हाडपाची भावना चुकिची आसा. हेर भासांचे उदरगतिवांगडा, सामान्य मनशांची भास जी कोंकणी तिचेर खास लक्ष दिवंक जाय अशें म्हाका दिसता.

(२२ मे १९६३ भौशीक सभा पणजी.)

आमी खंयचीच भास लादूंक सोदीनात. पूण म्हजे म्हायतीप्रमाण हांगा कांय भाशांक चड वाव आसा. हांगासर कांयकडेन मराठी आनी कांयकडेन कन्नडय चलता. कोंकणीचो वापर जरी वेवहारांत जायना तरी चड करून कोंकणी भासूच सगळेजाण उलयताना दिसतात. तेखातीर म्हाका दिसता गोंयच्या लोकांखातीर कोंकणी भाशेची उदरगत घडपाची दर एक संद दिवपाक जाय. गोंयचे बाबतींत उलोवपाचें जाल्यार, **गोंय हें आपल्या स्वतंत्र अस्तित्वा-सयतूंच भारतांत उरचें**. ताका एक खाशेली अस्मिता आसा, **तिची राखण करूंक जाय**. ही खाशेलेपणा काळाप्रमाण बदलता हें स्वभावीक आसा. तरी आसतना आपलें वेगळें अस्तित्व हें आसूंकच जाय. अशे तरेचें खाशेलपण आसप खूब बरें. आमच्या खुबशा राज्यांक अशी खाशेली व्यक्तिमत्वां आसात. भारतांतलो दर एक भाग सारको आसचो अशीं आमची इत्सा ना, आमकां एकचार जाय पूण भारतांत पातळिल्ली विविधताय राखून उदरगत सादपाचो एकचार आमकां जाय. भारत म्हळ्यार एक सोबीत गालीचो कसो. सोबीत सुंदर

कापडान नटून ताका विविधताय येता पूण भारत म्हळ्यार एक सवंद गालिचो आनी तीच ताची खरी सोबीतकाय. म्हणटकच आमी अमच्या विचारांनी, कृतींनी आनी बऱ्या कर्तुपांनी गालीचो विणूक जाय. पूण सदांच त्या गालीच्यांत विणिल्लो एकचार लक्षांत दवरात आनी ताच्या दर एका भागाची सोबीतकाय ध्यानांत दवरात.

(२३ मे १९६३, भौशीक सभा मडगांव)

## कोंकणी एक लोकप्रिय भास

प्रश्न : कोंकणीची लोकप्रियता सोडली जाल्यार कोंकणी ही फकत उलोवपाचीच भास उरल्या. तिची उदरगत जावंक ना. शेंकडचांनी वर्सांत कोंकणीची उदरगत जावंक ना. ही उदरगत आतां कशी सादपाची ?

प्रधानमंत्री : तुमी सांगिल्ली ही परिस्थिती खरी आसा. मराठी हे उरगतीत साहित्यीक भाशेचो वापर हांगा चड वरो जाता तरी आसतना कोंकणी ही हांगाची लोकप्रिय भास हेंवूय तितलेंच खरें आसा हे लोकमान्य बाली भाशेक मानसशास्त्राचे आनी भावनीक नदरेन खास गुणवत्ता आसा. ती विकसीत जातली कांय ना वा तिचें आनी कितें जातलें हें सांगप कठीण पूण लोकप्रिय जाल्ले खंयचेय गजालिची राखण करूंकच जाय. तिका आडखळ करून कोणाच्योय भावना दुखसारकें कांय करपाक जायना. लोकांच्या मनात ताचीं मुळां खोल रीगल्यांत. कोंकणी आनी मराठीमदीं कितेंय झगडो-वाद आसतसो म्हाका दिसना. ह्यो दोनूय भासो वेगवेगळ्यो आपआपल्या पांवड्यार आसात. मराठी ही सामकी विकसीत जाल्ली भास हांगा परीचयाची आसा आनी तिची उदरगत जायत रावतली. पूण हांगासर उलोवपांत चड प्रमाणात कोंकणीचो वापर केल्ल्यान कोंकणीच हांगा चड चलता. तिका उत्तेजन मेळपाक जाय. आजूनय म्हाका ह्या दोनूय उदरगतीत भासांमदलो वाद समजूंक ना. एक भास दुसरे भाशेक चेपूंक पळयता ही दुःखाची गजाल. खरें म्हळ्यार एक भास दुसरे भाशेक पालव दिता आनी दोगीय फुलतात, रसरसतात. अशेतरेचें नातें विकसीत जाल्ले मराठी भाशेंत आनी विकसीत जावपी कोंकणी भाशेमदीं आसूंक जाय. ह्या दोनीय भासांभितर कसलेंच झगडें ना. दर एकल्यान कोंकणी भाशेक पालव दिवंक जाय आनी म्हाका दिसता **कोंकणीचो उदरगत तुमी केली जाल्यार गोंयचो मौस तुमचेलागीं येतलो.**

कोंकणी भास सगळ्याक पसरिल्ली आसा उत्तर पूर्व तशेंच हेर वाठारांनी जंय ल्हान ल्हान जमाती आसात तांची म्हण आपली भास आसता. कोंकणी ही त्या भासापरस उदरगतीत जाल्ली भास आसा तिचो वाव चड आसा. तुमी हाचेर बारीक चिंतून पळयात. कोंकणी आनी मराठी एकामेकांच्या विरोधांतल्यो भासो जावंच्यो न्हय. तशें जालें जाल्यार तें सामकें चूक थरतलें. आमच्याच प्रांतांतलें एक वेगळें उदाहरण तुमकां सांगतां. उत्तर प्रदेशांत उर्दू आनी हिंदी भासांभितर एक पोरणें विधान करतात. सामकें हास्यास्पद अशें हें विधान हांव म्हणटां जर कोणाक उर्दू जाय तर ताणे उर्दूचो विकास करचो पूण तिचो विकास करचे बदला कांयजाण दुसरे भाशेक दूशणां दिवन, तिचो दुस्वास करून कोणूच आपले भाशेची उदरगत करूंक पावना. जेन्ना एके भाशेची उदरगत करतात तेन्ना वाकिच्याय भाशांचेर उदरगतिचो प्रभाव पडटा. थंय मागीर सतिचो प्रश्न उरना. फाकीवंत बरोवपी, कवी, कादंबरीकार आनी इतिहासकार तुमी ऑफिसांतल्याबशेन बडटचो दिवन तयार करिनात. ते तयार जावं ना जावं. तुमी तांकां

वयर सरकार तशें वातावरण निर्माण करपाक जाय. तशी जर वातावरण निर्मिती जायत तर म्हान मनीस तांचो लाब घेवंक पावतले. भाशेखातीर असलें वातावरण उपयुक्त आसता, जें लोकांच्या अंतस्कर्णामेरेन पावता. **जें बरें, मोलाचें आसता तें सोडून दिवंक जायना तर तें तिगोवन दवरून ताका उर्बा दिवंक जाय.**

(२५ मे १९६३ पत्रकार परीशद, पणजी,)

मराठी भास ही आमचे घटनेतले आठवे वळेरेंतली एक भास ती एक ह्यड भास, तिची उदरगत जावंक जाय आनी जातलीय. **कोंकणी भास हें गोंयचें वैशिश्ट्य आनी ती थंयच्या सगळ्या लोकांक कळटा अशी भास.**

(डिसेंबर १९६३, वेंचणुकेदेळार गोंयकारांक दिल्ल्या सदेशांत.)

अखेर आपल्या फुडाराविशीं गोंयच्याच लोकांनी थारावपाचें आसा. पूण वेळ येता तेन्नाच ताणी हाचेर विचार करचो तसो वेळ येवचेपयलींच पावलां उखलप गोंयांक हानीकारक थरतलें.

(डिसेंबर १९६३, वेंचणुकेवेळार गोंयाक दिल्ल्या संदेशांत)

– ८ –

**वेंचणूक निकाल - विलीनीकरणाक वाव ना**

शेजारच्या राज्यांत गोंयचें विलीनीकरण जावप हिताचें ना आनी सदचाक तें जावंकूय जायना अशें प्रधानमंत्री श्री. नेहरूनी आयज हांगां स्पश्ट केलें.

ताणी मुखार म्हळें, खंयच्या पक्षान भोवमत मेळोवन सरकार घडयलें हें म्हत्वाचें न्हय, पूण हचा संघप्रदेशाक खास दर्जो दिवन ताची **विशेशताय राखतले अशें जें लोकांक मुळांत उतर दिलें ताका पाळो दिवप आयज म्हत्वाचें आसा.**

गोंयच्या वेंचणुकांवो निकाल जाहिर जातकच प्रधानमंत्री अजापले. आयज सांजवेळा थळाव्या कॉंग्रेस कार्यकर्त्यांचे वसकेंत उलयतना ताणी म्हळें, 'हांव अजापलों आनी दुखावलों'. तरी आसतना हो संदर्भ आमी हेर भागाक लावंक शकनात.

नेहरूनी मांगलें, वेंचणुको ह्यो जातीयतेचेर आदारीत आशिल्ल्यो, जी गजाल आमकां नाका. रॉमन कॅथोलीक जे ४० टक्के आसात ताणी एके वटेन मतां दिलीं जाल्यार हिदूंनी दुसरे वटेन.

कॉंग्रेस जैतिवंत जालीना कारण ती ह्या दोगांयमदलो फरक ना करूंक सोदताली.

निकालान गोंदळ वाडयलो. श्री. नेहरूनी सांगलें, **गोंयचें स्वतंत्र अस्तित्व उरचें** ह्या मताचो हांव आनी हाच्या अंतिम निर्णयाक आमी कांय वरसां रावूंक जाय. कितेंयतरी वाट हातूंतल्यान मेळटली, ताणी फुडें म्हळें.

गोंयच्या विलिनीकरणाचे मागणे संबंदान उलयतना श्री. नेहरूनी म्हळें कीं, ही मागणी गोंयचे सुटकेपयलींच जाताली, पूण मागीर मात बळजवन्यां तिचो पुरस्कार करपाक लागले. नेहरूनी फुडें म्हळें, हो वाद मिटोवचे पयलीं फावो तशो परिस्थिती उरूंक जाय. लोकांक ह्या वादाभितरलो कोनश्यान कोनतो विसकटादन सांगून ताचे वायट वरे परिणाम कळोवंक जाय आनी मागीर तांचीं मतां ह्या विशयाखातीर तयार करूंक जाय.

गोंयच्या प्रश्नांक सुटकावाट मेळची, तांकां पुराय मेकळीक मेळची आनी तांचें स्वताचें सरकार असाचें, तेच वांगडा ताका विशेश अनुदानासारक्यो सवलती केंद्राकडल्यान मेळच्यो. जे लाव हेर संघप्रदेशाक मेळटात तशेच गोंयाकूय मेळचे हेखातीर गोंयाक संघप्रदेशाचो दर्जो दिलो अशें श्री. नेहरूनी सांगलें.

(१४ डिसेंबर १९६३ पी, टी. आय, जयपूर)

– ९ –

## बांदोडकार विलीनीकरणाखातीर वेंचून येवंक ना

दुसऱ्या एका प्रश्नाक जाप दितना प्रधानमंत्र्यांनी सांगलें, हालींच जाल्ले पोटवेंचणुकेंत गोंयचे मुखेलमंत्री श्री बांदोडकार वेंचून आयले ती वेंचणूक विलीनीकरणाच्या प्रश्नाचेर लडोवं नाशिल्ली.

"हो वाद थंय नाशिल्लोच आनी श्री. बांदोडकारांक तसो विरोध जालो ना" – प्रधानमंत्र्यांनी सांगलें.

(२२ मे १९६४, पी. टी. आय. नयी दिल्ली –)

– १० –

## वेंचणुकेपरस विलीनीकरण हिताचें न्ही

गोंयचें महाराष्ट्रांत विलीनीकरण हेसंबंदी म्हजीं मतां तशींच आसतलीं जशीं तीं वेंचणुकेपयलीं आशिल्लीं. हावें म्हळांच, वेंचणुकेपरस विलीनीकरण गोंयच्या फुडाराक बऱ्याचें न्हय. हो निर्णय लागींच्या भविश्यांत घेवं येता. तो गोंयकारांनी थारावचो आसा.

रॉमन कॅथोलीकच विलीनीकरणाक विरोध करतात अशें न्हय तर हांव जाणा ते प्रमाण हेर धर्माचेय लोक विरोध करतात. हांव म्हणटां, हेर लोक कुशीक काडले जाल्यार फकत चाळीस टक्के लोक जे रॉमन कॅथोलीक आसात ते तर सामके हाच्याआड आसात.

(२ जानेवारी १९६४, श्री. पुरुषोत्तम काकोडकार हांकां बरयिल्ल्या पत्रांत.)

**


Tourism cum Hotel Industry plays a vital role in the state's economy and contributes substantially towards revival of art, culture and handicrafts. Tourism fosters national integration and international understanding leading to World peace.

Tourism is one single industry which provides the largest number of jobs.

Tourism is an activity which has the largest multiplier effect with respect to the circulation of money.

It is our endeavour to develop tourism in Goa on a sound, firm footing and well planned for the benefit of all peoples prosperity of the local populace.

Issued By

**DIRECTORATE OF TOURISM,**

Government of Goa,
Tourist Home, Patto,
Panaji Goa, 403 001.
Tel : 5583, 4757
Grams : GOAYATRA.

# HELP PROTECT & PRESERVE THE CULTURAL HERITAGE

- Goa Archives preserves for posterity the documentary heritage of Goa's past.
- Collections in Portuguese date back to the 15 century.
- It also has Marathi (Modi) - Halkannada and a few Persian documents throwing light on the relations of the Portuguese with Marathas, Hyder-Ali, Tipu, Sundas and Bhonsles of Sawantwadi etc.
- The Collection also contains a few documents in Chinese and Vietnamese scripts.
- Goa Archives has its own well- equipped preservation Unit for the scientific preservation of documents.
- It also has modern microfilming, Photocopying and Xeroxing equipment.
- This is your Archives and you can enrich it by donating your valuable collection of private papers.

VISIT GOA ARCHIVES ALWAYS

*Issued by :*

**The Directorate of Archives, Archaeology & Museum,**

GOVERNMENT OF GOA

*P. No. 3232*

# VOCATIONAL TRAINING PROGRAMME OF RURAL DEVELOPMENT AGENCY-GOA

Rural Youth in the age group of 18 to 35 years are imparted training in vocational courses with the main aim of giving them self employment.

The courses in which the training is given are:

1. Automobile mechanic including driving and maintenance of farm machinery.
2. Welder, turner, fitter and machanist courses.
3. Nursery, typewriting etc.
4. Wireman, carpentry, masonry and plumbing courses.
5. Crafts like doll making, fibre work, batik printing, wall hanging, carpets, tailoring, embroidary etc.

These courses are conducted round the year. The trainees are paid stipend at the rate of Rs. 200 - per month and tool kit worth Rs. 500/- is supplied free of charge to each trainee on completion of training further, to start self trade/business an amount upto Rs. 20,000/- is given out of which Rs. 3000/- is subsidy and the balance as bank loan.

For further details contact the nearest Block Development Office of the Office of Rural Development Agency-Goa.

*Issued by*

Rural Development Agency-Goa




# रे किन्नरा

मीना सुरेश काकोडकार

ल्हानपणच्यो सोबीत; मुंदर यादी ! कोमाल्याचीं रंगीत पांखां लावन, काळाचें बंदन तोडून पयस पयस अतितांत घेवन वचपी यादी ! काळजा-भोंवतणीं रस्मी वेंग मारून क्षिणभर दोळे ओले करुन वचपी यादी ! ... मागीर परतें ल्हान जावचेली ओड पिशी करूंक लागता. परत एकफावट ती निरागस मुक्त जीण जियेवचेली उमळशीक लागता. केन्ना केन्ना ही ओड इतली खर जाता कि पळयतां, पळयतां शेणून गेल्लो अतीत परत एकफावट वर्तमानकाळ जावन नदरेसामकार उबो रावता.

म्हजेंय तशेंच जालें. त्या दिसा पेपर वाचूंक घेतलो आनी मुंबयच्या एका पार्कांत सुकण्यांचें प्रदर्शन भरचेलें आसलें तेविशीं खबर दिसली. तातूंत एका गावपी सुकण्यांविशीं वाचलें आनी 'किन्नरा' ची याद काळजांत उपाट भरून आयली ... मागीर भांगरा पावस शिवरूंक लागलो, जायो-जुयो नखेत्रां जावन म्हज्या केसांत परमळूंक लागल्यो ... रंगबेरंगी शब्दुलीं, तांबडी गुंज चित्रंगी, रंगपंचम खेळूंक लागलीं. दर्याचो गाज चुडटा चुडटांतल्यान घुमूंक लागलो आनी त्या गंध धुंद वातावरणांत पाना आड लिपून किन्नर मनभुलोवणो साद घालूंक लागलो 'अे ऽऽ निमा ऽऽ अे ऽऽ निमा ऽऽ'

तेन्ना हांव धा अिकरा वर्सांचें आसतलें. आमी मूळ गोंयचीं पूण बापायची नोकरी बदलेची आशिल्ल्यान

*With Best Compliments from :*

**M/s. ARCHANA INDUSTRIES**

Plot No. 87, Bethora Industrial Estate
Bethora, Ponda - Goa 403 401

Who makes everything in plastic

*With Best Wishes From :*

**SEABUILD**

*Engineers & Contractors*

NAVSONS SITE
Vadem Vasco da Gama - Goa

चडशीं गोंयाभायरच उरलीं. त्या वरसा बाबाची बदली मुंबयच्यान नागपुराक जाली आनी आईन म्हाका गोयांत मामागेर शिकूंक दवरलें. मामाल्या घरालागसार दर्या आसलो. रातीचें हातुणार पडटकीर ताजो गाज आल्लय जावन हिदयताली..इतली लागीं दर्या! दर्या वेळेक तेंकून मामाली भाटां. भाटांत माड आनी तरांतरांची फळझाडां आंबे, काजू, भिडां! घरा लागच्या पोरसांत रासभर फुलां. सैमाचें पिशें म्हज्या रक्तांतच आसलें म्हणटकीर मुंबयच्या बंदीस्त जिणेंतल्यान मामागेर येतकीर म्हाका सगळें रान मेकळें मेळिल्ल्यावरी जालें तेभायर म्हज्या आजोळचो गांवच असो आशिल्लो कि जंय सैमान घालपी देण दोनय हातानीं भरभरून दिल्ली.

अभ्यासांत म्हजें व्हडलेशें चित्त लागनासलें. तेपरस वेळेवयल्यो घुलो वेचूंक; दोंगरावेलीं काण्णां, चुन्नां तोडूंक आनी पोरसांतलीं फुलां पुंजावंक म्हाका चड खोस जाताली. वांगडा कोणय आसलें जाल्यार हांव एकलेंलेगीत सगलो वाठार माडुीत हेडटालें. आजी तापताली; मामा धेंगसो घालतालो; पूण म्हजें पिशें अशें आसलें जें उणें जावंक तयार नासलें.

त्या दिसा अशेंच भिडां खायत हांव माडाक तेंकून दर्यादेगेर उबें आसलें. तांबडो गुंज रोस तळटावयल्यान गळून कोंपरामेरेन पाविल्लो; इतल्यांत सर्रं करून पावसा थेंबे सरसरले. ते थंडगार थेंबे आंगार पडटकीर म्हज्या आंगार खोशेचो कुडकुडो कांटो जावन उबो रावलो. तिळगुळावरी! चुडटा-चुडटांतल्यान वारो पिशांवरी वाकडो तिकडो धावंक लागलो. दर्या लेगीत व्हडा-व्हडान धापेवंक लागलो. म्हणटा खिणाक घसघशांनी पावस ओतूंक लागलो. पयस खंयतरी जोगलावलें लेगीत. आनी मागीर सगले आवाज चिरीत एक मनभुलोवणी शिळोणी त्या ओल्या चिप्प वाठारांत घुमली ... हांवें पिशावरी हेवटेन तेवटेन पळयलें हांगा थंय धांवलें. चुडटा चुडटांतल्यान नदर भोंवडायली. भोंवतणचो वाऱ्याचो नेट, पावसाचो उटंगार, दर्याचो गाज हांव पुराय विसरलें. फकत कान तितले लाख दोळ्यांनी त्या आवाजाचो वेध घेवंक लागले.

परत शिळोणी घुमली. पूण आतां तिका उतरां सुटिल्लीं. पानाआड लिपून एक सुकणें उलो मारतालें. म्हाकाच! '... अे नि ऽऽ मा ऽऽ अे नि ऽऽ मा ऽऽ हांव वयर पळयत रावलें. मान दुखचे कडेन पावली पूण नदर हालयली ना. ल्हवू ल्हवू काळखाची साय


*With Best Compliments From :*

**M/s. MANOHAR T. HARMALKAR & CO.**

**CIVIL CONTRACTORS & BUILDERS**

Silva Nagar, Nirankal Road
Ponda - Goa

# KNOWLEDGE IS POWER

## EDUCATIONAL FACILITIES PROVIDED IN THE STATE

1. More than 1200 Primary Schools and 300 Secondary Schools functioning in the State covering even the backward and remote areas.
2. Higher Secondary Schools, colleges and Technical Institutions catering to the needs of Higher/Technical education.
3. Scholarships, freeships, book grants and other incentives awarded to a large number of economically backward students girl students, SC/ST students, Children of teachers freedom fighters and Ex-Servicemen.
4. Library movements started-village libraries and taluka libraries opened to encourage reading habit among the students youth & adults.
5. Cheap note-books sold at concessional rates to students through schools, Co-operative Societies & Sahakar Bhandars.
6. Mid-day meals supplied to 20,000 children in primary schools.
7. Eradication of Illiteracy-Education imparted to illiterate adults through Adult Education Centres functioning all over the State "Education for all leading to all round development" is our motto. Help us to educate your child.


## Directorate of Education

**GOVERMENT OF GOA**

PANAJI - Goa.

उजवाड मेटत सगल्याक पातळूंक लागली. तिजे रोंदा सगलें गडगुप्प जावंक लागलें तशी हांवें नदर सकयल काडली. नाका तेमशेर थरथरत आशिल्लो पावसाथेंबो टप्प करून जमनीर पडलो. ओलो थापो जावन हांव घरा धांवलें. मामागेर सद्दां तिळसांजचीं न्हाणयेंत भाणापोंदा उजो घालतालीं. हांव आजेची नदर चुकोवन मागीलदारच्यान भितर सरलें भाणांतलें उदक धगमडें जाल्लें. तशेंच न्हालें. थंयचोच अेक वालो गुठलावन भितर सरलें. जूस्त आजेन पळयलें.

– खंय आशिल्लें गो हेडग्या ?

– न्हातालें आजे

– न्हातालें ? इतलो वेळ ! आनी आंगाचें घेनासतना न्हावंक गेल्लें ?

आजेन कुल्यार एक चुळचुळीत थापट मारलें. तें सांसपीत हांवें धांव मारली. तिळसांजचे कातरीर देवामुखार निरंजन पेटयतकोर आमी सगळीं भुरगीं 'शुभं करोति' म्हणटालीं. पूण त्या दिसा म्हजें लक्ष कित्यांतच नाशिल्लें. हांव दोळे धांपून बेठेंच देवामुखार उबें रावलें. सुकण्याचो उलो याद करीत.

– आजे, निमा शुभंकरोति म्हणी ना ऽऽ

मामाल्या दामूलें म्हजेर बारीक लक्ष आशिल्लें जावंये. आजेचें थापट दुसऱ्या कुल्याचेर पडचे पयलीं हांवें व्हडल्यान शुभंकरोति म्हणून काडलें.

ते रातीं हातुणार लोळटना हांवें आजेक म्हळें,

– आजे गे ऽऽ वेळेर मगे एक नवेंच सुकणें आयलां. कोण आसतलें गे तें ?

आजी हांसली. मोन्यानी जप करीत रावली.

– सांग गे आजे, कोण आसतलें तें ?

– कशेंशें दिसतालें ?

– हावें पळोवंक ना. पूण गो ऽऽ ड गायता.

– कोगूळ दिसता.

– न्हय गे.

– नाजाल्यार साळोरी.

– इशे ऽऽ !

– आसूं कोणय. न्हीद ओग्गी. म्हाका माळ ओडूं दी.

हांवें दोळे धापून घेतले. रातभर तें सुकणें पानाआड लिपून म्हज्याबांगडा आपालिपा खेळत रावलें. दुसऱ्या दिसा सकाळीं सदचेवरी शाळेंत वचून आयलें. जेवन बेगीबेगीन अभ्यास केलो. पूण दनपारच्या पारार घरांतल्यान भायर सरचेलो धीर म्हाका जायना जालो. हळडुवीं, धवीं, तांबडीं शब्दुलीं सोंपणाकडेनच फुलूंक लागिल्लीं. तातूंतलें एक हांवें काडलें, भितल्लीं शेंकरां काडून उडयलीं आनी 'पीं, . . पीं . . करून पेपारें वाजयत सोंपणार बसलें. पेपारें वजो न वाजेलें तशें हांव पोरसांतले जुयेमाटवापोंदा वचून बसलें. बेठोच माटोव हालयलो. फुलिल्ल्यो जुयो नखेत्रां कशीं म्हज्या केसांन झिरकलीं. भायलो रखरख माटवाचे शिमेभायर उबो आमलो जुयेपोंदां कशें थंड शीतळ दिसतालें. आई बाबाची याद आयली आनी मन जड जालें. ओंठार हिमटीलेगीत येवन रावली.

पळयतां पळयतां वत भांगरावरी हळडुवें जालें. आनी त्या वतांतल्यान जमनीमाथ्यार झीग घाल्लेवरी पावस शिरशिरूंक लागलो. तें भांगर झेलूंक हावें हात मुखार केलो, इतल्यांत पावसांत भिजत तो मनभुलोवणो साद म्हजेमेरेन पावलो – 'अे नि ऽऽ मा'

हांव सट्ट करून उठलें. तकली माटवाचे म्हेडीक आपटून पानावेले पावसाथेंबें टपटप करून म्हज्या माथ्यार पडले. तशेंच भायर धांवलें. धांवतना कुशीच्या अनंताच्या झोंपाक आपटलें. रासमर फुलां जमनीर


With Best Wishes From :

**M/s. VENKTESH NAGUESH NAIK**

CIVIL, P. W. D. CONTRACTOR

**CHIRPUTE - PONDA GOA**

# "गिरायकांनो तुमच्या हक्कांची जाणीव दवरात"

तुमी विकतो घेतात त्या खंयच्याय बंद स्वरुपांतल्या मालाचेर ह्यो गजाली छापिल्ल्यो आसात म्हणपाची खात्री करून घेयात –

जिनसाचें नांव, एकूण प्रमाण, तयार करप्याचें नाव आनी पुराय नामो, जिनस तयार केला त्या म्हयन्याची आनी वर्साची नोंद.

तेमायर माल तयार करप्यान सकयल दिल्ल्या खंयच्याय एका मोलाचो उल्लेख करपाक जाय.

१. चडानचड मोल – थळावे कर ज्यादा :- ह्या मोलांत थळावे कर सोडून मालाचो एकूण खर्च आसपावता.

२. किरकोळ विक्रिचें चडानचड मोल :- सगळे कर धरून आनी चडानचड मोलान तो जिनस गिरायकाक विकूं येता तें मोल.

बंद जिनसांचेर जे थळावे कर लागू जातात तांचें दरपत्रक किरकोळ विकेत्यांनी आपल्या दुकानांत गिरायकांचे नदरेक पडटा अशे सुवातेर लावंक जाय.

माल विकतो घेवन दुकान सोडचेपयलीं गिरायकान आपणे घेतिल्ल्या मालाचें मोल आनी ताचेवयल्या थळाव्या करांची रक्कम आपणे जुस्ताजुस्त फारीक केल्या म्हणपाची खात्री करून घेवंक जाय.

हे संबंदी कसलेय तक्रारीखातीर उपकार करून वजन आनी माप खात्याच्या संबंदीत निरीक्षकाकडेन संपर्क सादात.

---

गोंय सरकाराच्या

## वजन आनी माप खात्याच्या नियंत्रकाची कचेरी

पणजी - गोंय

शिवरीत अनंत गंधधुंद हांसलो. जमनीवयल्या धव्याफुल्ल फुलांच्या गालिच्याक हांव पिशावरी पळयत आसतनाच परत सुकण्यान साद घालो.—
अे नि ऽ ऽ मा ऽ ऽ अे नि ऽ ऽ मा ऽ ऽ
– आज्जे गे ऽ ऽ, अे आज्जे ऽ ऽ

म्हडल्यान उले मारीत हांव घरा दिकेन धांवलें. आजी भियेवन वसय्यार आयली.

– कितें जालें गो ?
– आजे, तें कालचें सुकणें म्हाका मोडीत हांगा आयलां.

हांवें खरशेत सांगलें.

– येवं सायबिणी.
– आजे, पोरसांत यो. आजी सांग गे तें कमलें तें . . .

हांवें आजेक ओडलें.

– ह्या पावसांत भिजत ?
– सत्री घेवन यो.

हांवें काकुळटेक येत म्हलें. आजेन सत्री हाडली आनी आमी दोगांय जुये माटवाकडेन आयलों.

'अे नि ऽ ऽ मा ऽ ऽ' परतो उलो आयलो.

– आयकलो ? आजे, तुवें आयकलो ?
– ना मगो.
– ह्यँ ! म्हाका पामियेंसच नाशिल्लें. हांवें नदरेनच पानान पान कुशीन काडून सुकण्याक सोदचेलो यत्न केलो. इतल्यांत परत साद आयलो . . .
– आजे, आयक . . .

हांवें आजेचो हात ओडीत म्हलें. आजेन क न दिलो.

– हो किन्नर पक्षी मगो.

तिणे म्हलें.

– किन्नर ? यक्ष किन्नरांतलो ?
– हय.
– कितलो गोड गायता हय ?
– म्हणूनच तर ताका किन्नर म्हणटात. आनी मजा म्हळ्यार तो फकत पावसाळ्यांतच गायता आनी तोय बी पावस पडटा तेन्नाच ! ताजो सूर लागतलो जाल्यार पावसाची ओलसाण ताका भिजोवन वचची पडटा.
– खरें ऽ ऽ ?

म्हजें मन किन्नरांविशींच्या अजापान भरून गेलें. ताका पळोवचेली ओड लागली.

– कसो दिसता गे तो आजे ?
– सामकें सानुलें सुकणें तें. एका हाताचे मुठींत लेगीत बंद करुंक येतलें.
– इतलें व्हान ? म्हजे लेगीत मुठींत जातलें ?
– ब ऽ ऽ रें

आजी घरांत गेली. हांव मात थंयच रावलें. पावस मातसो शिडशिडतालो. किन्नरान आपालिपा खेळत शिळोणी घाली

– अे नि ऽ ऽ मा ऽ ऽ, अे नि ऽ ऽ मा ऽ ऽ
– अे, तू जावे ओपांत लिपला ?
– ना ऽ ऽ ना ऽ ऽ
– मागीर त्या दसणी फुलांत . . . ?
– ना ऽ ऽ ना ऽ ऽ
– कृश्णकमळांत तरी सेर्त . . . !

किन्नरान जापच दिली ना. मागीरचे दोन दीस सामको आमोर जालो. पावसा थेंबलेगीत झडलो ना. किन्नर दिसत हे आशेन हांवें पोरसूं भाट माड्डून काडलें. घडये दर्यावेळेर जंय म्हाका ताणे पयले फावटी उलो मारिल्लो थंय आसत म्हणून थंय गेलें. धव्यो फुल्ल दर्याच्यो जिबो रेवेंत हांगा थंय पडिल्ल्यो. हांवें त्यो पुंजायल्यो आनी तांचेर किन्नराचें नांव कोंरायत माडाक तेंकून बसलें. मामाल्या भुरग्यांक अशें भोवंक बी आवड नासलें. तीं 'आप्पड पाप्पड;' नाजाल्यार 'खांड्यानी;' 'अैस पैस' असलेच खेळ खेळटालीं. चडच जाल्यार आट फाट आनी कुटूंग्यांनी. पूण घरा लागसारच ! म्हाका तसले खेळ दोळचां दिश्टी नाक आसले. म्हणटकीर हांव सदांच एकलें पडटालें

सांज जायत आयली; पूण पावसय आयलो ना

With Best Wishes —

AMEY AGENCY

METAL MART

CURCHOREM - GOA

Phone : 366

Weading in : PRESTIGE PRESSURE COOKER

MIXER/GRINDER, STEEL, COPPER, BRASS, ALUMINIUU HINDALIUM.

# जी. आर. प्रभुगांवकार

सिवील कॉन्ट्रेक्टर

३ प्रदीप विल्डींग
तांबडी माती

**ताळीगांव गोंय** ४०३००२

आनी किन्नरान. माडार चडिल्ल्या रेंदराच्या कांतारांचे सूर पयसुल्यान वाऱ्यार हुबत म्हजेमेरेन पावले.

'ओ मो ऽऽगा ऽऽ, ओ मो ऽऽगा ऽऽ' त्या कातारांचे चालीर 'रे कि ऽऽन्नरा, ऽऽ, ओ कि ऽऽ न्न रा ऽऽ अशें गायत हांव आनीकय कांयवेळ थंय बसून रावलें. किन्नराचें नांव कोंरातिल्ल्या जिबट्यांची माडा मुळांत रास जाली.

घरा पाव जाल्यार सगळीं म्हाका मोदताली. मामा सामको तापिल्लो. म्हजेर नदर पडना फुडें रागान ताबडोच जावन ताणें म्हळें

– हाका कोठयेकुडींत बंद करून दवरात. फाल्यां कितेंय बरें वायट जालें जाल्यार ताईक कितें जाप दितलीं ?

आजेन म्हळें,

– तितल्यान कांय जावचें ना. म्हाका उपाशींच दवरतां. आलमपेट्टुचार कशें वचत थंय हेडटा. काळ वेळ पळयना.

तिणे म्हजे फाटीर धप्प करून धुमको घालो. म्हजे दोळे भरून आयले. पूण हांवें दुकां पोल्यार गळूंक दिलीं नात. खुंटो कसो वसन्यार उबें रावलें. सगळीं भितर गेलीं म्हाका कोणें 'भितर यो' म्हळें ... 'रेवेन भरिल्ले हातपाय धूय' म्हळें ना. शुभंकरोति म्हणूंक लेगीत म्हाका कोणें आपयलें ना. सगळीं आपापल्या कामाक लागिल्लीं.

वसन्यार कोण नासो पळोवन हांवें दोळे पुसले. हाताक लागिल्ली रेंब दोळ्यांत गेली. दोळे कसकसूंक लागले. व्हिस्तिदाचो गुठलो करून हांवें तो तोंडांत घालो. फू ऽऽ करुन उस्वास ताजेर सोडलो आनी तो गुठलो हून जातकीर दोळ्यांचेर धरलो. कसकस उणो जालो ना. वयल्यान व्हिस्तिदाक लागिल्ली रेंब तोंडातय गेली.

घरांतलीं सगळीं जेवलीं. एकेकलो वसन्यार आंवंक जेवंक लागलो ताजेवयल्यान म्हाका तें समजलें. त्याभायर दामू मुद्दाम धेंकर दीत वसन्यार बशिल्लो. पूण हांवें म्हाका भूक लागल्याशी दाखयलें ना. बऱ्या वेळान आजी आयली.

– कित्याक पुना असली पिशेपणा करता

अशें म्हणत तिणें म्हाका वेंगेंत ओडलें. येदोळ्यान आडाय्न धरिल्लो दोळ्यांबांध घस्स करुन फुटलो. आजेन म्हजे हातपांय धुले आनी म्हन्यांत वभोदन अपुरबायेन लायलें. म्हाका भूक लागिल्ली तरीकय जेवण चल्लें ना. ते रातीं म्हज्या स्वन्पांतलो किन्नर हुंडक्या हुडक्यानीं रडलो. म्हजेवरी !

सकाळीं जाग आयली तेन्ना भायर उटंगाराचो पावस पडटालो. हांव उठून जनेलाकडेन धांवलें. हारशाक नाक लावन भायर पळयलें. काळचा कुमानी मळब भरून गेल्लें. मायलें सारकें दिस्टीलेगीत पडनासलें रस्त्यावयल्यान उदकाचे व्हाळ व्हांवताले. झाडां पेडां ओलीं चिप्प जावन पिशावरी खुदतालीं. त्या दिसा आपसुकच आमकां सुटी मेळळी.

इतलो पावस पडटालो म्हळ्यार दीसभर किन्नर आयलो ना. म्हाका जाय तेन्ना तो येनासलो. ताका जाय तेन्ना येतालो. तिळमांज जातकीर कृष्णकमळी-कडच्यान उलो आयलो – 'अे नि ऽऽ मा ऽऽ'

– 'रे कि ऽऽ न्नरा ऽऽ' कांतराचे सूर याद करीत हांवेंय ताका उलो मारलो. खूप वेळ आमी गजाली केल्यो. काळोख जालो तसो केन्नातरी तो गप्प जालो. घडये थंयच पाना आड व्हिदुन पडलो आसतलो ... कोणाक खबर !

---

'चित्रंगी' क परबीं


अनील दळवी

एल. आय. सी. एजंट

साखरदांडे अपार्टमेंटस

डॉ. दादा वैद्य रस्तो

पणजी - गोंय ४०३००१

# THE VIRUSES SPEAK

1. WE ARE INNOCENT BUT
   MAKE YOU NOSY (RHINOVIRUSES-COMMON COLD)
2. WE ARE BEAUTIFUL BUT
   MAKE YOU UGLY (CHICKENPOX VIRUSES CHICKENPOX)
3. WE ARE ARTISTS BUT
   MAKE YOU FUNNY (MUMPS VIRUSES - MUMPS)
4. WE ARE QUIET BUT
   MAKE YOU ANGRY (ACUTE HEMORRHAGIC CUNJUNCTIVITIS-RED EYE)
5. WE ARE RADIANT BUT
   MAKE YOU COLD (CORONA VIRUSUS COMMON COLD)
6. WE ARE PALE BUT
   MAKE YOU COLOURFUL (HEPATITIS VIRUSES-JAUNDICE)
7. WE ARE SANE
   BUT MEKE YOU MAD (RABIES VIRUSES-RABIES)
8. WE ARE LAZY BUT
   KEEP YOU BUSY (ROTAVIRUSES-DIARRHOEA)
9. WE ARE PERFECT BUT
   MAKE YOU DEFECTIVE (RUBELLA VIRUSES-CONGENITAL DEFECTS)
10. WE ARE MYSTERIOUS AND
    MAKE YOU CURIOUS(INFLUENZA VIRUSES ! EPIDEMICS AND PANDEMICS)
11. WE ARE ACTIVE BUT
    MAKE YOU LAME (POLIOVIRUSES PARALYSIS)
12. WE ARE WINGLESS BUT
    REACH YOU FLYING (JE VIRUS ! TRANSMITTED BY THE BITE OF MOSQUITOES-ENCEPHALITIS).
13. WE ARE VICTIMS AND
    YOU ARE VICTORS (SMALLPOX VIRUSES ERADICATED FROM THE WORLD).

ISSUED BY :

**HEALTH EDUCATION BUREAU,**

**DIRECTORATE OE HEALTH SERVICES**

CAMPAL-PANAJI-GOA.

त्या पोरांळ्यांत म्हजी आनी ताजी दाट इश्टागत जमली. आमी अेकमेकांकडेन खूब खूब उलयतालीं. तो म्हाका पळयतालो आसतलो; पूण हांवें ताका केन्नांच पळयलो ना. ताज्या सुरावयल्यान ताजें सोबीत चित्र मात हांवें म्हज्या चिंतनानीं रंगयिल्लें. किन्नर म्हजे कडेन उलयतालो काय तोय म्हज्या चिंतनाचोच एक अविश्कार आसलो कोण सांगतलो? हांवे तरी त्या प्रस्नाची जाप सोदचेलो केन्ना यत्नच केलो ना. हाताचे बंद मुठींत जावपा येदया त्या व्हान सुकण्यान तेन्ना म्हजी पुराय जीणच व्यापून उडयली. तो म्हजेबांगडा हांसतालो, रडटालो. झगडटालो लेगीत.

फकत एक वर्स हांव मामागेर उरलें. मागीर परतें मुंबय पावलें. किन्नराक हांवे पळयलो ना पूण ताजे सूर यात म्हज्याबांगडा व्हेले उपरान्त मुटयेंत हांव जाय्ते फावटीं आजोळा गेलें पूण किन्नराचो साद म्हज्या कानार परतो आयलो ना म्हाका ताजो उगडास येन रावलो. ताणे सूर याद करीत हांव ताका म्हज्या दोळ्यांमुखार हाडटालें.

दोन गेले . . . म्हयने गेले . . . वर्सां गेलीं. गोंय पयस उरलें. जीण नव्यो वाटो चलत रावली. बायलांच्या आयुश्यांतले सगले सुखदुःखाचे खीण जियेतना किन्नराची याद पुसट जायत गेली. म्हाका कळनासतना म्हज्या मनाचे बंद मुठींत तो मोग्यानीं दमून राविल्लो. जिवो तटतटीत; जिणेचो. एक खीण कसो! पूण निद्रीस्त . . Dormant! यादी आड लिपून पावसा शिवराची वाट पळपत राविल्लेवरी!

पेपराचेर गावपी सुकण्याची खबर वाचली आनी सगल्यो यादी जशाक तशो दोळ्यांसामकार उबो रावल्यो. ता म्हजो किन्नर आमत हे आशेन म्हाका त्या प्रदर्शनाक बचचेली; ताका प्रत्यक्ष पळोवचेली ओढ लागली पूण मागीर दिसलें ताका प्रत्यक्ष पळोवचेली गरज आसा? ताच्या सुरांवयल्यान हांवें जें तांचें सोबीत सुंदर चित्र रंगयिल्लें तें ताची याद जिवी दवरंक पुरो ना? मुक्त उडचेली संवय आशिल्लो किन्नर पांजऱ्यांत बंद केल्लेकडेन गायतलो तरी? पावसाबगर? तांचें आनी सुरांचें नातें आसलें. आमचे इश्टागतींत 'नदर' केन्नांच आडखळ जाली ना. मागीर आतां तरी कित्याक जावची? ताणें सुरू केल्लो आपालिपाचो खेळ हांवें तरी कित्याक मोडचो?

म्हजे दोळे ओले जाले. घडये किन्नराचे यादीन आसत; घडये शेणिल्ल्या व्हानपणचे यादीन! मागीर मनांत कृश्णकमळीची वाल अळंग परमळूंक लागली. म्हज्या दोळ्यांतलो ओलो शिवर तिच्या पाना फुलांचेर वज्रा थिकां ओतूंक लागलो आनी पळयतां पळयतां म्हज्या मनांतलो पावसाची वाट पळोवपी किन्नर मनभुलोवणो साद घालूंक लागलो –

'अे नि ऽऽ मा ऽऽ, अे नि ऽऽ मा ऽऽ'

**


*With Best Wishes From :*

*Prince Drinks*

M. G. NAIK & SONS

*Phone No. 450 . . . . (Ponda)*
*284 . . . . (Ponda)*
*50 . . . . (Mardol Exchange)*

# काव्यांजली....

## जवाहराक नमन

जवाहरा हें तुका नमन
लोकनायका तुका नमन

भारत-भूंयचो यशा-तुरो
मनशा मजगतीं तूंच हिरो
तूंच शांतिचो शीतल वझरो
अखंड तूं यौवन

तुवें पेटयलें दुबळें रयत
सुल्तानाचेर जोडलें जैत
सानावांगडा ल्हान जावन रे
जोडलें तुवें व्हडपण

अशोक, अकबर, शिवबाजी
मेळुन घडली म्हूर्त तुजी
वीर कर्ण तूं, स्थीर कृष्ण तूं
धनुर्धारि अर्जुन

सत्य अहिंसा नीत तुजी
विश्व प्रीतिची रीत तुजी
उतरा कणकणीं तुज्याच घडला
भारत-भूंय दर्शन

— मनोहर सरदेसाय

## तुजे विणें रितें जिणें

रिमाचे दिवलेंतली
पर्जळती सोंपली वात
आयज सगल्या संवसारार
अकस्मात काळखी रात

उजवाडाच्या सूर्या देवान
आयज हाडली किर्णां काळीं
मनशांतलें 'माणिक' सोदूंक
दुख भोंवता जळींभळीं

वाऱ्यावांगडा धोलपी माड
आयज उबे मोने खांबे
पान लेगीत हालयनात
पणस, पिपळ आनी आंबे

रुखा रुखार दुका-सया
हुटके पानांचे गकणी
अकस्मात तुटलो आयज
धर्तरेचो म्हूर्त-मणी

शांतताये वावलें साळीक
सुकून गेले गुलावकळे
रडून रडून तारवटून
मळबाचे सुजले दोळे

भडभडून आयलें आयज
शांत हिन्द सागरा
कळवळून घेतलें वेंगेंत
मांडवीच्या मोगाळ ल्हारा

आयज शब्दब्रह्मांतलें
जालां एक उतर उणें
जवाहरा तुजेविणें
रितें रितें आमचें जिणें

— शंकर भांडारी

## उतर आमकां पाळचें आसा....

विश्वाच्या पोरसांतलें
परमळीत गुलाब ...
माणसुकेच्या दोळ्यांतलें
कळवळ्याचें दूक ...
भारताच्या रूखावेलें
पुण्यायेचें फळ ...
... अकस्मात गळ्लें ...

स्वतंत्रताये – मळबांतलें
तेजीश्ट नखेत्र
... अचकित निखळ्लें ...
आनी सारी रचली तेन्ना ...
क्रांतीच्या विचारांनी
उज्याक लासून गोबर केलो ...
स तपां झरिल्ल्या
चंदनाचो वास
वर्सासंकीं उरतलो वाऱ्यांत ...
पवित्र गोबराची पुण्याय

न्हंयो अभिमानान सांगतल्यो ...
जळामळा पावोवंक ती
थांबनासतना व्हांवतल्यो ...

... आनी शेतांत येतलें पीक ...
भांगराचें, वज्राचें
मोतयांचें, माणकांचें ...
कांबळी-फटचांत घडत दर्शन
जवान जवाहरांचें ...

कणसांच्या दाण्या पोटांत
बियेतली येवजण नवी
मातयेच्या कणाकणांत
जातली नवी शक्त जिवी ...
येतलें वारें उमेदिचें ...
दर्या-ल्हारार धोलतलें गा
तारूं शांति-शिडाचें

मोतयां-कणसांक फुटून कंठ
नवीं गीतां फुलतलीं
नवीं शेतां पिकतलीं
नवीं वतां फांकतलीं ...
घुमयत आवाज
रिगयत संदेश

जित्या जिव्या जवानांच्या
कानांत
कपलांत
काळजांत
अखंड जवानाचो
अभंग अध्यायाचो
महात्म्याचो, म्हापुरसाचो
जवाहरलाल नेहरूचो ...

जो उज्यांत करपलो
धा जाणांच्या सुखाखातीर
रगताची हूम करीत
जल्मभर तिश्टलो ...

तरी वतना सांगून गेलो ...
"अजून खूब करचें आसा
दिल्लें उतर पाळचें आसा."
अजून खूब करचें आसा ...?
दिल्लें उतर पाळचें आसा ..?
तूं खूब कश्टलो ...
युगां - युगां पावत इतलें
आमचेखातीर जोडून गेलो...

न्हिदतनाय जागलो तूं
जागे आमकां करून गेलो

आनी आतां ...

आमी उतर पाळचें आसा
रगताची हूम करून
वीं नवें घालचें आसा ...
क्रांतीचें गीत गायत
कणस वाऱ्यार धोलचें आसा ...

आमकां खूब करचें आसा ...
व्हांवत्या निळ्या झऱ्यावरी
संदेशाचें तीर्थ शिंपून
झुंजा - उजो पालोवचो आसा ...
गंगेचे व्हडविकायेन
गुलावांच्या परमळान
संवसाराचें सोबीत अशें
'शांतिवन' करचें आसा ...

आमकां खूब चलचें आसा
उतर आमकां पाळचें आसा ...

**– उदय भेंब्रो**



(संकलित)

# चिंगी १० वी कविता स्पर्धा १९८९

**पयलें इनाम :**

**विजया शिवानंद नायक कोमारपंत**

फोंडचां रावता. वारावी मेरेन शिक्षण केलां. संगीताची खूब आवड आसा. गोंय कला अकादमीच्या समूहगान (कोयर) ग्रुपांत आसा शास्त्रीय संगीताचें शिक्षण घेता. ताणीं कांय गीतां रचल्यांत आनी गायल्यांत. आकाशवाणीचेर कार्यावळी सादर केल्यात. फोंडचांत एक ल्हानसो उद्देग चलयतात.

**दुसरें इनाम :**

**उज्वला र. संजगिरी**

पणजेच्यो. बी. एस्सी. ही विज्ञान शाखेची पदवी घेतल्या. साहित्याची खूब आवड. कोंकणी साहित्याचें वाचन केलां. आकाशवाणी पणजेवेल्यान खूब कार्यावळी सादर केल्यात.

**तिसरें इनाम :**

**नीता उमेश नायक**

पणजेच्यो बी. एम्सी. बी. एड. शिकप जालां. सद्या सांताक्रूज हायस्कूलांत शिकयता. कोंकणीत तशें मराठींतूय लेखन केलां. वाचनाची खूब आवड आसा.

पयल्या इनामाची कविता

## सुख

सुख म्हजें सांडलें कशें
म्हाका कळ्ळें ना
सोदूंक गेल्यार तोपले कांटे
मातय दुखलें ना.

सुखाफाटल्यान धांवतां हांव
मातय थकलें ना
कुपां दोंगर चडलें तरी
सुख गांठलें ना.

पावसा येदें दुःख रे म्हजें
दंवा येदें सुख
सगळो दर्यो पार करून
सुख गांठूं शकलें ना.

दुखा दरयांत काळीज म्हजें
दुख गळ्ळें ना
सुख जेन्ना मेळ्ळें म्हजें
तारूण्य उरलें ना.

— विजया नायक

दुसऱ्या इनामाची कविता

## मायभूंय

भांगरा म्हज्या वांठाराचेर
मैमा राणये जडल्या प्रीत
पांचवोचार न्हेसून शालू
लागल्या करूंक कवतीक

कुकमा करंड उमतलो कांय ?
तांवडी जाली धरतरी
मळब चुमूक उबे माड
लागल्या ढाळूंक चंवरी

रूप्या राशी होंटीत घेवन
गीतां गायत व्हांवता न्हंयो
झगझगतात वस्ती कश्यो
धन्नीच्या आंगावेल्यो.

कुंवरी जुवान दर्यादेगो
रसमी शाली पांगुरती
हांसत्या दर्या हजार हात
मोतयां राशी शिंपडती.

मळबा निळ्या दोंगरांतल्यान
भांगरा वझरे कोसळटात
पांचवींचार शेतां भाटां
भांगर जावन लखलखतात.

घेतात वेंगेंत रूखावळी
गच्च दाट रानावनांक
दोंगर उबे राखण दिवंक
भांगरा म्हज्या वांठाराक

**– उज्वला आर. संझगिरी**



तिसऱ्या इनामाची कविता

## एक खंत

गेलो 'आदेऊस'
मार सलाम
भर बोल्सां
जाता काम
आतां ख्रिस्त, मागीर अल्ला
फाल्यां तोंडांत रामनाम.

मेळ्ळी सत्ता,
घाल तोपी
कातर रानां
उडय खोंपी.
कुंपणाचेर मार बसकण
आज हांगा, फाल्यां थंय.
कोणायच्या दी
पोटार पांय.
चड मेळ्ळे ?
आनीक जाय.
रगतां शिपून, जिवितां ओंपून
हीच मेळयली स्वतंत्रताय ?

— नीता नायक

उत्तेजनार्थ

## गहन विचारांत

आयज नवी पिडी वदलल्या
तिच्या कुसव्यांत
खूब फागूर फुटल्यात
ते आमी...
कातरून वडोवंक शकनात
दर दिसा...
तेंगशेर झोपय घेवन
तो रूख वाडयत आसा
आतां विचार करूनय अर्थ ना
आडांबो घालूनय
वाट थातारूंक शकना
हो काळूच असो आसा
कितें घडटा तें...
काळखांतच दवरून
गळीतगात्र जायनासतना
त्या प्रवाहांत व्हांवत वचत रावप
खंयतरी पयस पावतलो
ह्या गहन विचारांत.

— वासंती पालसरकर

उत्तेजनार्थ

## ही वाट

अटंग्या रानातली ही
काळोख बिण्ण
एकटुशी वाट
आतां म्हज्या पावलांक संवकळिची जाल्या.
हिस्त्र श्वापदांच्यो
वखवखिल्ल्यो नदरो
म्हज्या आंगांपांगांतल्यान. पार जातना
मळबाचे सांवळेकूय गेल्ली वेर
अदीकूच स्पश्ट जायत वता.
काळखाचो दाग मिरयत
म्हजें अस्तित्व निर्मितल्याचे हुंडके
काळजा मेरेन पावतात तेन्ना
होमखणात घालून घेतना
खिणभर,
जीव आकूळ - पिकूळ
तशें हांव सामकेंच एकटें ना तर !
तशी आजून खूब वाट उरल्या
दोंगराची तेंगशी निकतीच तर नदरेक गावल्या.
शून्यातल्यान विश्व घडोवपाची जीद्द
सपनांच्या दोळ्यांत घेवन
जैतिवंत पावलांनी फुडार तेळटाना
जंय - थंय अटंग्या रानाच्योच
खबरी चलतात
आनीं अनवळखी काळजां
म्हज्या पावलाचो वेध घेतात
हेंय कितें थोडें ?

**दीपा पै**

उत्तेजनार्थ

## म्हाका ना स्वतंत्रताय

म्हाका ना स्वतंत्रताय
ह्या संवसारांत
जिवीत म्हजें जालां
एका पांजऱ्यांतल्या सुकण्यावरी.

घर म्हजें व्हडलें आसा
टी. वी. रेडीयो, डेक आसा
पूण एकलेंच पळोवंक आयकूंक
बेजार येता.

बाग म्हजी व्हडली आसा
सोबीत रंगांचीं फुलां आसात
धोलपाक झोपाळो आसा
पूण कित्याक उपकारता ?

समाज हो फटकिरो
कोण कोणाचें चिंतता
खरेंच ह्या संवसारांत
म्हाका ना स्वतंत्रताय

**अजीमा रीक्स**

उत्तेजनार्थ

## तुजेच खातीर

तुजेच खातीर आसलें
खूब कितेंतरी उलोवचेलें
पूण नकसूद उतरांच  सांपडलीं नात

एकच गीत आसलें
तुजेच खातीर गावचेलें
पूण गीताक सूर लाबलेचनात
तुजेच खातीर सांबाळिल्लीं
तीं गुंथिल्लीं उतरांफुलां
पूण परमळ तुवें घेतलोच ना.

तुजेच खातीर आसलें
तें चित्र ल्हान चितारिल्लें
पूण रंगोवंक तूं आयलोच ना.
तुजेचखातीर आसलें तें
सोबीत कवन उतरायिल्लें
पूण तोखेवचें तुका दिसलेंच ना.
येवचें आसलें म्हाका तुजेलागीं
पूण वाट गावून गावलीना.

मनांत दडिल्लें म्होवाळ सपन
समजून कोणेच घेतलेंना
दोळ्यांत सांठलीं दुकांचीं कुपां
पूण पोल्यार एकूय गळ्लेंना.

**– स्मीता गोवींद हेदे**

उत्तेजनार्थ

## रांगोळी

आंगणांत रांगोळी घालूंक बसलें
तेन्ना सगळी रांगोळी घालतां घालतां चुकलें
कित्याक ?
मन सपनांची रांगोळी घालतालें.
आंगणातली चुकिल्ली रांगोळी, पुसतना याद जाली
अशीच एकदां
सपनांचीय रांगोळी पुशिल्ली
परत ती केन्नाच घालीना
घालपाचो यत्नूय हावें केलो ना
परतूय चुकत ह्या भंयान
पूण आंगणातली घालूंक कांयच भंय दिसना
परत चुकली जाल्यार –
म्हज्यान पुसून पुसून परत घालूं येता.
पूण सपनांची एकदांच घालपाक चुकली . . .
तरी चूक भोगसर परत घालीना.

**– सुफला कीर्तनी**

उत्तेजनार्थ

**भंय**

ती गरीब चली
झेलयत आंगार पावसाच्यो झरी
वाट आपली चलताली
वयार आयिल्ली कूड तिची
भिजून चिप्प जाल्या
कपडयाआड लींपत लीपत दडटाली.
जगावयले भामटे लाचार
दोळयांनी तिका भोगताले
तोंडार तांच्या बुरशीं उतरां
बायलमनशेक हीण लेखतालीं.
तीं उतरां आयकुपी
आनीक बायलो आशिल्ल्यो.
सगळचो मोन्यो !
तांतलें हांवूय एक
हाथांत सत्री आशिल्लें.
पूण आंग पांग म्हजें हुलपलें
मुस्कटार तांच्या एक एक लावन
करचीं तोंडां बंद तांचीं
पापी दोळे कोचून काडून
बुडोवचे म्हांवत्या उदकांत.
खिणाक मन चवताळ्ळें
तरीय हांव घट, झेलाबशेन जाग्यारूच वितळ्ळें
जाणा तुमी कित्याक ?
म्हज्या काळजांत एक भंय
म्हजें आनी ते चलयेचें नातें
हे भामटे लावचे नात मू ?

**– चंद्रलेखा नायक**

---

**परिक्षकांच्या मतान ....**

– बरयतल्यांक कवितेंतल्या माध्यमातल्यान कितेंतरी सांगपाचें आसा हें रोकडेंच कळटा.

– कवयित्रीक प्रोत्साहन, मार्गदर्शन तशेंच तांची तांक तांकां कळोवन दीवप गरजेचें आसा.

– कवयित्रींच्या कवितांचेर कोंकणीतल्या कांय कवींचो प्रभाव आसा हें जाणवता.

– ज्यांकां इनामा फावो जाल्यांत तीं होच सांचो वापरीत म्हण भिरांत आमा.

**– प्रा. नारायण भा. देसाय**

**– सोयरू वर्दे**

---

अपुरबाय
प्रकाशन

# पुस्तक विमोचन सुवाळे

## नियाळ

कोंकणीतल्या नवोदीत तशेंच जेष्ठ साहित्यिकांची पुस्तकां उजावाडाक हाडप आनी वेगवेगळ्या जाग्यांचेर तांचे विमोचन सुवाळे घडोवन हाडप असो दोट्टी वावर अपुरबाय प्रकाशन करीत आसा. हाका लागून भाशीक आनो साहित्यिक चळवळीक पोसवण आनी खासा बरोवप्यांक लोकां मजगतीं येवपाची संद मेळटा. अंदू वर्सा घडोवन हाडिल्ल्या विमोचन सुवाळ्यांचो हो नियाळ.

### कुडचडें : २६ फेब्रुवारी ८९

## 'जयंती नायकाचें गर्जन'

"खरें म्हळ्यार साहित्यरचना दादल्यान केल्या वो बायलेन केल्या हें म्हत्वाचें न्हय तर ती साहित्य रचना कशेतरेन उतरल्या हेंच पळोवप चड म्हत्वाचें. अशें जरी आसलें, तरी लेगीत एके बायलमनशेचो स्वतंत्र कथा संग्रह पुस्तक रूपान उजवाडाक येता ही नदरेंत भरपासारकी घडणूक थरता. कारण आमच्या समाजांत बायलांचे प्रमाण पन्नास टक्के आसलें आनी शिक्षणाचे नदरेन बायल सुशिक्षीत आसली तरी लेगीत सांस्कृतिक आनी साहित्यिक मळार आजवेर बायलां फाटीच उरल्यांत" अशें गोंय विधानसभेचे अपक्ष वांगडी आनी ज्येष्ठ कोंकणी कवी ॲड्. उदय भेंब्रो हाणी, कुडचडें हांगासर सांगलें. जयंती नामदेव नायक हांगेल्या 'गर्जन' ह्या पयल्या कथासंग्रहाच्या विमोचन समारंभांत मुखेल सोयरे ह्या नात्यान ते उलयतालें. तांचेच हस्तुकी पुस्तकाचें प्रकाशन जालें.

अपुरबाय प्रकाशन वळवय आनी कोंकणी कला साहित्य केंद्र कुडचडें हांच्या जोडपालवान हो विमोचन समारंभ नगरपालीका सभाघरांत घडोवन हाडिल्लो. कोंकणी

एकांकीकार श्री. अशोक कामत समारंभाचे येजमान आसले. आपणाल्या येजमानकी उलोवपांत ताणी सांगलें, "आदल्या काळार कोंकणीच्या निष्ठावान तरनाट्यांक जाणटेल्यांकडल्यान केन्नाच उत्तेजन लाबलें ना. कारण त्या काळावयले जाणटेले परंपरावादी आनी रुढीप्रीय आसले. पूण आज परिस्थिती बदल्ल्या.

साहित्य अकादेमी पुरस्कार जोडपी ज्येष्ठ कथाकार श्री. दामोदर मावजो हाणी 'गर्जन' पुस्तकाचेर आपणाले विचार प्रगट केले.

सुरवेक रजनी भेंब्रे हाणी सगळ्यांक येवकार दिलो जाल्यार पुस्तकाच्यो प्रकाशक हेमा नायक हाणी बायलांचें साहित्य उजवाडावपा फाटलो आपलो उद्देश स्पश्ट केलो. श्री. आनंद मंगेश नायक हाणी मानेस्तांची वळख करून दिली.

सभारंभांत नावाजते कथाकार श्री. एन. शिवदास हाणी आपली 'पोसको' कथा सादर केली जाल्यार शांता कंटक खांडेपारकार आनी वसंत भगवंत सावंत हाणीय आपल्यो कथा सांगल्यो. समारंभाचें सूत्रसंचालन शकुंतला आरसेकार हाणी केलें. श्री. शैलेश संजगिरी हाणी सोयऱ्यांक फुलांचे तुरे भेटोवन निमाणे उपकार मानले.

---

**वळवय : २५ मार्च ८९**

# कवी वेळुस्काराचो 'सावुल - सुरंगार'

"कालचीं दुखां, आयचे प्रश्न आनी फाल्यांचे हुस्के हातूंत घुस्मटपी म शांच्या चिरंतन दुःखाचें व्यक्त प्रतीक म्हळ्यार रमेश वेळुस्कारांची कविता." अशे विचार श्री. दत्ता दामोदर नायक हाणी उक्तायले.

अपुरबाय प्रकाशनाचे वतीन वळवय हांगासर श्री. वेळुस्कार हांच्या कवितांचेर आदारीत "सावुल - सुरंगार" कार्यावळींत "सावुलगोरी" काव्यसंग्रहाच्या विमोचन समारंभा वेळार ते उलयताले. आपल्या उलोवपांत ताणी फुडें म्हळें, "गिमाच्या रखरखत्या वोतांत मातयेचो रोस पिवून धव्याफुल्ल फुलांनी कुचकुचिल्लो चांफो फुलचो, पावसाचो सुलूस लागून धर्तरेच्या आंगांतलें तांबडेगुंज रगत पिवून रक्तफुलांनी थंकर फुलचो तसो श्री. वेळुस्कार हांचे कवितेचो रुख कोंकणी लोकगीतांचो रोस पिवूनच आपल्या आंगाखांदार हीं इतलीं चित्रविचित्र आनी रंगीबेरंगी फुलां फुलयत फुलता. आपल्या कवितांच्या रुपान ताणीं कोंकणी सरस्पतिच्या पांयांत मंजूळ गीताचें पांयजण बांदलां. आनी तांच्या हेर साहित्यावांगडाच "सावुलगोरी" वाचतकच तर दिसता, तांचे प्रतिभाशक्तित - एकमेवाद्वितय अशें अजरंवर जावपासारकें खंडकाव्या दिवपाची तांक आसा" अशें श्री. नायक हाणी सांगलें.

विमोचन समारंभाचे अध्यक्ष डॉ. तानाजी हळर्णकार हाणी "श्री. वेळुस्कार हो आपली पुराय जीण कविमनान जगपी सौंदर्यपूजक वास्तववादी कवी" अशें सांगून तांच्या वांगडा सारिल्ल्या कांय खिणांच्यो यादी काडल्यो. सुरवेक श्री. दिगंबर शिंगवाळ हांचे हस्तुकीं पुस्तकाचें विमोचन जालें. कवी श्री. रमेश वेळुस्कार हाणीय ह्या वेळार आपलें कवीमन उक्तायलें. अपुरबाय प्रकाशनाच्यो प्रकाशक हेमा नायक हाणीं येवकार दिलो जाल्यार ॲड. उल्हास पै रायकार हाणी कार्यावळिचें सूत्रसंचलन केलें.

उपरांत चान्न्याच्या उजवाडांत आनी

उकत्याशीतळ आनी मनभुलावण्या वातावरणांत "सावुल-सुरंगार" कार्यावळिचो दुसरो भाग सूरू जालो. ही कार्यावळ रात चडसर रंगली. हे कार्यावळींत शकुंतल आरसेकार हाणी श्री. वेळुस्कार हांच्यो कांय कविता गावन सादर केल्यो जाल्यार श्री. वेळुस्कार हांचेंय कवितावाचन जालें. उपरांत कवीलागीं जाल्ल्या वार्तालापांत हाजीर आशिल्ल्या साहित्यिकांनी आनी रसिकांनी उत्स्फूर्तपणान वांटो घेतलो.

---

**रामनाथी : ४ जून ८९**

# आर. रामनाथाची 'मळबरंगमाची'

"गोंयचे' विकास म्हणजे फकत बिल्डींगो उबारप न्हय, खणी खणप न्हय तर गोंयकारांचो विकास घडोवप. मनशाचे बुद्दीक वाव मेळटा अशें वातावरण निर्माण करप हें काम जशें सरकाराचें तशें समाजाचें. कलाकाराक उत्तेजन दीवन वयर काडप हें समाजाचें कर्तव्य. ही जबाबदारी समाज वळखलो जाल्यार ही भूय कलेचे बाबतींत अदीक समृद्ध जातली." अशे विचार कोंकणींतले जेष्ठ साहित्यीक आनी मडगांवचे आमदार ॲड. उदय भेंब्रो हाणी उकतायले. अपुरबाय प्रकाशनाचे वतीन बांदोडें हांगा आयोजीत केल्ल्या कवी श्री. आर. रामनाथ हांच्या 'मळबरंगमाची' पुस्तकाच्या विमोचन समारंभाबेळार ते उलयताले तांचे हस्तुकीं नव्या पुस्तकाचें विमोचन जालें. राजमाता पद्मावती राजे सौंदेकर हायस्कूलांत खासा शृंगारून तयार केल्ले मांचयेर हो समारंभ जालो. समारंभाच्या अध्यक्षपदार गोवा विद्यापीठाच्या विश्वकोषाचे कार्यकारी संपादक डॉ तानाजी हळर्णकार आशिल्ले. विमोचन समारंभाची तोखणाय करून ताणी म्हळें, "असले सुवाळे घडत रावले जाल्यार लोकांमदीं टी. वी. चें नसतें आकर्शण उणे जायत वतलें. तेखातीर साहित्यिकांनी यत्न करपाक जाय. अ.यच्या वरोवप्यांनी खास साधना करची, तपश्चर्या करची आनी त्या म्हालवजार व्हड जावंचे. तेचवरोवर फाटल्यांच्या कश्टांची देख घेवन फुडें वचप गरजेचें." असोय उपदेश ताणी नवोदीत बरोवप्यांक केलो. सुरवेक अपुरबाय प्रकाशनाच्यो प्रकाशक हेमा नायक ह णी जमिल्ल्यांक येवकार दिवन अपुरबाय प्रकाशनाच्या वावराची माहिती दिली. बाय सोबीता मावजो हाणे मानेस्तांक फुलांचे तुरे भेटयले. नाटयदिग्दर्शक आनी समीक्षक ॲड. प्रकाश थळी हाणी उजवाडायिल्ल्या पुस्तकाचेर आपलें उलोवप केलें. कवी आर. रामनाथ हाणी ह्या समयार काव्यपूर्ण शैलींत आपलें मनोगत व्यक्त केलें. समारंभाचें सूत्रसंचलन शकुंतल आरसेकार हाणे केलें. ह्या समारंभाक जोडून कवी आर. रामनाथ हांगेल्या कवितांचेर आदारीत 'काव्यदर्शन' ही संगीतमय कार्यावळ श्री. रमेश सखाराम बरवे हांच्या सूत्रसंचालनाखाला जाली. हातूंत श्री. रामानंद जोशी हाणी वेंचीक काव्यरचना, सुरेल आवाजान गावून रसीकांकडल्यान दाद मेळयली. श्री. दामोदर हेदे हाणी तांका तबल्याची साथ दिली. श्री. अजित केरकार आनी रामदास नायक हाणी कांय कविता प्रभावीपणान म्हणून दाखयल्यो.

# पुंडलीक नायकांचें 'अर्दूक'

कोंकणी अस्मितायेखातीर चालू आशिल्ले भाशीक चळवळींत सक्रीय वांटो घेवन लेगीत आपणाले सर्जन शीलतेक जाणी खंयच आडखळ येवंक दिलीना, अशे लेखक म्हळ्यार श्री. दामोदर मावजो आनी श्री. पुंडलीक नायक अशे उद्‌गार 'सुनापरान्त' चे संपादक आनी आमदार ॲड्. उदय भेंब्रो हाणी मडगावा काडले. श्री. दामोदर मावजो हांगेल्या 'रूमडफूल' आनी श्री. पुंडलीक नायक हांगेल्या 'अर्दूक' कथासंग्रहाच्या विमोचन समारंभात अध्यक्ष ह्या नात्यान ते उलयताले. हो विमोचन समारंभ अपुरवाय प्रकाशन वळवय आनी राजहंस वितरण पणजी हांच्या जोडपालवान नगरपालीका सभाघरांत जालो.

रेव्ह. फादर मार्टिन नोरोन्य हांचे हस्तुकीं नव्या पुस्तकांचें विमोचन जालें. आपणाल्या उलोवपांत ताणी सांगलें, "उदरगतीक पावित्ल्या हेर देशी आनी परदेशी भासांमदीं विचारांक पोसवण दिवपी साहित्य-निर्मणी जाता त्याच पावंड्यांचें साहित्य कोंकणीतले नागरी लिपयेंत तयार जाता." समारंभाक मुखेल सोयरे म्हण प्राचार्य देविदास व्ही. बोरकार हाजीर आसले. कोंकणी भाशेचे गिरेस्त उतरावळीचो देख दिवन ताणी मुखार सांगलें, ललित साहित्यिकांक स्वभाशेंतल्यान साहित्य-निर्मणी करताना जें समाधान लाभता तें दुसऱ्याच्या भाशेंतल्यान बरोवन लावूंक शकना.

सुरवेक वाय जयती नायक हाणी सगळ्यांक येवकार दिलो. वाय संगिता किर्तनी हाणी सोयऱ्यांक तुरे भेटयले प्रा. श्याम वेरेंकार हाणी नव्या पुस्तकांची वळख घडयली. श्री. दामोदर मावजो आनी श्री. पुंडलीक नायक हाणी आपणाल्या पुस्तकांच्यो प्रती कोंकणीतले ज्येष्ठ वावुरपी श्री. बाबय वेरेंकार आनी श्री. नारायण मावजो हांकां भेटयल्यो.

उपरांत श्री. श्रीधर कामत बांबोळकार हाणी दिग्दर्शीत करून सादर केल्ली 'कथादर्शन' ही कार्यावळ जाली तातूंत श्री. पुंडलीक नायक नायक हांगेली 'अर्दूक' आनी श्री. दामोदर मावजो 'सदानंद' ह्यो कथा आशिल्ल्यो हे कार्यावळींत श्री. बांबोळकार हांच्या बरावर सर्वश्री अजीत केरकार, दिलीप ढवळीकार, प्रवीण बांदोडकार, अरूण काळे, अशोक नायक, शशिकांत नागेशकार, कुमार वझे, कु. सुकांती गावडे आनी कु. विनंती कांसार हाणी वांटो घेतलो. कथादर्शनाच्या ह्या नाविन्यपूर्ण सादरीकरणांक प्रेक्षकांनी उत्स्फूर्त दाद दिली. कार्यावळीचें सूत्रसंचलन कोंकणी लेखक श्री. एन. शिवदास हाणी केलें आनी श्री. प्रभाकर भिडे हाणी उपकार मानले.

## कथा शिबिर

सकाळच्या आदेसाक दामोदर विद्या-भुवनांतल्या कोंकणी भाशा मंडळाच्या ग्रंथालय हॉलांत कथाकारांचे एक शिबीर जालें. पयल्या सत्रांत कोंकणीतल्या वेंचीक सात कथांची निवड प्रा. हरिश्चंद्र नागवेंकार हाणी केल्ली. हातूंत शणै गोंयबाब, चंद्रकांत केणी, दामोदर मावजो, मीना काकोडकार, पुंडलीक नायक, महाबळेश्वर सैल आनी जयंती नायक हांच्या अनुक्रमान 'म्हजी वा खंय गेली,' 'ओलीं पांखां,' 'सदानंद,' 'सुकण्या पिला रे,' 'पारज,' 'पुनर्जल्म' आनी 'गाराणे' ह्या कथांचो आसपाव आसलो. कथावाचना उपरांत चर्चा जाली.

दुसऱ्या सत्रांत प्रा. हरिश्चंद्र नागवेंकार हाणी 'कोंकणी कथेच्या विकासाचे पावंडे' हया विशयाचेर आपलो पेपर वाचलो. कार्यावळीचें अध्यक्षपद श्री. दत्ता दामोदर नायक हाणी चलयलें उपरांत कथाकार, कथासमिक्षक आनी वाचक हांचेमदीं मेकळी चर्चा जाली. चर्चेंत कांय मुद्दे सुखार, आयले-आयच्या कथाकरांनी थरावीक साच्याच्यो कथा वरय-नासताना ताच्यामुखार घडटल्या घटनांक विशयाचे नदरेन प्राधान्य दिवन ताणी वैशिष्ठ्यपूर्ण कथा वरोवच्यो अशी एक सुचोवणी आयली. गोंयचो इतिहास, बाटाबाटी, गोंयकारांचे स्थलांतर, पर्यटन, पर्यावरण, उद्देगीकरण आदि विशयांक आमच्या कथाकारांनी जायतसो स्पर्श करूना म्हण कांय समिक्षकांनी खंत परगटायली. नवोदित कथाकारांनी पयली आपणाच्या स्वतःच्या आनी भोंवतणच्या अणभवांक कथारूप दिवंचें तर प्रस्थापीत कथाकारांनी दुसऱ्याले अणभव आपणे केळोवन आव्हानात्मक कथानिर्मणी करची असो सूर चर्चेंतल्यान आयलो.

हे चर्चेंत श्री. नंदकुमार कामत, डॉ. तानाजी हळर्णकार, ॲड. प्रकाश थळी, श्री. रमेश वेळुस्कार, श्री. कमलाकर म्हळशी, श्री. महाबळेश्वर, सैल, श्री. रमेश लाड, सौ. दिपा मुरकुंडे, श्री. वसंत सावंत आदि बरोवप्यांनी वांटो घेतलो. सूत्रसंचलन जयंती नायक हाणी केलें.

---

**पणजी २० ऑक्टोबर ८९**

# नागेशबाबांचें 'वंशकुळाचें देणें'

"लळीतक सारक्यो कार्यावळी घेवन कोंकणी गांवागांवांत पावोवपाक नागेश करमलींचो मोलादीक वांटो आसा." अशीं उतरां कोंकणीतले कवी आनी साहित्य अकादेमी पुरस्कार विजेते श्री. प्रकाश पाडगांवकार हाणी काडलीं. अपुरवाय प्रकाशनान आयोजीत केल्ल्या श्री. नागेश करमली हांच्या 'वंशकुळाचें देणे' कवितासंग्रहाच्या विमोचन सुवाळ्यावेळार ते उलयताले. पणजेच्या कला अकादेमी थेटरांत हो सुवाळो जालो. तांच्याच हस्तुकीं पुस्तकाचें विमोचन जालें. आपली खोस उकतावन ताणी फुडें म्हळें, "आमचेबरोबरची पिळगी वयर सरपाक नागेश करमलीच कारण तांचें रीण अशें फारीक जावपाचें ना." सुरवेक रजनी भेंब्रे हाणी येवकार दिलो. नव्या पुस्तकाची वळख करून दितना कवी श्री. रमेश वेळुस्काक हाणी म्हळें, "नागेश करमलीचे कवितेचो प्रवास चालू आसा तांचे कवितेन नवें मोड्ण घेतलां. मूळ कवी बंडखोर, पूण तांची आयची कविता वदलल्या. कवी श्री माधव बोरकार हाणी 'नागेश करमलीची कविता' हाचेर उलोवप केलें. आपल्या उलोवपांत ताणी म्हळें "बाकीबाव आनी नवी पिळगी हांचेमदलो दुवो म्हळ्यार नागेश करमलीची कविता. आशय, तंत्र हे बाबतींत नागेशाची कविता वेगळी. ही कविता मूळां सोदता, समाजाचो सोद घेता, आत्ममग्न रावना, भायर पळयता." विमोचन सुवाळ्याच्या अध्यक्षपदार कोंकणी साहित्य यात्रेचे प्रवर्तक श्री. गुरूनाथ केळेकार आशिल्ले. आपली आनी नागेश करमलीची लागींची इश्टागत हाचें वर्णन करून श्री. गुरूनाथ केळेकार हाणी सांगलें "सुटके झुजांत पडटकच 'बंदखण' ही युनिवर्सिटी जाली आनी थंय नागेश करमली कोंकणी विषयांत तयार जालो." तांच्या बावराचे गौरव करून ताणी फुडें म्हळें, "नागेश एक निखटी व्यक्ती न्हय, तर ती एक शक्ती." कवी श्री. नागेश करमली हाणीय आपलें मनोगत व्यक्त केलें. चळवळींत पडतमान जी परिस्थिती वांट्याक आयली, तेंच लेखांत आनी कवितांत प्रगट जालां अशें ताणी म्हळें. अपुरबाय प्रकाशनाच्यो प्रकाशक हेमा नायक हाणी रंगळचांचे उपकार मानले. श्री. सोयरू बर्दे हाणी कार्यावळिचें सूत्रसंचलन केलें.

बांदोडें १० सप्टेंबर ८९

# दत्ताराम बांबोळकाराचो 'वनमहोत्सव'

"कोंकणी भाशेची चळवळ चलोवपी तिचे समर्थक हे आयजवेर निःस्वार्थीपणान वावुरल्यात. 'बोली' म्हण हिणसावपी कोंकणीक ताणी स्वतंत्र भाशेची व्हडवीक जोडून दिवन आतां तिका राजभाशेचोय मान मेळोवन दिला आनी आतां संविधानाचे आठवे वळेरेंत कोंकणीक सुवात मेळोवपा खातीर सगळ्यांनीच वावुरपाची गरज आसा" अशे विचार गोवा प्रदेश कॉंग्रेस (आय) च्यो अध्यक्षा आनी आमदार श्रीमती सुलोचनाताई काटकार हाणी ता. १० सप्टेंबर ८९ दिसा महालक्ष्मी बांदोडें हांगासर प्रगट केले. नवोदित कोंकणी वरोवपी श्री. दत्ताराम दामोदर कामत बांबोळकार हांगेल्या 'वनमहोत्सव' ह्या पयल्या एकांकी संग्रहाच्या विमोचन समारंभांत अध्यक्ष ह्या नात्यान त्यो उलयताल्यो.

कोंकणीतले नामनेचे कथाकार श्री. दामोदर मावजो हांचे हस्तुकीं पुस्तकाचें विमोचन जालें. "कोंकणी नाटचाची परंपरा जाणी निर्माण केली त्या कोंकणी नाटककारांच्या वावराचो ताणी 'पुरूषार्थी वावर' म्हण गौरव केलो आनी ते परंपरेंत लेखक श्री. दत्ताराम बांबोळकारांचो आस्पाव जाता अशें सांगलें. जवाहरलाल नेहरूजींच्या जल्मशताब्दी सभारंभाचो एक भाग म्हण भारतीय भासांतल्या नाटकांचो महोत्सव दिल्लीक जावपाचो आसा पूण तातूंत कोंकणी नाटकाचो आस्पाव ना म्हण ताणी खंत उक्तायली.

प्रा. नारायण भा. देसाय हाणी पुस्तकाचेर उलोवप करून पुस्तकाची वळख घडयली. खासा बरोवपी श्री. दत्ताराम बांबोळकार हाणी आपणालें मनोगत व्यक्त केलें. श्री. संदेश वझे हाणी गायिल्ल्या ईशस्तवनान कार्यावळीक आरंभ जालो. सुरवेक अपुरबाय प्रकाशनाच्यो प्रकाशक हेमा नायक हाणी सगळ्यांक येवकार दिलो विमोचन समारंभांत 'वनमहोत्सव' आनी 'मायपास' ह्या एकांकीचे वेंचीक भाग थळाव्या कलाकारांनी बरे तरेन सादर केले. कार्यावळीचें सूत्रसंचलन वाय विनंती कासार हाणी केलें तर बाय शकुंतल आरसेकार हाणी उपकार मानले.


**THE GOA URBAN CO-OPERATIVE BANK LTD.**

*HEAD OFFICE*

**PANAJI – GOA**

*W I S H E S*

Its Share-Holders, Depositors and Constituents

*A VERY HAPPY DIWALI*

We offer maximum interest on Deposits 11% p. a. for two years and above

A N D

Grant all types of loans and Advances at maximum rate of 16 1 2% p.a.

: BRANCHES :

**PANAJI - MARGAO - PONDA - CURCHOREM - VASCO DA GAMA - ASSOLNA ST. ESTEVAM - CAVELLOSSIM - MARKET (ST. INEZ) PANAJI - MALA (FONTAINHAS) PANAJI - PORVORIM - NAGORCEM (CANACONA) - BAINA (VASCO DA GAMA) - HEAD OFFICE BRANCH (PANAJI) MAPUSA .**

*" We take pride in being partners in your progress and prosperity ".*




# सपन

जयंती नायक

"ना----! ना----! ना ऽऽऽका!" न्हिदेंतच श्रीमतीन व्हडल्यान किळाच मारली आनी तें फडफडीत हांथुणार उठून बसलें.

ताच्या हातापायांक कांपरी भरिल्ली. सगळ्या आंगाक घडघडीत घाम फुटिल्लो. वोंठ सुकिल्ले. हुडें इंचभर वयर पासलां मारतालें. सुटिल्ल्या सोशेंवणेन ताका आपलें काळीज तुटून पडटा कांय दिसतालें.

कांय खीण हेच अवस्थेंत गेले आनी मागीर श्रीमतीन ल्हवूच दोळे उगडले. आनी----आनी आपूण किट्ट काळखांत घुस्पलां तें पळोवन परतून एकदा ताणें व्हडल्यान किळांच मारली. किळांचेचीं ल्हारां कुडिच्या वण्टीचेर आदळून ताचे कितकेशेच आवाज जाले आनी परतून ताच्याच कानाच्या पडद्याचेर येवन आपटले. तेबरोबर भयान ताणें आंगाची कुरंगुटी केली.

भायर दडकांनी पावस बडवतालो. ताचो "रोव, रोव" करून येतलो आवाज श्रीमतीक भेट्टायतालो. रडटल्या रातकिड्यांचो किरकीर ताच्या आंगार कांटो फुलयतालो.

"हावें पळयला त्या सपनाचो अर्थ कितें? कित्याक फाट घेता तें म्हजो? कसलो खेळ हो म्हज्या मनाचो?"

श्रीमती आपल्याकच प्रश्न करीत रावलें.

सतत तीन राती! पयर काल आनी आज! आज म्हळ्यार आत्तां! कांय मिनटां पयली त्या

Kenny's
MARÃO
WASHING SOAP



मेसर्स के. डब्लू. केणी

मालक : **मारांव सोप फॅक्टरी**

करंजाळें - गोंय

*With Best Wishes From :*

# JAIWANT STEEL INDUSTRIES

*Manufacturers of :*

Rolling Shutters, Steel windows,
Storage Vessels, Equipment etc.
Structural Fabrication Erection Engineers

*Factory : Plot No. 4*
*Zigdimol*
*CURTI, PONDA GOA*
*403 401*

सपनान जीव खापावीस केला. किन्याक ? कित्याक मनावेंक लागला तें सपन ?

श्रीमतीचो डाळो सरांकडे आयलो. आपल्य क उदकाचो सासकी गरज आसा म्हणपाची ताका खरशेवन जाणीव जाली

लंवणटल्या पावलांनी तें काळखांत लायटीच्या बटणाकडेन गेलें. थरथरटल्या बोटांनी ताणें लायटीचो बटण "ऑन" केलो. टक्क असो आवाज जालो पूण काळोख मात तसोच उरलो. अप्प कशन ताका याद जाली, तीन दीस जाले. गांवांत कोणाकूच लायट ना. पयरच्यान जातल्या झोडमोडान लायटीच्या सरयांचेर झाडां मोडून पडून कनेक्शन तुटलां.

तें तशेंच फाटीं आयलें उज्यापोंका हात घालून ताणें फस्क काडलें, आनी फस्का काडी मारली. एक दोन तीन चार आख्खें फस्क श्रीमतीन रिकामें केलें, पूण पावसान शेळेल्ल्या फस्काची एकूय काडी पेटली ना. आदींच पडिल्ल्या सपनान जीव कासावीस जाल्लो. श्रीमतीचो जीव फस्काच्यो काडयो मारता मारता अदीकच गोळाक लागला.

रिकामे जाल्लें हातांतलें फस्क श्रीमतीन भिरकावन मारलें आनी तें तशेंच काळखांतच रात्रीकडेन वचपाक वळ्ठें.

– म्यां ऽऽऽव ऽऽ !

– आ ऽऽऽ आवय गे ऽऽऽ !

श्रीमती हिन्नळळे. णव म्हयन्याचें मरिल्लें पोट लाकडाच्या हुमन्यार घडु करून आपटलें.

बीण काळखांत दोळे फोडून श्रीमती पळयतालें. कीट्ट काळखाचो पडो फोडून श्रीमतीचे नदरेक कांयच दिश्टी पडनाशिल्लें. उमाशेंची मध्यान रात काळ्या कुशीं दाटिल्ली.

दोळे लेगीत फुटूंक नाशिल्ल्या त्या माजरा पेटचाचो फडफड आनी गळ्याच्या सांखनळेतल्यान येतलो निमाणो हुंकार कानाक जाणवपाचो बंद जालो आनी श्रीमतीच्या सगळ्या हातापायांक जणू गुळे आयले.

पयरूच हो मांजरान पेटो काडिल्लो तो . . . तो हे कुडीच्या हुमन्यासकल कसो आयलो ? घडये --- घडये मांजरीनच हाडून वडयलो आसतलो तो हांगा. कसली आवय ? आपल्या हातानच आपल्या पोराक ना केलो.

हळूहळू हातांचेर भार दीत कडकडटल्यात आपल्या पायांचेर ताणे आपली कूड उबी केली.

अदींच हातापायांक मुटिल्लो थरथर आतां अदीकच वाडलो. मन अदीकच भिरांकूळ जालें. ताळ्याक अडिल्ले कांटे आता काळजामेरेन तापू लागले. पूण आतां उदक पियपाक जाय हाची ताका यादूय उरलीना. झेलपटल्या ताच्या पावलांनी आतां खाट सोदली आनी तिचेर चालून घेतलें.

पोटांतल्यान असह्य अश्यो हुशारांनी कळो येताल्यो. भितरली आंतकोड्यान आंतकोडी कोण तरी वांडून काडटा असो ताका भास जालालो. मगभर ओंजें माथ्यार घेतिल्लेबाशेन तकली मेरेल्ली.

– आवय ... गे ! ... आवय गे देवा ! आवय ? खंय आसा आवय ? कोणें पळयल्या तिका ? जल्माक घालूंक आवय बापूय लागता म्हण आवय बापूय आशिल्लो म्हणपाचें नाजाल्यार तांची सावळीय केन्ना पळयिल्ल्याची याद जायना ... मूळ नक्षत्रार जल्मल्लें म्हूण आवयन बापायन आपलो जीव वाटावपाक जल्मच्या दुसऱ्याच दिसा दुसऱ्याक काडून दिल्लें. मागीर जितें आसा कांय मेलें हाजीय केन्ना वासपूस केली ना.

जिणेचीं सतरा वर्सां ह्या घरांत ह्या एकमुऱ्या मळार घुस्मटून काडली सदांकाळ मनात एक विचित्र भय. एक अनामीक थरथरो.

लोकांक सांगतना "काका" म्हणटालें ताका पूण तोंडान केन्ना "काका" म्हण उलो मारलो ना. नदर पडटांच भियेल्ल्या सोंशावरी जीव जातालो. कितेंय सांगूक तो म्हऱ्यांत आयलो तशें आंग आपुणशेंच आखडून येतालें. ताच्या त्या भयानक रुपाचो, अंगडबंब देशाचो भुरगेंपणासाकून धसको घेतिल्लो मनान.

तिनित्रिकाळ मनार आशिल्ल्या ह्या चेंपणान सगळो सभावच विचित्र जालो. केन्ना कोणाकडेन मन सोडून उलोवप जमलेंना पोटभर हांसप जमलेंना. विस्कोल सगलें मोनेळांतूच सोंपलें.

पोटाक फाटीक केन्नाच कांयच कमी पडलेंना. तोंडान कितेंय जाय म्हणपाचीय गरज भासलीना. घडये रगताचो आवय बापूयच इतके दिवकं शकचो नासलो मुरगेपणांत न्हाणोवप, धुणोवप विणी-फणी सगळें ताणेंच आपल्या हातान केलां.

हालीं हालीं ताजी नदर मात विचित्र जाल्ली.

पळयतना न्हय न्हय त्या जाग्यार दोळे थिरावताले ताणें तशें पळयलें म्हण्टकीर हड्डें आपुणशेंच धडधडालें. नदर नकळत भिरांकूळ जाताली.

त्या दिसा रातचो तो पसरो बंद करून आयलो तोच वेगळचा मुडांत – बाडूं म्हण विचारिल्ल्या प्रश्नाक जाप करनासतना तो वचून आपले कुडींत न्हिदलो हावेंय परती जाप केली ना. मॅट्रीकेची परीक्षा लागीं पाविल्ल्यान मोन्यानी वचून अभ्यासाक बसलें.

हांथूणार आड पडून वाचतां वाचतां केन्ना दोळो लागलो तें ताका कळ्ळेंच ना. आनी ... आनी अकस्मात न्हिदांतच न्हिनळ्लें. दोळे उगडून पळयत जाल्यार तें तें ताचे वेंगेत पुराय घुस्मटलां. ताणे सुटपाचो जायतो यत्न केलो पूण व्यर्थ !

जेन्ना सुटलें तेन्ना कसल्यो तरी भिरांकूळ कळो मस्तकाक मारताल्यो. मागीर त्यो कळो सदांच्योच जाल्यो. जेन्ना तो म्हज्यांत येताली तेन्ना विरोध करपाक ताचेकडेन शक्तच उरनाशिल्ली. ताचेर नदर पडटांच ताची भयांन गुळी जाताली. पयलींच तोंडार मोनेळ पडिल्लो, आतां सदांखातीर वाचा गेली.

आनी एक दीस ताका जाणवलें आपल्या पोटाचो आकार वाडटा. ताकाय तें समजलें आमतलें दोग तीग जाणांक घेवन तो एक दीस घरांत भितर सरलो. तांतलो एक भट आशिल्लो.

आपल्या पापाचेर ताणें लग्नाचें पांघरूण घालें, पूण मनांतलो म्हेळ खंय वतलो ? ह्या घराची, ताजी आतां सामकी कोळस येवंक लागल्या. रातीचें नाव काडटनाच तर गळचाकडेन व्रोंकारे येतात. तीन दीस जाले, जिवाक मात्सो सुशेग. तो मुंबय गेला कसल्यातरी कामाक. वादळी वाऱ्यान बसी बंद जाल्ल्यान आडोवन उरला.

जिवाक तितकोच सुशेग ! सुशेग ? खंयचो ? तीन दीस जाले तकली सामकी मेरेवन आसा. तें सपन सतत तीन दीस साकून फाट घेवंक लागलां. न्हिदूंक दिना जेवूंक दिना उठूंक दिना बसूंक दिना.

याद काडटनाच सपनांतलें तें चित्र तशातशें परतेंय ताच्या दोळ्यांमुखार दिसूंक लागलें. श्रीमतीन कच्च करून आंग काडलें.

आपल्या दोनूय मांडयांच्या मदीं रगताच्या


*With Best Wishes From :*

**PENTAGON**

**ENGINEERING INDUSTRIES**

Plot No. 29/30
IDC Industrial Estate, Bethora
Ponda - Goa 403 401

**Mfr. of Press tools & Dies, Components, Plastic Moulds Inj. Moulded parts & M/C Components**

कोणांनी एक अर्भक पडलां ताजी वास्तव आजून आपल्या पोटांत आसा. अर्भक मारकें रंग रूप घेवन जल्माक आयलां.

पळयतां पळयतां तें अर्भक वाडटा, व्हड जाता इतकें व्हड जाता ताची पळयतां पळयतां पाडमाक तकली तेकता -- तें भियेतां भियेवन उठ्ठक पळयता इतक्यात तें अर्भक पयसुल्ल्यानच ताचे हात लाब करता ताचे हात दिस्तूच न्हेसणाक पडटात. दोळ्यांत विचीत्र रंग फुलतात.

ताचें न्हेसण हळू हळू सुटत वता तें किंळाच मारतां.

– ना ! ना ! नाका

एक व्हडली कळ श्रीमतीच्या मस्तकाक आयली आनी बरोबर आपल्या पोटांत एक व्हडलो फोंड पडिल्ल्याचो श्रीमतीक भास जालो. खिणभर जीव तंग जालो.

उ ऽ ऽ ऽ आ ऽ ऽ ऽ

आवाज कानामेरेन पावतनाच श्रीमती आसा त्या नेटान खाटीर उठून बसलें. कमरांतल्यान असह्य अश्यो कळो मारतात्यो. पूण ताका ताचें मान नाशिल्लें. ताची नदर थिरावल्ली आपल्या दोनूय जांगडांमदी रगताच्या खाडोमदी पडिल्ल्या त्या अर्भकाकडेन तें दोळे मोठ्ठे करून पळयतालें. किट्ट काळखांतूय ताका स्पश्ट दिसतालें.

मारको ताचेचबशेन काळो दिट्ट वींठाक पडिल्लें भाण तोंडार देवीच्यो मावो सारकें ताचेंच रंगरूप ताच्याच विर्याचें बी !

नियाळटां नियाळटां श्रीमतीक दिसलें ताचो आकार वाडूं लागला . . . तो व्हड जावूंक लागला . . .

तें भिये तें मुकार कितें घडटलें हे कल्पनेन खामावीस जालें.

"ना, ना, ताका वाडूंक दिवूं जायना . . . ताका येन्नाच ना करूंक जाय . . . नाजाल्यार नाजाल्यार तो आपल्या आवयचेरूच बलात्कार करतलो."

श्रीमतीचे दोनूय हात ताच्या गळ्या भोंवतणी पडले आनी आसा त्या फोर्सान आंवळत गेले

श्रीमतीच्या हातांतली मान जेन्ना सुटिल्ली, तेन्ना रगताच्या कोणांनी ताची स्वताची मान आड पडिल्ली.

**

---

Acceptance, love and nurture nourishment for his body stimulation for his mind.
Every mother wants to provide all these.
Yet she can always do so.
Poverty and privation.
Sharing the burden of earning for his family lacking the health or energy on being in a remote area.
These and other related factors hinder her mothering.
In such cases, Government intervention with suitable aid is required.
Integrated Child Development Service is the pledge made by the Nation and is being fulfilled through the Integrated Child Development Services Projects set up in the State.

*Issued by* : **Directorate of Social Welfare,**
18 th June Road, Panaji - Goa.

# SALGAOCARS

## PROUD OF THE PAST - POISED FOR THE FUTURE

From a modest beginning three decades ago, Salgaocar have grown and diversified to encompass a wide range of activities - from Mining and Export of Iron ore to Shipping, Barge Building, Industrial Gases, Chemicals, Engineering, Hotels and Travel.

Salgaocars - an organisation synonymous with the industrial growth of Goa.

**V. M. SALGAOCAR & BRO. LTD.**

Salgaocar House
Vasco da Gama
GOA - 403 802

| Grams : | Phones : | Telex : |
|---|---|---|
| VIMSON | 2111 (4 lines)<br>3241 (3 lines) | 0191 211;265 |

*Offices at :*

• BOMBAY • NEW DELHI • BANGALORE

# पंचायती राज्य

## सर्वांगीण विकास व आत्मनिर्भरता साधण्यासाठी

स्वातंत्र्यप्राप्तीनंतर पंचायती राज्य पद्धतीचा अवलंब हे गांधीजींचे ध्येय होते, पंडित नेहरुंची ती आकांक्षा होती. खरा बदल गावातून अन् गावातील लोकांच्दारेच घडून येईल. बाहेरुन लादता येणार नाही असे पंडितजी सांगत, त्यांच्या दृष्टीने पंचायती राज्य हे सर्वांजीण विकास व आत्मनिर्भरता प्राप्त करुन, ग्रामीण भागाचा कायापालट घडविण्याचे प्रभावी साधन होते. राष्ट्रपित्याचे ध्येय अन् नवभारताच्या निर्मात्याची आकांक्षा ध्यानी ठेवून आणि आजवरचा अनुभव लक्षात घेऊन पंतप्रधान राजीव गांधी ह्यांनी लोकशाही प्रक्रिया कोट्यावधी ग्रामीण बांधवांच्या दारांशी नेण्याच्या व आजवर उपेक्षित व मागास राहिलेल्या दुर्बल घटकांना विकासाच्या संधी उपलब्ध करुन देण्याच्या हेतूने क्रांतिकारी पाऊल उचलले आहे. विकासाची गंगा त्यांनी थेट गावपातळीवर उतरविली आहे.

आपली सुघटित पंचायती राज्य व्यवस्था आणि श्रमशक्तीतून ग्रामविकास साधणारी नवी रोजगार हमी योजना, जवाहर रोजगार योजना अन् विशेष कृती योजना ह्यांसारख्या मौलिक कार्यक्रमांच्दारे महाराष्ट्र राज्य देशपातळीवरील ह्या प्रयत्नांना बळकटी देत आहे.

**कृतिशील शासन : महाराष्ट्र शासन**

**डीजिआयपीआर**

द्वारा : **महाराष्ट्र परिचय केंद्र, पणजी - गोवा**


'चित्रंगी' क उपाट येश आंवडेतां

# एक बरें मागपी

*With Best Compliments From :*

**" BEAUTICIANS "**

**HAIR AND BEAUTY CARE CLINIC**

MEHNDI DESIGNER
WITH
ELECTROLYSIS

Prop :
MRS. **SANDHYA K. MOPKAR**
3 CHURCH STREET
CURCHOREM – GOA

*With Best Compliments from :*

**AKAY ASSOCIATES**

**Engineers and Builders**

Tilve Mansion
Near Maruti Temple
Ponda - Goa

Made out of the Finest Materials

# MANGALORE GANESH BEEDIES

Smokers cannot afford to miss them

**DAILY SALES EXCEED 8 CRORE BEEDIES**

Head Office :

**MANGALORE GANESH BEEDI WORKS**

**VINOBA ROAD * MYSORE - 570 005**

**Telephone :** 20241, 27172

**Telegrams : 'AROMA'**

With Best Wishes From ;

## M/s- AMIRALI KASAMALI & SONS

*MALBHAT, MARGAO GOA*




घटस्फोट घेवपाक एक दांपत्य वकिलाकडेन आयलें. वकिलान म्हळें,
अशें एके गजालीचो उगडास करात जंय तुमचें दोगांयचें एकमत जाल्लें.
– एकूच फावट जाल्लें अशें.
बायलेन म्हळें.
– केन्ना ?
वकिलान खोशयेन विचारलें
– आमच्या घराक जेन्ना उजो पेटिल्लो तेन्ना फाटल्या दारांतल्यान भायर सरचें हांचेर एकमत जाल्लें.

□

सुशिला आपल्या घोवाची तक्रार घेवन दोतोरागेर आयलें. तोंड वांकडें करून ताणे दोतोराक म्हळें,
– दोतोर म्हजो घोव आजूनय न्हिदेंत बडबडटा.
दोतोर मातसो वाजेलो आनी ताणे म्हळें,
– तुमकां बायलांक समजिकाय ना. मातसो धीर धरात. वखदां दिल्यांत. गूण पडटलो.
– पूण
सुशिलान ताका मदींच आडायत म्हळळें,
– गूण पडपाचें म्हणीना हांव. ते मातशें स्पश्ट बडबडटले असलें कितेंतरी वखद दियात न्ही.

□

दोतोरान नरेशाक तपासलो आनी म्हळें,
– तशें कांय जावूं ना तुमकां. घडये पिवप चड जालां.
ते बरोबर नरेश उठलो आनी म्हणूक लागलो,
– बरें आसा दोतोर, तुमी साबुदीर आसतले तेन्ना हांव येतां.
शाळेंत गेल्लो महेश शाळा सुटचेआदींच दोळे चोळीत, रडत घरा आयलो आवयक अजाप जालें, तिणे विचारलें,
– बाबू शाळा सुटली ? तूं रडटा कित्याक ?
– म्हाका सरान मारलो.
– कित्याक ? कसली मस्तीपणां केलीं तुवें ?
– हावें कांयच करूं ना. हांव बांकार मुस्त न्हिदिल्लों.

□

हेवटेनच्यो तेवटेनच्यो गजाली करून जातकच सुरेशान आपल्या इश्टाक विचालें,
'हांवें अशें आयकलां कि तुजो बायल कमीत कमी खर्च करता म्हूण.'
'हय आमकां सामक्या गरजेच्या जिनसांवगर दीस काडचे पडटात.' सुरेशान मुस्कारून सांगलें.

□

श्यामराव नव्या विराड त रावपाक आयिल्ले. पावसाचे दीस आशिल्ले. वयल्यान गळपाक लागलें घरांत उदक जालें श्यामरावाक तिडक आयली तो तापूनच मालकागेर गेलो.
श्यामराव : कसलें बिराड हें. वयल्यान गळून घरांत तळें जालें.
मालक : आरे हावें पयलींच सांगिल्लें; सगळ्या कुडिनी उदक आसतलें म्हणून

घोव – म्हाका कळना. देवान बायलांक इतल्यो सुंदर कित्याक केल्यात आनी सुंदर करपाचें आशिल्लें जाल्यार तांचेमदीं इतलीं मुर्खपणां कित्याक घाल्यात

बायल – आमी सुंदर नाशिल्लीं जाल्यार तुमी दादले आमचेर खंय मरतले आशिल्ले ? आनी आमी मूर्ख नाशिल्ली जाल्यार तुमच्या प्रेमांत पडटलीं आशिल्लीं ?

□

नितेश स्वभावान बरोच कंजूश. ताच्यान पैशे मोडूंक जायनात. एक फावट फिरतेर आसतना ताणें बायलेक तिच्या वाडदिसाच्या निमतान एक चेक धाडलो चेकार बरयिल्लें – "पंचवीस हजार चुंबना." पळयना फुडें बायलेक तीडक मारली. तिणे रोकडीच घोवाक चीट बरयली. "तुमचो पंचवीस हजार चुंबनाचो चेक पावलो. हांव तो शेजाऱ्याकडल्यान वटोवन घेतां."

□

एके ट्रेनींत दोग भूरग खूबूच मस्ती करपाक लागले. प्रवाश्यांक तांचो खुबूच त्रास जावंक लागलो म्हूण ताणी कागाळ करतकच गार्डान येवन त्या भुरग्यांच्या बापायक शिटकायलो – भुरग्यांक मातशे ओंगी करात नाजाल्यार तुमी त्रासांत पडटले.

'त्रासांत ?' भूरग्यांच्या बापायन म्हळें.

'तुमकां खबर आसा पयलींच हांव कितलो त्रासांत पडला तो. म्हजी बायल हॉस्पिटलांत आसा. हांव काळजाचो बायटकार. म्हजो भाव सामको सिरीयस आसा. दोन दिसा पयली म्हजे चलयेन जुळ्या भुरग्यांक जल्म दिला. म्हज्या एका भुरग्यान आपलें बोट चाचयलां. दुसऱ्यान तिकिटां गिळ्ळ्यांत, आनीक आनी कमी म्हूण म्हाका आतांच कळून आयलां कि हांव चूकीचे ट्रेनीन बसलां म्हूण'

एक घोव बरोच लाडांत येवन बायलेक विचारता – म्हज्या मोगा, हांव मेलों जाल्यार तूं दुसऱ्या कोणाबरोबर लग्न करतली ?

बायल – केन्नाच ना.

घोव – खरेंच ? तूं म्हजेर खूब मोग करता न्ही ? तुका खऱ्यानीच दिसता ह्या संसारांत म्हजसारको दुसरो कोण ना ?

बायल – तशें न्ही म्हाका जाल्यार दिसता मगळे दादले तुमचेसारकेच आसात.

□

राजू : पापा हांव केन्ना व्हडलो जातलों ?

पापा : जातलो रे.

राजू : पूण केन्ना ? हांव खंयय भायर सरतलों जाल्यार म्हाका ममीक सांगपाची गरज पडूंक जायना इतलो व्हडलो जावंक जाय.

पापा : आरे, तितलो व्हड तर हांवूय जावंक ना.

□

वेंचणूक प्रचाराच्यो सभा चलताल्यो. विरोधी पक्षाचे फुडारी तावातावान उलयताले. एका फुडाऱ्यान म्हळें,

– आयजमेरेन तुमी सत्ताधारी पक्षाक मतां दिवन वेंचून हाडून पळयलें. ताणी तुमकां फटयल्यात. आतां एक वेळ आमकां संद दियात.

□

*With Best Compliments from :*

# M/s. KUDCHADKAR ORE & CHEMICAL PVT. LTD

Producers of :
Manganese Ore concentrates
Curchorem - Goa

तुमची इमारत सजोवपाक
आनी बरेतरेन उरपाक

सुपरस्नोसेम

वापरात

गोंयचे वितरक

एस. एन. एन्टरप्रायजिस

राधा बिल्डींग
बाजाराकडेन
पणजी - गोंय

उत्पादन करपी :

स्नोसेम इंडिया लिमिटेड

अ किलीक सबसिडीयरी
किलीक हावस, चरणजीत राय मार्ग
पोष्ट बॉक्स १०९
मुंबय ४०० ००१

TO AVOID HEALTH HAZARDS
PURCHASE MEAT FROM
GOA MEAT COMPLEX SOURCE ONLY

Issued by :

**Goa Meat Complex Ltd.**

Vishal Bldg.,
Dr. Braganza Pereira Road,
St a. Inez,
Panjim 403 001

सोबीत
छापणावळीच्या
कामांखातीर

**अपुरबाय प्रिंटर्स**
वळवय - फोंडें
गोंय - ४०३ ४०१

# आमचीं फुडलीं उजवाडावपां

| | | |
|---|---|---|
| १. बाबू | बालनवलिका | एन शिवदास |
| २. अंतरआयामी | कथा | गोकुलदास प्रभु |
| ३, सोक्रेतीस | चरित्र | रवीन्द्र केळेकार |
| ४. दिगंत | एकांकी संग्रह | पुंडलीक नायक |
| ५. देवाचे चोर | एकांकी | ,, ,, |
| ६. दायज | नाटक | ,, ,, |
| ७. उर्मिला | कथा | रजनी भेंब्रे |
| ८. अस्तुरीमृग | लेख | हेमा नायक |

# दुसरी आवृत्ती

| | | |
|---|---|---|
| १. गा आमी राखणे | कविता | पुंडलीक नायक |
| २. चौरंग | एकांकी संग्रह | पुंडलीक नायक |

अपुरबाय प्रकाशन
वळवय-फोंडें
गोंय : ४०३ ४०१

# CONSUMERS BE AWARE OF YOUR RIGHTS

In relation to all goods and services.
If you have any complaint that :-

(i) As a result of any unfair trade practice adopted by any trader you have suffered loss or damage;

(ii) The goods suffer from one or more defects;

(iii) A trader has charged for the goods a price in excess of the price fixed or displayed on the goods or any package containing such goods.

(iv) The services including services connected with Banking, Insurance, Transport, Financing, supply of Electrical or other energy Board or lodging, or both, entertainment etc. suffer from deficiency in any respect; The consumer may complain before the Consumer Dispute Redressal Forum-Goa at panaji, Administrative Tribunal Building, panaji. (Near Mosque and Church) for getting your grievances redressed under the consumer protection Act 1986.

*Issued by*

**DIRECTORATE OF CIVIL SUPPLIES & PRICE CONTROL,**
PANAJI-GOA.

# ग्रामीण उदरगतीखातीर बायोगॅसाची येवजण

बायोगॅसाचे प्लांट उबारून ग्रामीण उर्जाशक्तिचो प्रश्न सोडयात.
बांदपाक सोपे अशे, उण्या खर्चाचे आनी थळाव्या जाग्यांनी मेळटा तशे चिरे, वीटो आनी हेर सामानानी बांदून काडूं येता अशे नवे तरेचे जनता/दीनबंधू बायोगॅस प्लांट उबारात. अग्रक्रमान शिमीट दितात.

शेतकी खातें आनी बँकांमार्फत रीगा दिवन तांत्रीक माहिती आनी अर्थीक मदत दितात.

**फायदे**

रांदपांखातीर आनी उजवाडाखातीर गॅस, तणाच्या बियांचें कुकट वांटप, शेताखातीर तयार सारें.

**अनुदान रुपयांनी दिवपाची मांडावळ**

| ी तांक<br>ा. गॅस<br>ता) | अनुसुचीत जाती/जमाती | | | ल्हान धारागत शेतकामती आनी शेत नाशिल्ल्या कामदारांखातीर | | | हेर सगळ्यांखातीर (सामान्य वर्ग) | | |
|---|---|---|---|---|---|---|---|---|---|
| | केंद्र सरकार | गोंय सरकार | एकूण अनुदान | केंद्र सरकार | गोंय सरकार | एकूण | केंद्र सरकार | गोंय सरकार | एकूण |
| | 1250 | 1000 | 2250 | 1250 | 1000 | 2250 | 1000 | 1000 | 2000 |
| | 2350 | 1000 | 3350 | 2350 | 1000 | 3350 | 1560 | 1000 | 2560 |
| | 2860 | 1000 | 3860 | — | — | — | 1900 | 1000 | 2900 |
| | 2860 | 1000 | 3860 | — | — | — | 2140 | 1000 | 3140 |
| | — | — | — | — | — | — | 2610 | 1000 | 3610 |
| | — | — | — | — | — | — | 2610 | 1000 | 3610 |
| | — | — | — | — | — | — | 2610 | 1000 | 3610 |

ज्या शेतकामत्यांकडेन गोरवां/कोंबयो/दुकरां आसात ताणी ह्या येवजण्यांचो लाव घेवपाक त्या त्या तालुक्यांतल्या विभागीय विकास शेतकी अधिकारी आनी शेतकी खातें पणजी हांचेकडेन संपर्क सादचो.

## शेतकी खातें

**गोंय सरकार, पणजी** हांचे वतीन

# ।। दिवाळेचीं परबीं ।।

गरीबी, अज्ञान, विषमताय आनी वायटां हांच्या रुपांतलो काळोख ना करून समस्त गोंयकारांच्या जिवितांत सुखसमृद्धतायेचो उजवाड फांकचो म्हण नियोजनबद्ध विकासांवरवीं गोंय सरकारान अखंड कश्ट चालू दवरल्यात.
ताचोच परिणाम म्हण सादूक पाविल्लीं हीं कांय उद्दिश्टां.

* २० वसांत 'समाज कल्याण' मळार २०० कोट रुपये गुंथोवन जगपाचे पद्दतींत सुदारप.
* उद्देगांत २०० कोटी रुपयांची गुंतवण : उद्देगीक उदरगतिचेर वेगी इलेक्ट्रोनीक्स शाराचो मुकूट.
* दर एका गांवांत विजेची खेळवण - गरीबांक फुकट वीजपुरवण.
* ६४ टक्के साक्षरता - प्रौढ साक्षरतेचो हावेशी कार्यावळ उंचेल्या माध्यमीक पांवड्यामेरेन फुकट शि
* दरमनशी येणावळ ५००० रुपयांपरस चड.
* उदरगतिचो वेग ८ टक्के.
* सगळ्यांक मलायकी सेवा - ५००० लोकसंख्येक एक उपआरोग्य केंद्र - जल्मप्रमाण दर हजारी १८-२४ तर मरणाचें प्रमाण ६-७२
* गोंयकारांखातीर खासा वखद - उपचारांखातीर ५००० रुपयांची मलायकी विमो येवजण.

जैतीवंत भावनेन दिवाळी मनयताना जनतेक सांगाताक घेवन सुखाची आनी समृद्धतायेची नवी तेमी जिखपाखातीर आमी परत पेंगट बांदून वावरूंया.

## माहिती आनी प्रसिद्धी संचालनालय

**गोंय सरकार - पणजी**

हांचेवतीन